मयलाफातर

ಮಯ್ಲಾಫಾತರ್

वेंचीक २७ कोंकणी कविता

ವಿಂಚ್ಣಾರ್ 27 ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತಾ

ಸಂಪಾದನ್: ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್
सपादन: वल्ली क्वाड्रस

वल्ली क्वाड्रस

उडुपी तालुकांतल्या अजेकार गांवांत जल्मून, देस-विदेशांनी काम करून सद्याक मुंबंयत जियेंवचो वलेरियन क्वाड्रस BCA, MBA तशेंच IIIT Bangalore थावन PG Diploma (Data Science) शिकून ग्लोबल IT कल्सल्टेंट जावन काम करता.

२००१ इसवे थावन कन्नड, कोंकणी, इंगलीश, हिंदी भासेंनी कांय ३०० कविता बरयल्यात. **'च्यार मुखां (२००३)'**, **'कटपुतळी'** (२००४), **'दरभारांतली पिंरगोण** (२००५)', **'बजार** (२०१८)', **'भितरलो कवी'** (२०२०) हे पांच कोंकणी कविथा जमे तशेंच **'नवरत्न** (२००३)' इंगलीश कविता जमो पर्गटला. 'कविताझर', 'कवितादायज', 'कवितांकर', 'सवारी''हीं कवितेचीं अंकणां चलयल्यांत. मंगळूर आकाशवाणिचेर कविता प्रचार केल्यात.

'कवितापाठ' – २००४ थावन चलंवचें कवितेचीं अध्ययन कामासाळां.

'तिंतेरांत पिंतुरां (२००६)', **'उतरांत सूतरां** (२००७)' म्हळ्ळीं मयन्याचे कविता स्पर्धे मांडून हाडल्यात.

'कवितापाठ (२००५)', **'दरयाक उदक** (२००६)', **'काळोक नातल्लो गांव** (२००७)', **'मुगदनातल्लीं गितां** (२०१७)', **'सुकती भरती** (२०१८)' म्हळ्ळे पांच कवितेचेर अध्ययन, संपादन करून पर्गट केल्ले बूक.

'मोतियां आनी तारां (२००४)', **'सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (२००५)', **'तिंतेरांत पिंतुरां** (२००६)', **'शिंपडलेलीं मोतियां** (२००६)' हाणें संपादन केल्ले कविता संकलनाचे बूक. कवितेचेर, केल्लीं अध्ययनांक गोंय, मंगळूर तशेंच मुंबंयत चलल्ल्या राश्ट्रीय सम्मेळनांनी सादर केल्यांत.

सह-संपादक जावन 'काणीक (१९८९-१९९१)', 'उदेव (१९९०-९१)', 'आमचो युवक (१९९०-९१)' पत्रांनी वावर केला.

संपादक जावन **'दायज.कोम** (२००३-२०११)', **'पयणारी.कोम** (२०१५-)' साहितीक जाळीजाग्याचेर वावर करून आसा.

आशावादी प्रकाशन थावन ४६ बूक पर्गट केल्यात आनी हेर कविंच्या बुकांचेर प्रसतावन बरवन, संपादन, लिपियंतर करून पर्गटल्यात.

कोंकणगार प्रकाशन

ಮಯ್ಲಾಫಾತರ್

[ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ್ ಮಟ್ಟಾಚ್ಯೊ 27 ವೆಂಚಿಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತಾ]

ಲಿಪಿಯಂತರ್, ಸಂಪಾದನ್: ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್

मयलाफातर

[राश्ट्रीय मट्टाच्यो २७ वेंचीक कोंकणी कविता]

लिपियंतर, संपादनः **वल्ली क्वाड्रस**

ಕೊಂಕಣ್‌ಗಾರ್ ಪ್ರಕಾಶನ್

कोंकणगार प्रकाशन

'Moila Fator' *- A compilation of 27 Konkani poems published i*
www.poinnari.com, transliterated and edited by Valley Quadras
published by ***Konkonngar Prokoxon, H.No. 1320, Araddy***
Candolim, Bardez, Goa - 403515

(C) KONKONNGAR PROKOXON

First Edition	:	2020
Copies	:	500
Cover	:	Pinto Vamanjoor
Layout	:	Assisi Press, Mangalore
Technical assistance	:	Fr.Jason Pinto
Pages	:	142+4
Price	:	Rs.200
ISBN	:	978-81-944839-2-2

978-81-944839-2-2

Contact:

Email	:	konkonngar@gmail.com
WhatsApp	:	7021967880
Twitter	:	@valleyquadras

ಮಾಂಡಾವಳ್

- "ಮಯ್ಲಾ ಫಾತರ್" ಉತ್ತಮ್ ಉಪಕ್ರಮ್ 4
- ಮಯ್ಲಾ ಫಾತರ್ 6
- ಭಾವನಾಂ ಆನಿ ಕವನಾಂ 8
- ಏಕ್ ಮಯ್ಲಾ ಫಾತರ್- ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾವ್ಯ್ ಇತಿಹಾಸಾಚೊ 18

1. ಕಾಳ್ಯಾ ಪಯ್ಶ್ಯಾಚ್ಯಾ ಆರೊಪಾಂತ್ 22
2. ನಾಂ ತರ್ ತುಂ 26
3. ಧಾಂವ್ 28
4. ಭವ್ತಾರಣಿ 30
5. ಆನಾಚೊ ಪುಡ್ವೊ..! 32
6. ತಿ ವಾಟ್ 36
7. ಮನ್ಶಾಚೆಂ ಮಟಣ್ 38
8. ಪ್ರವಚನ್ 40
9. ಅನ್ಯಾಯ್ 42
10. ಮಾನಸ್ ಕನ್ಯಾ 44
11. ಮುಂಬಯ್ಚೊ ಪಯ್ಲೊ ಪಾವ್ಸ್ 48
12. ಭುರ್ಗೆಂಪಣ್ 50
13. ಪೀಕ್-ವೀಕ್ 52
14. ಶೂನ್ಯ್ ಹಿಶೋಬ್ 54
15. ಶೆಳಾಂವ್ ಯಾದಿ 56
16. ಮನಾಂತಲೊ ಪಾವ್ಸ್ 58
17. ಬಾಪುಯ್ 60
18. ರಾವ್ಲ್ಲೆಂ ಘಡಿಯಾಳ್ 64
19. ಕಾಳೀಜ್ ಉಡ್ಟಾ ಮನ್ ರಡ್ಟಾ 66
20. ಪಾವ್ಳಿ 68
21. ಬಂಡ್ 70
22. ಅತಿವಾಸ್ತವ್ ದೈವಗತಿ 74
23. ಚಿತ್ತಾರಾಂತುಲಿ ಚೆಲ್ಲಿ 78
24. ಜಿವೀತ್ 82
25. ಪ್ರತಿಬಿಂಬ್ 84
26. ಮಾಳೊ 86
27. ಉದ್ಕಾಚೆ ಥೆಂಬೆ 90

मांडावळ

- "मयला फातोर" उत्तम उपक्रम 5
- मयला फातर 7
- भावनां आनी कवनां 9
- एक मैयला फातर – कोंकणी काव्य इतिहासाचो 19

काळ्या पयशाच्या आरोपांत 23
नां तर तूं 27
धांव 29
भवतारणी 31
आनाचो पुडवो...! 33
ती वाट 37
मनशाचें मटण 39
प्रवचन 41
अन्याय 43
मानस कन्या 45
मुंबयचो पयलो पावस 49
भुरगेंपण 51
पीक–वीक 53
शून्य हिशोब 55
शेळांव यादी 57
मनांतलो पावस 59
बापुय 61
रावल्लें घडियाळ 65
काळीज उडटा मन रडटा 67
पावळी 69
बंड 71
अतिवास्तव दैवगती 75
चित्तारांतुली चेल्ली 79
जिवीत कविता 83
प्रतिबिंब 85
माळो 87
उदकाचे थेंबे 91

“ಮಯ್ಲಾ ಫಾತರ್” ಉತ್ತಮ್ ಉಪಕ್ರಮ್

(ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ್ ಮಟ್ಟಾಚ್ಯೊ ವೆಂಚಿಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತಾ)

‘ಕಾಳ್ಯಾ ಪೈಶಾಚ್ಯಾ ಆರೊಪಾಂತ್’ ಹೆ ಕವಿ ಅಮೆಯ್ ನಾಯ್ಕ್ ಹಾಂಗೆಲೆ ಉತ್ಕೃಷ್ಟ್ ಕವೀತೆನ್ ಹ್ಯಾ ಝುಲ್ಯಾಚೊ ಗೊಫ್ ಆರಂಭ್ ಜಾತಾ. ಕವಿತಾ, ವಾಚ್ಪ್ಯಾಕ್ ಕಸ್ಲೆ ಆನಂದ್ ಭೊಗಯ್ತಾ, ಹೆಂ ನೆಮ್ಕೆಂ ಮುದ್ದ್ಯೆರ್ ಥೀಕ್ ಕಶೆಂ ಸಾಂಗಪ್ ಜಾಯ್ನಾ. ಪೂಣ್ ಥೀಕ್ ಜಶೆಂ ಚಕ್ಚಕೂನ್ ಲಕ್ಷ್ ಒಡೂನ್ ಘೆತಾ, ತಶೊ ಹ್ಯಾ ಝುಲ್ಯಾತ್ಲ್ಯೊ ಖೂಪ್ಶ್ಯೊ ಕವಿತಾ, ಕವಿತೆಚಿಂ ಥಿಕಾಂ ಕಶಿಂ ಚಕ್ಚಕತಾತ್, ತಿಂ ಆಮ್ಚೆಂ ಲಕ್ಷ್ ಒಡೂನ್ ಘೆತಾತ್.

ಹ್ಯಾ ಝುಲ್ಯಾಚಿಂ 25 ಥಿಕಾಂ ತಶಿಂ ಲಾಖ್ಮೊಲಾಚೀಂಚ್, ಪೂಣ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾಂಚೆಂಚ್ ಮೊಲ್ ಸಾರ್ಕೆಂ ಎಕ್ಸಾರಕೆಂ ಜಾಯ್ನಾ, ಹೆಂವೂಯ್ ತಿತ್ಲೆಂಚ್ ಖರೆಂ. ಕವಿತೆಚ್ಯಾ ಬಾಬ್ತೀಂತ್ ತರ್ ಸಾಮ್ಕೆಂ ಖರೆಂ ಕಾರಣ್ ದರ್ ಎಕ್ ಚಿಂತ್ನಾಚೊ ಜೊ ಉಜ್ವಾಡ್ ಘೆವ್ನ್ ಯೆತಾ, ತಾತುಂತ್ ಅಸಂಖ್ಯ್ ಕಿಣಿ ಆಸ್ತಾತ್ ಆನಿ ಸಗ್ಳೆ ಕಿಣಿ ಕವೀಪ್ರತಿಭೆಚೊಚ್ ವಿಂಗಡ್ ವಿಂಗಡ್ ದಿಶ್ಟಾವೊ ದಿತಾ.

“ಮೈಲಾ ಫಾತರ್” ಹೊ ಝುಲೊ ಸಂಗ್ರಹಿತ್ ಗುಂತ್ಲಾ ತೊ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಶಿ ಪ್ರದೆಶಾಂತ್ಲ್ಯಾ ವೆಗ್- ವೆಗ್ಳ್ಯಾ ಕವಿಂಚ್ಯಾ ಕವಿತಾಂಚೊ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಶಾ ಶೈಲಿ ಆನಿ ಪ್ರಾಂತೀಯ್ ಥಳಾವೊ ಪ್ರಭಾವ್ ತೆ ತೆ ಕವಿತೆಚೆರ್ ಆಸಾಚ್, ದೆಖೂನ್ ಗೊಂಯ್ಚಿ ಕವಿತಾ, ಮಂಗಾಳೂರಚಿ ಕವಿತಾ, ಮುಂಬಯ್ - ಮಾಲವ್ಣಚಿ ಕವಿತಾ ಆಪ್ಣಾಲೆ ವೆಗ್- ವೆಗ್ಳೆ ಆಪ್ಣಾಲೆ ಸಭಾವಿಕ್ ಅಭಿವ್ಯಕ್ತಿಕ್ಲ್ಯಾನ್ ದಾಖಯ್ತಾತ್.

ಖಂಯ್ಚ್ಯಾ ಕವೀತೆಚೊ ಉಲ್ಲೆಖ್ ಕೆಲ್ಯಾರ್, ಎಕ್ ದುಸರ್ಯಾಚೆರ್ ಅನ್ಯಾಯ್ ಜಾವ್ಚೊನಾ, ಅಶೆಂ ಧರೂನ್ ಕಾಂಯ್ ಕವಿತಾ ಖೂಪಚ್ ಲಕ್ಷವೆಧಿ ಆಸಾತ್.

ತಾತುಂತ್ ಶಯ್ಲೇಂದ್ರ್ ಮಹ್ತಾ, ಅಮೆಯ್, ಪೂರ್ಣಾನಂದ್, ದೀಪ್‌ರಾಜ್, ಗ್ವಾದಾಲೂಪ್, ಹನುಮಂತ್, ಚಿಕ್ಕಪಾಂಗ್ಳಾ, ಎಲಾಸ್, ಮನೊಜ್, ಪ್ರಕಾಶ್ ಆದಿ. ಸಗ್ಳ್ಯಾಂಚೆಂ ಪ್ರತಿನಿಧಿತ್ವ್ ಸೊಬ್ತಾ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತಾ ಆತಾಂ ಕೂಸ್ ಪರ್ತುನ್ ರಾವ್ಲ್ಯಾ. ಹೆ ಆದಿಂ ರಮೆಶ್ ವೆಳುಸ್ಕರ್ ಆನಿ ಮಾಧವ್ ಬೊರ್ಕರಾಚೆ ಪೀಳ್ಗೆನ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತೆಕ್ ನವೆ ಆಯಾಮ್ ದಿಲ್ಯಾತ್. ಆನಿ ಆತಾಂ ತಾಂಚೆನಂತರ್ ಹೆ ಕವಿ ಆಪ್ಲಿಂ ವೊಲ್ತಾಂ ಕವಿತೆಂತ್ ಮಾರೂನ್ ತಡಿ ಹೂಪುಂಕ್ ಪ್ರಯ್ತ್ನ ಕರ್ತಾತ್. ಖೂಪ್ ಆಶಾವಾದಿ ಜಾವ್ಪಾಕ್ ಹರ್ಕತ್ ನಾ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತೆಚೊ ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ್ ಪಾಂವಾಡ್ಯಾರೂಯ್ ಅಂದು- ಪೊರುಂ ಭೊವ್ ಸಮ್ಮಾನ್ ಜಾಲಾ. ನಿಲ್ಬಾ ಜಾಂವ್ ಪರೆಶ್ ಹೆಚ್ ಪಿಳ್ಗೆಚೆ ಧನಿ, ತಾಣಿ ಕವಿತೆಕ್ ಪ್ರತಿಷ್ಠಾ ಪ್ರಾಪ್ತ್ ಕರೂನ್ ದಿಲ್ಯಾ.

“ಮೈಲಾ ಫಾತರ್”, ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನಾನ್ ಹೊ ಝುಲೊ ಗುಂತ್ಲಾ. ತಾಜೊ ಸಂಪಾದಪಿ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರೂಸ್ ಹಾಂಚಿ ತೊಖ್ಣಾಯ್ ಕರೂಂಕಚ್ ಜಾಯ್. ಮುಂಬಯ್ತ್ ಮಂಗ್ಳೂರಾತ್ ತೆ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತೆಚೆರ್ ತೆ ಬರೊ ವಾವ್ರ್ ಕರ್ತಾತ್, ಹೆಂ ಮುದ್ದಮ್ ಹಾಂವ್ ನಮೂದ್ ಕರ್ತಾಂ. ತೆ ಭೊವ್ತಾತ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಗಾಂವಾಂನಿ ಕೊಂಕ್ಣ್ಯಾಂಕ್ ಜೊಡುಂಕ್ ಆನಿ ಎಕ್ ಪೂಲ್ ಬಾಂದುಂಕ್ ತಾಂಕಾ ಜೈತ್ ಯೆಂವ್ ಅಶೆಂ ಆಂವಡೆತಾಂ.

ಎನ್. ಶಿವ್‌ದಾಸ್
ಫರ್ಮಾಗುಡಿ, ಫೊಂಡೆ.

"मयला फातोर" उत्तम उपक्रम
(राश्ट्रीय मट्टाच्यो वेंचीक कोंकणी कविता)

'काळ्या पैशाच्या आरोपांत' हे कवी अमेय नायक हांगेले उत्कृश्ट कवीतेन ह्या झेल्याचो गोफ आरंभ जाता. कविता, वाचप्याक कसले आनंद भोगयता, हें नेमकें मुदयेर थीक कशें सांगप जावचेंना. पूण थीक जशें चकचकून लक्ष ओडून घेता, तशो ह्या झेल्यातल्यो खूपशो कविता, कवितेचीं थिकां कशीं चकचकतात, तीं आमचें लक्ष ओडून घेतात.

ह्या झेल्याचीं २५ थिकां तशीं लाखमोलाचींच, पूण सगळ्यांचेंच मोल सारकें एकसारकें जायना, हेंवूय तितलेंच खरें. कवितेच्या बाबतींत तर सामकें खरें कारण दर एक चिंतनाचो जो उजवाड घेवन येता,तातुंत असंख्य किणी आसतात आनी सगळे किणी कवीप्रतिभेचोच विंगड विंगड दिश्टावो दिता.

"मैला फातोर" हो झेलो संग्रहित गुंतला तो कोंकणी भाशी प्रदेशांतल्या वेग-वेगळ्या कविंच्या कवितांचो कोंकणी भाशा शैली आनी प्रांतीय थळावो प्रभाव ते ते कवितेचेर आसाच, देखून गोंयची कविता, मंगाळूरची कविता, मुंबय - मालवणची कविता आपणाले वेग- वेगळे आपणाले सभाविक अभिव्यक्तितल्यान दाखयतात.

खंयच्या कवीतेचो उल्लेख केल्यार, एक दुसऱ्याचेर अन्याय जावचोना, अशें धरून कांय कविता खूपच लक्षवेधी आसात.

तातुंत शैलेन्द्र महता, अमेय, पूर्णानंद, दिपराज, ग्वादालूप, हनुमंत, चिक्कपांगळ, एलास, मनोज, प्रकाश आदि. सगळ्यांचें प्रतिनिधित्व सोबता. कोंकणी कविता आतां कूस परतुन रावल्या. हे आदीं रमेश वेळुस्कर आनी माधव बोरकराचे पीळगेन कोंकणी कवितेक नवे आयाम दिल्यात. आनी आतां तांचेनंतर हे कवी आपलीं वोल्तां कवितेंत मारून तडी हूपुंक प्रयत्न करतात. खूप आशावादी जावपाक हरकत ना. कोंकणी कवितेचो राश्ट्रीय पांवाड्यारूय अंदू- पोरूं भोव सम्मान जाला. निलबा जांव परेश हेच पिळगेचे धनी, ताणी कवितेक प्रतिष्ठा प्राप्त करून दिल्या.

"मैला फातोर", आशावादी प्रकाशनान हो झेलो गुंतला. ताजो संपादपी वल्ली क्वाड्रस हांची तोखणाय करूंकच जाय. मुंबयत मंगळूरात ते कोंकणी कवितेचेर ते बरो वावर करतात, हें मुद्दम हांव नमूद करतां. ते भोवतात कोंकणी गांवांनी कोंकण्यांक जोडुंक आनी एक पूल बांदुंक तांका जैत येंव अशें आंवंडेतां.

एन. शिवदास
फर्मागुडी, फोंडे

ಮಯ್ಲ್ಯಾ ಫಾತರ್

ಕವಿ ವರ್ಡ್ಸ್ ವರ್ತಾನ್ ಸಾಂಗ್ಲೆಲೆಂಉತಾರ್ "ಆಪ್ಣಾ ಭಿತರ್‌ರೊಂಬುನ್ ಆಸ್ಲೆಲಿಂ ಬಳಾದಿಕ್ ಭೊಗ್ಣಾಂ ಭಾಯ್ರ್ ಯೆಂವ್ಚಿಂಚ್ ಕವಿತಾ ಜಾವ್ನಾಸಾ" ಹ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾರ್ ದಿಸುನ್ ಆಯ್ಲೆಂ. ರೊಸಾಳ್ ಕವಿತೆಂಚೊ ಅನ್ಯೇಕ್ ಪೆಳೊ ತುಜ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ಆಸಾ. ಸಪ್ತ ಕೊಂಕಣಾಚ್ಯಾ ಲೊಕಾಂನಿ ಲಿಕ್ಲೆಲ್ಯಾ ಪಾನಾಂಕ್ ಗುಂತುನ್ ಮಯ್ಲ್ಯಾ ಫಾತರ್ ಉದೆಲಾ. ಹ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಂತ್ಲ್ಯೊ ಕವಿತಾ ವಾಚ್ತಾನಾ ವೆವೆಗ್ಳ್ಯಾ ಕವಿಂಚಿ ಭೊಗ್ಣಾಂ ವೊಮ್ತುನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಆಯ್ಲೆಲೆಂ ಪಳಯ್ಲೆಂ. ಥೊಡ್ಯಾಂನಿ ಶೀದಾ ಉತ್ರಾಂನಿ ಸಾಂಗ್ಲ್ಯಾರ್, ಸಬಾರ್ ಕವಿಂನಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಗುಂಡಾಯೆಚ್ಯಾ ಚಿಂತ್ಪಾಕ್ ಘಾಲೆಂ.

ಕನ್ನಡ ಲಿಪಿಯೆಂತಲ್ಯಾ ಕೊಂಕಣಿ ಕವಿತಾ ಶೆತಾಂತ್ ಯೆದೊಳ್ ಪಾಸೊನ್ ಥೊಡೆ ಕವಿತಾ ಸಂಕಲನಾಂ ಪರ್ಗಟುನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಕವಿ ಜೆ. ಬಿ. ಮೊರಾಯಸಾನ್ ಜಾಂವ್, ಸ್ವಾಮಿ ಸುಪ್ರಿಯಾನ್ ಜಾಂವ್, ಮೆಲ್ವಿನ್ ರೊಡ್ರಿಗಸಾನ್ ಜಾಂವ್ ಹ್ಯಾ ಬುಕಾಂಚೆಂ ಸಂಪಾದಕ್‌ಪಣ್ ಕೆಲಾಂ. ಬಾಬ್ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾಚ್ಯಾ ಸಂಪಾದಕ್ ಪಣಾಖಾಲ್ ಸಯ್ತ್ ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನಾಥಾವ್ನ್ **'ಮೊತಿಯಾಂ ಆನಿ ತಾರಾಂ (2005)'**, **'ಸಾಗೊರಾಚ್ಯಾ ವಾಟೆಚ್ಯೊ ಝುರಿ** (2006 – ಪಯ್ಲೊ ಇ-ಬೂಕ್), **'ಶಿಂಪಡ್ಲೆಲಿಂ ಮೊತಿಯಾಂ (2007)'**, **'ತಿಂತೆರಾಂತ್ ಪಿಂತುರಾಂ(2007)'**, ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಪುಣ್ ಕನ್ನಡ, ನಾಗರಿ ತಶೆಂಚ್ ರೋಮಿ ಲಿಪಿಯಾಂನಿ ಪರ್ಗಟುನ್ ಯೆಂವ್ಚೊ ಹೊ ಖಿರೊಚ್ ಕೊಂಕಣಿ ಕವಿತಾ ಶೆತಾಂತ್ ಏಕ್ ಮಯ್ಲ್ಯಾ ಫಾತರ್ ಮ್ಹಣಚ್ಯಾಂತ್ ದುಭಾವ್ ನಾ.

ಪಯ್ಣಾರಿ.ಕೊಮ್ ಜಾಳಿಜಾಗ್ಯಾಚೆಂ ಸಂಪಾದನ್ ಕರುನ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಬಾಬ್ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾನ್ ಪರ್ಗಟ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ವಿಂಚ್ಣಾರ್ 27 ಕವಿತೆಂಕ್‌ಎಕ್ಟಾಂವ್ನ್ ಬುಕಾ ರುಪಾರ್ ಪರ್ಗಟ್ ಕರುನ್ ಕೊಂಕಣಿ ಕವಿತಾ ರಸಿಕಾಂಕ್ ಏಕ್ ವ್ಹಡ್ ದೇಣ್ಗಿ ದಿಲ್ಯಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆ ಮ್ಹಜೆ ಖಾಸ್ಗಿ ವಿಚಾರ್. ಕೊಂಕಣಿ ಕವಿತಾ ಶೆತಾಚೆಂ ನಂದನ್ ಜಾಂವ್.

ಪ್ರೇಮ್ ಮೋರಸ್
ಅಧ್ಯಾಪಕ್– ಯುನಿವರ್ಸಿಟಿ ಇವ್ನಿಂಗ್‌ಕೊಲೆಜ್, ಮಂಗ್ಳುರ್

मयला फातर

कवी वड्र्स वर्तान सांगलेलें उतार "आपणा भितर रोंबून आसलेलीं बळादीक भोगणां भायर येंवचिंच कविता जावनासा" ह्या पुसतकार दिसून आयलें. रोसाळ कवितेंचो अन्येक पेळो तुज्या हातांत आसा. सप्त कोंकणाच्या लोकांनी लिकलेल्या पानांक गुंतून मयला फातर उदेला. ह्या पुसतकांतल्यो कविता वाचताना वेवेगळ्या कविंची भोगणां वोमतून भायर आयलेलें पळयलें. थो?ांनी शीदा उत्रांनी सांगल्यार, सबार कविंनी म्हाका गुंडायेच्या चिंत्पाक घालें.

कन्नड लिपियेंतल्या कोंकणी कविता शेतांत येदोळ पासोन थोडे कविता संकलनां पर्गटून आयल्यांत. कवी जे. बी. मोरायसान जांव, स्वामी सुपरियान जांव, मेलवीन रोड्रिगसान जांव ह्या बुकांचें संपादकपण केलां. बाब वल्ली क्वाड्रसाच्या संपादकपणाखाल सयत आशावादी प्रकाशनाथावन 'मोतियां आनी तारां (२००५)', सागोराच्या वाटेच्यो झरी (२००६ – पयलो ई–बूक), 'शिंपडलेलीं मोतियां (२००७)', 'तिंतेरांत पिंतुरां (२००७)', पर्गटल्यात. पूण कन्नड, नागरी तशेंच रोमी लिपियांनी पर्गटून येंवचो हो खरोच कोंकणी कविताशेतांत एक मयला फातर म्हणच्यांत दुभाव ना.

पयणारी.कोम जाळिजाग्याचें संपादन करून आसच्या बाब वल्ली क्वाड्रसान पर्गट केल्ल्या विंचणार २७ कवितेंक एकटांवन बुकारुपार पर्गट करून कोंकणी कविता रसिकांक एक व्हड देणगी दिल्या म्हळ्ळे म्हजे खासगी विचार. कोंकणी कविताशेताचें नंदन जांव.

प्रेम मोरस

अध्यापक–युनिवर्सिटी इवनिंग कोलेज, मंगळूर

ಭಾವನಾಂ ಆನಿ ಕವನಾಂ

ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ದೆಖಿಲ್ಲೆಂ ಸೊಬೀತ್ ಸುಂದರ್ ಸಪನ್
ಪುರಾಯ್ ನಾ ಜಾಯ್ತ್ ಹ್ಯಾ ಭಂಯಾನ್ ಕಾಳೀಜ್ ರಡೂಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾಂ...
ದುಖ್ಖ್ ಮ್ಹಜೆಂ, ಉತ್ರಾಂ ಜಾವ್ನ್ ಜೆನ್ನಾ ಯೆವಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾಂ
ಹಾಂವ್ ತಾಕಾ ಎಕ್ ಬರಿ ಕವಿತಾ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾಂ...

ಸುನೆತ್ರಾಬಾಯೆಚ್ಯಾ ಜಿವೀತ್, ಹ್ಯಾ ಕವ್ನಾಂತಲಿಂ ಹಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಹ್ಯಾ ಕವಿತಾ ಝೆಲ್ಯಾಕ್ ಜೊಖ್ತಿಂ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಭೊಗ್ತಾತ್. ಹಾಕಾ ಎಕೂಚ್ ಎಕ್ ಕಾರಣ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ತೆ ಕವಿತೆಂತ್ ಭೊಗ್ಣಾಂ/ ಭಾವ್ನಾಂ ಲಿಪಿಲ್ಲಿಂ ಆಸಾತ್, ಜಿಂ ತಿಣೆಂ ಜೊಖ್ತ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂನಿ ಉಕ್ತಾಯ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಎಕ್ ಕವಿ ಕವಿತಾ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಬರಯ್ತಾ? ಹಾಕಾ ಜಾಯ್ತೊ ಜಾಪಿ ಆಸುಂ ಯೆತಾತ್. ಎಕ್ಲೊ ಮೊಗ್ ಉಕ್ತಾವಂಕ್ ಬರಯ್ತಾ, ಎಕ್ಲೊ ದೂಖ್ ವ್ಯಕ್ತ್ ಕರೂಂಕ್ ಬರಯ್ತಾ. ದುಸ್ರೊ ಎಕ್ಲೊ ಟಿಕಾ ಕರೂಂಕ್ ಬರಯ್ತಾ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಆನ್ಯೆಕಲೊ ತೊಖ್ಣಾಯ್ ಕರೂಂಕ್ ಕವಿತಾ ಬರಯ್ತಾ. ಕಾರಣ್ ಖಂಯ್ಚೆಂಯ್ ಆಸುಂ. ಪೂಣ್ ಕವೀಚೆ ಲೆಖ್ಣೆ ಥಾವ್ನ್ ಉತ್ರಾಯಿಲ್ಲಿಂ ತಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಕಾಳ್ಜಾ ಮನಾಂತ್ ಆಶಿಲ್ಲಿಂ ಭಾವ್ನಾಂ ಉತ್ರಾಂಚ್ಯಾ ರುಪಾರ್ ಯೆವ್ನ್, ಯಮಕ್ / ಪ್ರಾಸಾ ಪರ್ಮಾಣೆಂ ಬಸೊವ್ನ್ ಕವಿ ತಿಂ ಭಾವ್ನಾಂ ಕವಿತೆಚ್ಯಾ ರುಪಾರ್ ಹಾಡ್ತಾ. ದೆಖೊನ್ ಕವ್ನಾಂ ಹಿಂ ಭಾವ್ನಾಂ, ಆನಿ ಭಾವ್ನಾಂ ಕವ್ನಾಂ ಜಾವ್ನ್ ಉತ್ರಾಂ ರುಪಾರ್ ಆಮ್ಕಾಂ ವಾಚೂಂಕ್ ಮೆಳ್ಟಾತ್.

ಕವಿತಾಂಚೆಂ ಆಮಿ ವರ್ಗೀಕರಣ್ ಕರೂಂಕ್ ಗೆಲ್ಯಾರ್ ಘಡ್ಯೆ ಆಮ್ಕಾಂ ಜಾಯ್ತೆ ಪ್ರಕಾರ್ ಮೆಳ್ತೀತ್. ತೆ ಸಗ್ಳೆ ಪ್ರಕಾರ್ ಹಾಂಗಾ ವರ್ಣುನ್ ತಾಂಚೆರ್ ನಿಯಾಳ್ ಕರೂಂಕ್ ಹಾಂವ್ ಹಾಂಗಾ ಯೆವ್ಜಿನಾ. ಅಸ್ಲ್ಯಾ ಎಕಾ ಕವಿತಾ ಝೆಲ್ಯಾಂತ್ ತೆ ಸಗ್ಳೆ ಪ್ರಕಾರ್ ಮೆಳುಂಕೂಚ್ ಜಾಯ್, ಅಶೆಂಯ್ ನಾ. ಪೂಣ್ 27 ಕವಿತಾಂಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಸಂಗ್ರಾಹಾಂತ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಎಕೆ ರಿತೀಚಿ ವಿವಿಧತಾಯ್ ಪಳೊವಂಕ್ ಮೆಳ್ಟಾ. ಹಿ ವಿವಿಧತಾಯ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕಾಂಚೆ ವಿವಿಧತಾಯೆನ್ ಭರಿಲ್ಲಿ ಫಾಟ್ಭುಂಯ್, ತಾಂಚೆ ಸೂಖ್ ದೂಖ್, ಕಶ್ಟ್ ಸಂಕ್ಶ್ಟ್, ಬರೆಂ ವಾಯ್ಟ್, ಮೊಗ್ ರಾಗ್, ದಯಾ ಮಾಯಾ, ಆವ್ಹಾನ್ ಪಂತಾವ್ಹನಾಂ, ಇತ್ಯಾದಿ ವಾಚ್ಪ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾ ಮುಖಾರ್ ದವ್ರ್ತಾ.

ಮನೀಸ್ ಹ್ಯಾ ಸಂವ್ಸಾರಾಚೊ ಕೇಂದ್ರ್. ದೆಖೊನ್ ಮನ್ಶಾ ನದ್ರೆನೂಚ್ ಹ್ಯಾ ಕವಿತಾಂಚೆರ್ ಆಮಿ ನದರ್ ಘಾಲೂಂಕ್ ಫಾವೊ. ಮನ್ಶ್ಯಾನ್ ಜಿಯೆವಂಚ್ಯಾ ಸಮಾಜಾಂತಲಿಂ, ಮನ್ಶ್ಯಾಕ್ ಹೆರಾಂ ಕಡೆ ಉಮಾಳ್ಯಾಂನಿ ಭರ್ಲೆ ಸಂಬಂದ್ ಆನಿ ಮನ್ಶ್ಯಾನ್ ಜಲ್ಮ್ ಘೆತಿಲ್ಲೆ ಪ್ರಕೃತೀಂತಲಿಂ ಆನಿ ತಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಉಬ್ಜೊವಂಚಿಂ ಭಾವ್ನಾಂ "ಮೈಲಾಘಾತರ್" ನಾಂವಾಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಕವಿತಾ ಝೆಲ್ಯಾಂತ್ ಆಮ್ಕಾಂ ವಾಚೂಂಕ್ ಮೆಳ್ಟಾತ್. ಬಾರ್ಕಾಯೆನ್ ಹ್ಯಾ ಕವಿತಾಂಚೆರ್ ನದರ್ ಮಾರ್ಲ್ಯಾರ್ ಹಾಂಚೆ ಪರಸ್ ಚಡ್ ವಿಶಯ್ ಆಸಾತ್ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾಂತೂಯ್ ಕಾಂಯ್ ದುಬಾವ್

भावनां आनी कवनां

काळजांतल्यान देखिल्लें सोबीत सुंदर सपन
पुराय ना जायत ह्या भंयान काळीज रडूंक लागलां...
दुख्ख म्हजें, उतरां जावन जेन्ना येवंक लागलां
हांव ताका एक बरी कविता समजूंक लागलां...

सुनेत्राबायेच्या **जिवीत**, ह्या कवनांतलीं हीं उतरां ह्या कविता झेल्याक जोखतीं म्हण म्हाका भोगतात. हाका एकूच एक कारण म्हळ्यार ते कवितेंत भोगणां/ भावनां लिपिल्लीं आसात, जीं तिणें जोखत्या उतरांनी उकतायल्यांत. एक कवी कविता कित्याक बरयता? हाका जायत्यो जापी आसूं येतात. एकलो मोग उकतावंक बरयता, एकलो दूख व्यक्त करूंक बरयता. दुसरो एकलो टिका करूंक बरयता जाल्यार आन्येकलो तोखणाय करूंक कविता बरयता. कारण खंयचेंय आसूं. पूण कवीचे लेखणे थावन उतरायिल्लीं तीं उतरां काळजा मनांत आशिल्लीं भावनां उतरांच्या रुपार येवन, यमक / प्रासा परमाणें बसोवन कवी तीं भावनां कवितेच्या रुपार हाडटा. देखून कवनां हीं भावनां, आनी भावनां कवनां जावन उतरां रुपार आमकां वाचूंक मेळटात.

कवितांचें आमी वर्गीकरण करूंक गेल्यार घडये आमकां जायते प्रकार मेळटीत. ते सगळे प्रकार हांगा वर्णून तांचेर नियाळ करूंक हांव हांगा येवजिना. असल्या एका कविता झेल्यांत ते सगळे प्रकार मेळुंकूच जाय, अशेंय ना. पूण २७ कवितांच्या ह्या संग्राहांत आमकां एके रितीची विविधताय पळोवंक मेळटा. ही विविधताय कोंकणी लोकांचे विविधतायेन भरिल्ली फाटभूंय, तांचे सूख दूख, कश्ट संकश्ट, बरें वायट, मोग राग, दया माया, आव्हान पंताव्हनां, इत्यादी वाचप्यांच्या दोळ्या मुखार दवरता.

मनीस ह्या संवसाराचो केंद्र. देखून मनशा नदरेनूच ह्या कवितांचेर आमी नदर घालूंक फावो. मनशान जियेवंच्या समाजांतलीं, मनशाक हेरां कडे उमाळ्यांनी भरचे संबंद आनी मनशान जल्म घेतिल्ले प्रकृतींतलीं आनी तांतल्यान उबजोवंचीं भावनां ''मैलाफातर'' नांवाच्या ह्या कविता झेल्यांत आमकां वाचूंक मेळटात. बारकायेन ह्या कवितांचेर नदर मारल्यार हांचे परस चड विशय आसात म्हणच्यांतूय कांय दुबाव ना. जात कात, लिपी, प्रांत प्रदेश म्हळ्ळ्यो वणती मिकवून (पार करून) ह्या कविता झेल्याच्या संपादप्यान, श्री वल्ली क्वाड्रसान, कोंकणी भाशेच्या इतिहासांत खरेपणींच एक मैलाफातर उबारला.

ನಾ. ಜಾತ್ ಕಾತ್, ಲಿಪಿ, ಪ್ರಾಂತ್ ಪ್ರದೇಶ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯೊ ವಣ್ತಿ ಮಿಕ್ವೊನ್ (ಪಾರ್ ಕರೂನ್) ಹ್ಯಾ ಕವಿತಾ ಝೆಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ಸಂಪಾದ್ಯಾನ್, ಶ್ರಿ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸಾನ್, ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಶೆಚ್ಯಾ ಇತಿಹಾಸಾಂತ್ ಖರೆಪಣೀಂಚ್ ಎಕ್ ಮೈಲಾಫಾತರ್ ಉಬಾರಲಾ.

ಹ್ಯೊ ಕವಿತಾ ಸಮ್ಜೊನ್ ಘೆವಂಚೆ ಖಾತೀರ್ ಆಮ್ಯಾನ್ ತಾಂಚೆಂ ಮೊಟ್ವಾನ್ ವಿಶ್ಲೆಶಣ್ ಕರೂಂಕ್ ಜಾತಾ. ಹೆಂ ಮೊಟ್ವೆಂ ವಿಶ್ಲೆಶಣ್ ಕರ್ಚ್ಯಾಕ್ ವಾಚ್ಪ್ಯಾಂಕ್ ಆದಾರ್ ಕಸೊ, ತೀನ್ ಗಟ್ ಹಾಂವೆಂ ಹಾಂಗಾ ರಚ್ಲ್ಯಾತ್. ತೆ ಪರ್ಮಾಣೆಂ ತೀನ್ ಮಾಥಾಳೆ ಹಾಂವೆಂ ಹಾಂಗಾ ದಿಲ್ಯಾತ್:

- ಮನೀಸ್ ಆನಿ ಸಮಾಜ್
- ಮನೀಸ್ ಆನಿ ಮನೀಸ್
- ಮನೀಸ್ ಆನಿ ಪ್ರಕೃತಿ

ಮನೀಸ್ ಆನಿ ಸಮಾಜ್

ಮನೀಸ್ ಸಮಾಜಾಂತ್ ಜಿಯೆತಾ. ತೊ ಸಮಾಜ್ ತಾಕಾ ಪಾಳ್ಟಾ ಪೊಸ್ತಾ, ವಾಗಯ್ತಾ, ನಾಗಯ್ತಾ, ನಾಡಯ್ತಾ, ಹಾಲಯ್ತಾ, ಬಡಯ್ತಾ... ಸಮಾಜಾಂತ್ ಮನ್ಶ್ಯಾನ್ ಸೊಂಸ್ಚಿಂ ಹಿಂ ತೆಕ್ವಾರ್ ಭಾವ್ನಾಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಹ್ಯಾ ಕವಿತಾ ಝೆಲ್ಯಾಂತ್ ವಾಚೂಂಕ್ ಮೆಳ್ಟಾತ್. "ಕಾಳ್ಯಾ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಆರೊಪಾಂತ್", ತಣ್ಯಾ ಮನಾಚೊ ಅಮೆಯ್ ನಾಯ್ಕಾನ್, ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸರ್ಕಾರಾನ್ ಲಾಗು ಕೆಲ್ಯಾ ನೊಟ್ಬಂದಿ ನಿಮ್ತಾನ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ತ್ರಾಸಾ ವಿಶಿಂ ಆಪ್ಲಿಂ ಭೊಗ್ಣಾಂ ಉಚಾಲ್ಯಾಂತ್. ಗಿರೆಸ್ತಾಂಕ್ ತಾಚೊ ಫಾಯ್ದೊ ಆನಿ ಗರಿಬಾಂಕ್ ತಾಚೆಂ ಲುಕ್ಸಾಣ್ ಜಾಲೆಂ. ಕಾರಣ್ ಗಿರೆಸ್ತ್ ಲೊಕ್ ದೆಸಾ ಭಾಯ್ಲ್ಯಾ ಬಂಕಾಂನಿ ಆಪ್ಲೊ ಕಾಳೊ ಪಯ್ಸೊ ಘಾಲೂಂಕ್ ಶಕ್ಲೆ. ತಾಚ್ಯಾಚ್ ಉತ್ರಾಂನಿ ಮ್ಹಣ್ಚೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ –

ಧರ್ಮ್ ಪರಿವ್ತನ್ ಕರೂನ್
ಕಾಳ್ಯಾ ಪಯ್ಶ್ಯಾನ್ ಘೆತ್ಲೊ
ಭಾಯ್ಲ್ಯಾ ಬಂಕಾಂನಿ ರಾಜಾಶ್ರಯ್
ಯುದ್ಧ್ ಪಾತ್ಳೆರ್ ಜಾಲೊ ಪ್ನಯ್ಶ್
ತಾಂಚ್ಯಾ ಘರ್ವಾಪಸಿ ಖಾತೀರ್

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸಮಾಜಾಂತ್ ಅಸ್ತುರ್ಯಾಂಚಿ ಗತ್ ಕಶಿ ಆಸಾ ಮ್ಹಳ್ಯಾ ವಿಶ್ಯಾಚೆರ್ ತೀನ್ ಉತ್ತಮ್ ಕವ್ನಾಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಹಾಂಗಾ ವಾಚೂಂಕ್ ಮೆಳ್ಟಾತ್. ಗ್ವಾಡ್ಲೂಪಬಾಯೆನ್ ರಚಿಲ್ಲಿ **"ಅನ್ಯಾಯ್"** ಕವಿತಾ, ಹನುಮಂತ್ ಚೊಪ್ಡೆಕಾರಾಲಿ **"ಮಾನಸ್‌ಕನ್ಯಾ"** ಆನಿ ಸಂಗೀತಾ ನಾಯ್ಕಾಚಿ **"ಬಂಡ್"** ಕವಿತಾ. ಬಂಡ್ ಕವಿತೆಂತ್ಲ್ಯೊ ಹ್ಯೊ ವಳಿ ಬಾಯ್ಲಾಂಚೆ ಗತೀಚೆರ್ ಆಮಿ ನಿಯಾಳೂಂಕ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಉಲೊ ಮಾರ್ತಾ.

ನಾಜೂಕ್ ಕಳಿ,
ಫುಲಾಚಿ ಪಾಕ್ಳಿ,
ಸೊಂಶೀಕ್ ಪಾಂಯಾಂತಲೆಂ ಜೊತೆಂ,
ಅಶೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ವಾಡಯ್ಲಿಂತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್,
ಉರ್ಚೆಂನಾ ಹಾಂವ್ ಜಿತೆಂ.

ह्यो कविता समजून घेवंचे खातीर आमच्यान तांचें मोटव्यान विश्लेशण करूंक जाता. हें मोटवें विश्लेशण करच्याक वाचप्यांक आदार कसो, तीन गट हांवें हांगा रचल्यात. ते परमाणें तीन माथाळे हांवें हांगा दिल्यात:

- मनीस आनी समाज
- मनीस आनी मनीस
- मनीस आनी प्रकृती

मनीस आनी समाज

मनीस समाजांत जियेता. तो समाज ताका पाळटा पोसता, वागयता, नागयता, नाडयता, हालयता, बडयता... समाजांत मनशान सोंसचीं हीं तेकवार भावनां आमकां ह्या कविता झेल्यांत वाचूंक मेळटात. **"काळ्या पयश्यांच्या आरोपांत"**, तरण्या मनाचो अमेय नायकान, आमच्या सरकारान लागू केल्ल्या नोटबंदी निमतान जाल्ल्या त्रासा विशीं आपलीं भोगणां उचारल्यांत. गिरेस्तांक ताचो फायदो आनी गरिबांक ताचें लुकसाण जालें. कारण गिरेस्त लोक देसा भायल्या बँकांनी आपलो काळो पयसो घालूंक शकले. ताच्याच उतरांनी म्हणचें जाल्यार –

धर्म परिवर्तन करून
काळ्या पयशान घेतलो
भायल्या बँकांनी राजाश्रय
युद्ध पातळेर जालो प्नयत्न
तांच्या घरवापसी खातीर

आमच्या समाजांत अस्तुर्यांतची गत कशी आसा म्हळ्ळ्या विशयाचेर तीन उत्तम कवनां आमकां हांगा वाचूंक मेळटात. ग्वाडलूपबायेन रचिल्ली **"अन्याय"** कविता, हनुमंत चोपडेकाराली **"मानसकन्या"** आनी संगीता नायकाची **"बंड"** कविता. बंड कवितेंतल्यो ह्यो वळी बायलांचे गतीचेर आमी नियाळूंक आमकां उलो मारता.

नाजूक कळी,
फुलाची पाकळी,
सोंशीक पांयांतलें जोतें,
अशें म्हाका वाडयशीत जाल्यार,
उरचेंना हांव जितें.

मनीस आनी मनीस

मनशा कडे संबंद जोडची, उमाळे व्यक्त करची, बरें वायट समजून घेवंची तांक आसा. ह्या वर्तुळांत मनीस कसो वागता म्हळ्ळ्या विशयाचेर कांय कवनां हांगा आसात.

ಮನೀಸ್ ಆನಿ ಮನೀಸ್

ಮನ್ಶಾ ಕಡೆ ಸಂಬಂದ್ ಜೊಡ್ತಿ, ಉಮಾಳೆ ವ್ಯಕ್ತ್ ಕರ್ಚಿ, ಬರೆಂ ವಾಯ್ಟ್ ಸಮ್ಜೊನ್ ಘೆವಂಚಿ ತಾಂಕ್ ಆಸಾ. ಹ್ಯಾ ವರ್ತುಳಾಂತ್ ಮನೀಸ್ ಕಸೊ ವಾಗ್ತಾ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ವಿಶ್ಯಾಚೆರ್ ಕಾಂಯ್ ಕವ್ನಾಂ ಹಾಂಗಾ ಆಸಾತ್. **"ಧಾಂವ್"** ಹೆ ಕವಿತೆಂತ್ ಆಂತೊನಬಾಬಾನ್ ಆಧುನಿಕರಣಾಕ್ ಲಾಗೊನ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಮನ್ಶಾ ಸಂಬಂದಾಂನಿ ಉಪ್ರಾಶಿಲ್ಲಿ ಫೂಟ್ ವಾಚ್ಪ್ಯಾಂ ಮುಖಾರ್ ದವ್ರ್ಯಾ. ಬಾಪೂಯ್ ಆನಿ ಬಾಪೂಯ್ಪಣಾಚೊ ಮೊಗ್ ಹ್ಯಾ ವಿಶ್ಯಾಚೆರ್ ಚಿಕ್ಕ್ ಪಾಂಗ್ಳಾಚಿ **"ಆನಾಚೊ ಪುಡ್ವೊ"** ಆನಿ ರಮೇಶ್ ಗಡೀಚಿ **"ಬಾಪೂಯ್"** ಕವಿತಾ ಆಮ್ಕಾಂ ಕಾಳ್ಜಾಂ ಮುರ್ಗಟಾಯತಾತ್. ಹಿಂ ಕವ್ನಾಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕುಟುಂಬಾಂನಿ ಆಶಿಲ್ಲ್ಯಾ **"ಬಾಪೂಯ್"** ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತೀಚೆರ್ ಆಮಿ ಭರ್ ಘಾಲುಂಕ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಉಲೊ ಮಾರ್ತಾತ್. ಶೆಕಿಂ ಎಕ್ ತಾತ್ವಿಕ್ ಸತ್ ಚಿಕ್ಕ್ ಪಾಂಗ್ಳಾ ಆಮ್ಚೆ ಮುಖಾರ್ ದವ್ರ್ತಾ –

"ಜಲ್ಮಲ್ಲ್ಯಾ ಹರ್ಯೆಕ್ಲ್ಯಾಕ್ ಎಕ್ ದೀಸ್
ಮರುಂಕ್ ಜಾಯ್" !

ತಾಕಾಚ್ ಸಂಬಂದೀತ್, ಮನ್ಶಾಚ್ಯಾ ಜಿವಿತಾಂತ್ ಕೊಣಾಕೂಯ್ ಆದೆವ್ಸ್ ಮ್ಹಣ್ಟಾನಾ ಕಾಳೀಜ್ ಭೊಗ್ಲಾಂನಿ/ ಭಾವ್ನಾಂನಿ ಭರ್ತಾ. ರುಪಾಲಿ ಮಾವ್ಜೊಚಿ ಕವಿತಾ "ಕಾಳೀಜ್ ಉಡ್ಟಾ, ಮನ್ ರಡ್ಟಾ" ಹೀಂಚ್ ಭಾವ್ನಾಂ ವಾಚ್ಪ್ಯಾಂ ಮುಖಾರ್ ದವ್ರ್ತಾ. ಮನ್ಶಾ ಜಿವಿತಾಂತ್ ಭುರ್ಗೆಪಣಾಚೊ ಮ್ಹತ್ವ್ ಕೊಣಾಚ್ಯಾನೂಯ್ ನಾಕಾರುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ. ಭುರ್ಗೆಪಣ್ ಮನ್ಶಾಪಣಾಚಿ ಬುನ್ಯಾದ್ ಘಾಲ್ತಾ. ತೆಂ ಆಮಿ ಸದಾಂಚ್ ಜಿಯೆವಂಕ್ ಜಾಯ್. "ಭುರ್ಗೆಪಣಾಚ್ಯೊ ಯಾದಿ" ಹೆ ಕವಿತೆಂತ್ ಮನೊಜ್ ಕಾಮ್ತಾನ್ ಹೀಚ್ ಕಲ್ಪನಾ ತಾಚೆ ಕವಿತೆಂತ್ ಉಕ್ತಾಯ್ಲ್ಯಾ. ತಾಂಚ್ಯಾಚ್ ಉತ್ರಾಂನಿ–

ಭುರ್ಗೆಪಣ್ ಮೆಳ್ಟಾ ಎಕ್ದಾಂಚ್
ಖೊಶ್ಯೆನ್ ಸಾರುಂಕ್ ಜಾಯ್
ಉಮೆದೀಚ್ಯಾ ಲ್ಹಾರಾರ್ ಉಬತ್
ಸದಾಂಚ್ ಜಿಯೆವಂಕ್ ಜಾಯ್

ತೀಚ್ ಕಲ್ಪನಾ **"ಮಾಳೊ"** ಕವಿತೆಂತ್ ಉರ್ಜೆತಾ ಭೊಬೆ ಲೆಗೂನ್ ವ್ಯಕ್ತ್ ಕರ್ತಾ.

ಆದೆಸಭರ್ ಮಾಳ್ಯಾರ್ ಹಾಂವ್
ಪೂಣ್ ನಿತಳ್ ಕಾಂಯ್ಚ್ ಕೆಲೆಂ ನಾ
ಗುಟ್ಲಾವನ್ ದವ್ರಿಲ್ಲೆಂ ಭುರ್ಗೆಪಣ್
ಮ್ಹಜ್ಯಾನ್ ಹಾಲೊವಂಕ್ ಜಾಲೆಂ ನಾ

ಮನ್ಶಾಚೊ ಸಭಾವ್ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ಹಾಂಗಾ ಥೊಡ್ಯೊ ಅಮೂರ್ತ್ ಕವಿತಾ ಆಮ್ಕಾಂ ಮೆಳ್ಟಾತ್. ಕವಿತಾಂಚ್ಯಾ ಪ್ರಕಾರಾಂತ್ **"ಅಮೂರ್ತ್ ಕವಿತಾ"** (abstract poem), ಹ್ಯಾ ಪ್ರಕಾರಾಕ್ ಆಗ್ಳೊಚ್ ಎಕ್ ಮ್ಹತ್ವ್ ಆಸಾ. ಫಡ್ಯೆ ತ್ಯೊ ಕವಿತಾ ಆಮ್ಕಾಂ ಸಮ್ಜೊಂಕ್ ಕಷ್ಟ್ ಜಾತೀತ್, ಪೂಣ್ ತಾಂಚೊ ಸಂದೆಶ್ ಕಾಳೀಜ್ ಘಾಪ್ಟಿನಾಸತನಾ ರಾವ್ನಾ. ದೆಖೀಕ್, **"ಪ್ರವ್ಸನ್"** ಹೆ ಕವಿತೆಂತ್ ಎಲಿಯಾಸಬಾಬಾಲಿಂ ಹಿಂ ಉತ್ರಾಂ.

"थांव" हे कवितेंत आंतोनबाबान आधुनिकरणाक लागून जाल्ल्या मनशा संबंदांनी उपराशिल्ली फूट वाचप्यां मुखार दवरल्या. बापूय आनी बापूयपणाचो मोग ह्या विशयाचेर चिक्क पांगळाची **"आनाचो पुडवो"** आनी रमेश गडीची **"बापूय"** कविता आमचीं काळजां मुरगटायतात. हीं कवनां आमच्या कुटुंबांनी आशिल्ल्या **"बापूय"** म्हळ्ळ्या व्यक्तीचेर आमी भर घालूंक आमकां उलो मारतात. शेकीं एक तात्वीक सत चिक्क पांगळा आमचे मुखार दवरता ?

"जल्मल्ल्या हर्ये कल्याक एक दीस
मरूंक जाय" !

ताकाच संबंदीत, मनशाच्या जिवितांत कोणाकूय आदेवस म्हणटना काळीज भोगणांनी/ भावनांनी भरता. रुपाली मावजोची कविता **"काळीज उडटा, मन रडटा"** हींच भावनां वाचप्यां मुखार दवरता. मनशा जिवितांत भुरगेपणाचो म्हत्व कोणाच्यानूय नाकारूंक जायना. भुरगेपण मनशापणाची बुन्याद घालता. तें आमी सदांच जियेवंक जाय. **"भुरगेपणाच्यो यादी"** हे कवितेंत मनोज कामतान हीच कल्पना ताचे कवितेंत उकतायल्या. तांच्याच उतरांनी ?

भुरगेपण मेळटा एकदांच
खोशयेन सारूंक जाय
उमेदीच्या ल्हारार उबत
सदांच जियेवंक जाय

तीच कल्पना "माळो" कवितेंत उर्जीता भोबे लेगून व्यक्त करता.

आदेसभर माळ्यार हांव
पूण नितळ कांयच केलें ना
गुटलावन दवरिल्लें भुरगेपण
म्हज्यान हालोवंक जालें ना

मनशाचो सभाव समजूंक हांगा थोड्यो अमूर्त कविता आमकां मेळटात. कवितांच्या प्रकारांत **"अमूर्त कविता"** (abstract poem), ह्या प्रकाराक आगळोच एक म्हत्व आसा. घडये त्यो कविता आमकां समजूंक कश्ट जातीत, पूण तांचो संदेश काळीज फाफशिनासतना रावना. देखीक, **"प्रवचन"** हे कवितेंत एलियासबाबालीं हीं उतरां.

सोड मनशा पयलें
तुजे कुसडेपण!!
उपरांत दी तुजी
शिकवण, प्रवचन.
जियेवन दाखय
स्वता तुजे मनशापण.

ಸೊಡ್ ಮನ್ಶಾ ಪಯ್ಲೆಂ
ತುಜೆ ಕುಸ್ಡೆಪಣ್!!
ಉಪ್ರಾಂತ್ ದಿ ತುಜಿ
ಶಿಕವ್ಣ್, ಪ್ರವ್ಚನ್.
ಜಿಯೆವ್ನ್ ದಾಖಯ್
ಸ್ವತಾ ತುಜೆ ಮನ್ಶಾಪಣ್.

ಅಸ್ಲಿಂಚ್ ಅಮೂರ್ತ್ ಕಲ್ಪನಾಂ ವಾಪ್ರೂನ್ ಹ್ಯಾ ಕವಿತಾ ಝೆಲ್ಯಾಂತ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಸಾಬಾರ್ ಕವ್ನಾಂ ವಾಚೂಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾತ್. ಉದಯ್ಬಾಬಾಚ್ಯಾ **"ಪ್ರತಿಬಿಂಬ್"** ಕವಿತೆಂ ತಾಣೆಂ ಅಮ್ಕ್ಯಾ ಎಕಾ ಮನ್ಶಾಚ್ಯಾ ಯೆಣ್ಯಾ ವವಿರ್ಂ ಜೊ ಬದಲ್ ಘಡ್ಲಾ ತೊ ಉತ್ರಾಯಲಾ. ಶೀಲಾ ಭಂಡಾರಕಾರಾಲೆ **"ಚಿತ್ರಾಂತುಲಿ ಚೆಲ್ಲಿ"** ಹೆ ಕವಿತೆಂತ್ ಚಿತ್ರಾಚಿ ಖುಣಾ ವಾಪ್ರೂನ್ ತಿ ಸ್ತ್ರೀಯೆಚೆ ಸೊಬಾಯಾಚೆರ್ ಆಮ್ಚೆಂ ಲಕ್ಷ್ ಕೆಂದ್ರೀತ್ ಕರ್ತಾ. **"ಶೂನ್ಯ್ ಹಿಶೊಬ್"** ಹೆ ಕವಿತೆಂತ್ ದೊ. ಪೂರ್ಣಾನಂದ್ ಚ್ಯಾರಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಅಲಂಕಾರಾತ್ಮಕ್ ಉತ್ರಾಂ ವವಿರ್ಂ ಮನ್ಶಾ ಮೊಲಾಚೆರ್ ನದರ್ ಘಾಲೂಂಕ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಆತೂರ್ ಕರ್ತಾ ಜಾಲ್ಯಾರ್ **"ಮನ್ಶಾಚೆಂ ಮಟಣ್"** ಹೆ ಕವಿತೆಂತ್ ದೀಪ್ರಾಜ್ ಮನ್ಶಾಕುಳಾಂತ್ ಆಶಿಲ್ಲೆ ಘಾಟಾಫುಟಿ (division) ವಿಶಿಂ ಆಮಿ ಖೊಲಾಯೆನ್ ನಿಯಾಳ್ಚ್ಯಾಕ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಉಲೊ ಮಾರ್ತಾ. ತಶೆಂಚ್ **"ತಿ ವಾಟ್"** ಹೆ ಕವಿತೆಂತ್ ಸೈಮೀಕ್ ಗಜಾಲೀಂಚೊ ವಾಪರ್ ಕರೂನ್ ಕಾಂಯ್ ತಾತ್ವಿಕ್ ಸತಾಂ ಕ್ಲಾಯವ್ ಸೊಜಾನ್ ವಾಚ್ಪ್ಯಾಂ ಮುಖಾರ್ ದವ್ರ್ಯಾಂತ್. ಹೊಚ್ ವಿಶಯ್ ಶೈಲೆಂದ್ರ್ ಮೆಹ್ತಾಚೆ **"ಅಸ್ತಿತ್ವ್ ದೈವ್ಗತಿ"** ಹೆ ಕವಿತೆಂತ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಮನ್ಶಾಚ್ಯಾ ಸಭಾವಾಚೆರ್ ಖೊಲಾಯೆನ್ ನದರ್ ಘಾಲೂಂಕ್ ಪ್ರೇರೀತ್ ಕರ್ತಾ. **"ನಾ ತರ್ ತುಂ"** ಹೆ ಕವಿತೆಂತ್ ಒನೀಬಾಯೆನ್ ರಿತೆಪಣಾಚಿ ಭಾವ್ನಾ ಆನಿ ಬಾಳಕೃಷ್ಣಾ ಮಲ್ಯಾನ್ **"ಭವ್ತರಣಿ"** ಹೆ ಕವಿತೆಂತ್ ಮೊನಿಂ ಉತ್ರಾಂ, ವ್ಯಕ್ತ್ ಕರೂಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾಸಲಿಂ ತಿಂ ಭೊಗ್ಣಾಂ/ ಭಾವ್ನಾಂ ಗಂಭೀರ್ ಉತ್ರಾಂನಿ ವ್ಯಕ್ತ್ ಕೆಲ್ಯಾಂತ್. ತಾಂತ್ಲ್ಯೊ ಹ್ಯೊ ದೊನ್ ವಳಿ.

ಕಳ್ ನಾತಿಲ್ಲೆ ಭಾಸಾಂನಿ ಕಿತೆಂ ಕಿ ಉಲಯ್ಲಿ
ಕಿತೆಂ ಆಮಿ ಜಾಣ್ಲಿ ತೆಂಚ್ ಆಮಿ ನೆಣಿ

ಅಮೂರ್ತ್ ಕವಿತಾಂಚ್ಯಾ ವರ್ಗಾಂತ್ ರೊಹನ್ ಆಡಾಕಬರೆಚಿ **"ರಾವಿಲ್ಲೆಂ ಘಡ್ಯಾಳ್"** ಹೆ ಕವಿತೆಂತ್ ರಾವಿಲ್ಲೆಂ ಘಡ್ಯಾಳ್ ಹೆಂ ರುಪಕ್ ವಾಪ್ರೂನ್ ಜಿವಿತಾಚ್ಯಾ ಕಾಂಯ್ ಸತಾಂಚೆರ್ ಆಮಿ ನಿಯಾಳ್ ಕರೂಂಕ್ ತೊ ಆಮ್ಕಾಂ ಆಪಯ್ತಾ. ತಾಂತ್ಲಿಂ ಹಿಂ ಉತ್ರಾಂ ವಾಚ್ಪ್ಯಾ ಕಡೆ ಥೆಟ್ ಉಲಯ್ತಾತ್–

ಪಾತ್ಯೆನಾಯ್ ತರ್
ಥೊಡೊ ವೆಳ್ ರಾವ್.
ಪಳೆ ಸಂಪ್ಸಾರಾಕ್
ಬಾರ್ಕಾಯೆನ್ ಎಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ
ರಾವಿಲ್ಲೆಂ ಘಡ್ಯಾಳ್ ಜಾವ್ನ್!!

ಮನೀಸ್ ಆನಿ ಪ್ರಕೃತಿ

ಪ್ರಕೃತಿ ಆನಿ ಪ್ರಕೃತೀಂತ್ ಆಸ್ಚ್ಯೊ ಜಾಯ್ತ್ಯೊ ಗಜಾಲಿ ಮನ್ಶಾಕ್ ಉರ್ಬಾ ಆನಿ ಪ್ರೇರಣ್ ದಿತಾತ್. ಪ್ರಕೃತಿ ಮನ್ಶಾ ಕಡೆ ಉಲಯ್ತಾ. ತಾತ್ವಿಕ್ ರಿತೀನ್ ಸಾಂಗ್ಚೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್, ರಚ್ಣಾರ್

असलींच अमूर्त कल्पनां वापरून ह्या कविता झेल्यांत आमकां साबार कवनां वाचूंक मेळटात. उदयबाबाच्या **"प्रतिबिंब"** कवितें ताणें अमक्या एका मनशाच्या येण्या वरवीं जो बदल घडला तो उतरायला. शीला भंडारकाराले **"चित्रांतुली चेल्ली"** हे कवितेंत चित्राची खुणा वापरून ती स्त्रीयेचे सोबायाचेर आमचें लक्ष केंद्रीत करता. **"शून्य हिशोब"** हे कवितेंत दो. पूर्णानंद च्यारी आपल्या अलंकारात्मक उतरां वरवीं मनशा मोलाचेर नदर घालूंक आमकां आतूर करता जाल्यार **"मनशाचें मटण"** हे कवितेंत दीपराज मनशाकुळांत आशिल्ले फाटाफुटी (division) विशीं आमी खोलायेन नियाळच्याक आमकां उलो मारता. तशेंच **"ती वाट"** हे कवितेंत सैमीक गजालींचो वापर करून कांय तात्वीक सतां क्लायव सोजान वाचप्यां मुखार दवरल्यांत. होच विशय शैलेंद्र मेहताचे **"अस्तित्व दैवगती"** हे कवितेंत आमकां मनशाच्या सभावाचेर खोलायेन नदर घालूंक प्रेरीत करता. **"ना तर तूं"** हे कवितेंत ऍनीबायेन रितेपणाची भावना आनी बाळकृष्णा मल्यान **"भवतरणी"** हे कवितेंत मोनीं उतरां, व्यक्त करूंक जायनासलीं तीं भोगणां/ भावनां गंभीर उतरांनी व्यक्त केल्यांत. तांतल्यो ह्यो दोन वळी.

कळ नातिल्ले भासांनी कितें की उलयली
कितें आमी जाणली तेंच आमी नेणी

अमूर्त कवितांच्या वर्गांत रोहन आडाकबरेची **"रावल्लें घडयाळ"** हे कवितेंत राविल्लें घडयाळ हें रुपक वापरून जिविताच्या कांय सतांचेर आमी नियाळ करूंक तो आमकां आपयता. तांतलीं हीं उतरां वाचप्या कडे थेट उलयतात –

पातयेनाय तर
थोडो वेळ राव.
पळे संवसाराक
बारकायेन एक पावटीं
राविल्लें घडयाळ जावन!!

मनीस आनी प्रकृती

प्रकृती आनी प्रकृतींत आसच्यो जायत्यो गजाली मनशाक उरबा आनी प्रेरण दितात. प्रकृती मनशा कडे उलयता. तात्वीक रितीन सांगचें जाल्यार, रचणार देव आपले रचणे वरवीं आपले रचणे लागीं उलयता. रचणेच्या विशयाचेर आदारिल्लीं हीं कवनां हें सत वाचप्यां मुखार दवरता. प्रसन्नाबाबालो **"मुंबयचो पयलो पावस"**, नेरी नाजरेताची **"पीक वीक"**, प्रकाश नायकाची **"मनांतलो पावस"**, विन्सी क्वाद्रसाची "उदकाचे थेंबे", संदेश बांदेकाराली **"पावळी"** आनी राजश्रीबाय सैलाची **"शेलांव यादी"** ह्यो स कविता प्रकृती/

ದೆವ್ ಆಪ್ಲೆ ರಚ್ಣೆ ವರ್ವಿಂ ಆಪ್ಲೆ ರಚ್ಣೆ ಲಾಗಿಂ ಉಲಯ್ತಾ. ರಚ್ಣೆಚ್ಯಾ ವಿಶ್ವಾಚೆರ್ ಆದಾರಿಲ್ಲಿಂ ಹಿಂ ಕವ್ನಾಂ ಹೆಂ ಸತ್ ವಾಚ್ಯಾಂ ಮುಖಾರ್ ದವ್ರತಾ. ಪ್ರಸನ್ನ್‌ಬಾಬಾಲೊ **"ಮುಂಬಯ್ಚೊ ಪಯ್ಲೊ ಪಾವ್ಸ್"**, ನೆರಿ ನಾಜ್ರೆತಾಚಿ **"ಪೀಕ್ ವೀಕ್"**, ಪ್ರಕಾಶ್ ನಾಯ್ಕಾಚಿ **"ಮನಾಂತಲೊ ಪಾವ್ಸ್"**, ವಿನ್ಸಿ ಕ್ವಾದ್ರೂಸಾಚಿ "ಉದ್ಕಾಚೆ ಥೆಂಬೆ", ಸಂದೆಶ್ ಬಾಂದೆಕಾರಾಲಿ **"ಪಾವ್ಳಿ"** ಆನಿ ರಾಜಶ್ರೀಬಾಯ್ ಸೈಲಾಚಿ **"ಶೆಲಾಂವ್ ಯಾದಿ"** ಹ್ಯೊ ಸ ಕವಿತಾ ಪ್ರಕೃತಿ/ ಸೈಮ್/ ಸೈಂಬ್ ಆನಿ ತಾಕಾ ಸಂಬಂದೀತ್ ಹೆರ್ ಗಜಾಲಿಂ, ಹಾಂಚೊ ವಾಪರ್ ಕರೂನ್ ಮನ್ಶಾಚೊ ಅಭಾವ್ ಆನಿ ಸಭಾವ್ ವ್ಯಕ್ತ್ ಕರ್ತಾ. ಹಾಂಚೆ ಮದೆಂ ರಾಜ್ಶ್ರೀಬಾಯೆಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಆಮ್ಕಾಂ ನಿಯಾಳೂಂಕ್ ಪ್ರೇರೀತ್ ಕರ್ತಾತ್.

ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳೂಂಕ್ ಹಾಂಚೆ ಪಾವ್ಳಿ ತತ್ವ್‌ಗಿನ್ಯಾನ್
ಆಜ್ಯೆಲೊ ಫರ್ಕಾರ್ ಆಳ್ವಾ ಪಾನಾ ವಯ್ಲ್ಯಾ ಥೆಂಬ್ಯಾ ವರಿಂ
ರೊಖ್ಡೊಚ್ ವ್ಹಾಂವೂನ್ ಗೆಲೊ.

ಮಾವ್ತೆಲ್ಯಾ ಪೊಟಾಂತ್ ಕೆನ್ನಾ ಗರ್ಭುಚ್ ರಚುಂಕೂಚ್ ನಾಸ್ಲೊ,
ಆನಿ ಮ್ಹಜಿ ಭಯ್ಣ್ ಜಿವೀತ್‌ಭರ್ ಘೊವಾಲೊ ಮಾರೂಚ್ ಖಾಯ್ತ್ ಆಸ್ಲಿ
ಆತಾಂ ಹ್ಯಾ ರಾಸವ್ಳ್ ದುಖಾಂಚೊ ಎಕ್ ಪಾವ್ಸ್
ಎಕ್ ಪಾವ್ಸ್ ಜಾಲಾ.

ಹ್ಯಾ ಕವ್ನಾಂನಿ ಮನ್ಶ್ಯಾಚಿಂ ಭಾವ್ನಾಂ ಆಟಾಪತಾತ್. ಸಮಾಜಾಚ್ಯಾ ವೆಗ್ವೆಗ್ಳ್ಯಾ ಪ್ರಸ್ನಾಂಚೆರ್ ಹಾಸ್ಗೊ ದವ್ರೂನ್, ಮನ್ಶಾ ಸಂಬಂದಾಚ್ಯಾ ಪೊಕ್ಳಪಣಾಚೆರ್ ನಿಯಾಳ್ ಕರ್ಚ್ಯೊ ಆನಿ ಪ್ರಕೃತೀಚ್ಯಾ ದೆಖೀಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಮನ್ಶಾ ಕಡೆ ಉಲೊವಂಚ್ಯೊ ಹ್ಯೊ ಕವಿತಾ ಖರೆಪಣಿಂ ಆಮಿ ವಾಚೂನ್ ತಾಂಚೆರ್ ನಿಯಾಳ್ ಕರೂಂಕ್ ಫಾವೊ. ತಾಂತುಂ ಆಸ್ಚಿಂ ವಾಸ್ತವೀಕ್ ಸತಾಂ, ಕಾಲ್ಪನೀಕ್ ರುಪಾಂ, ಮನ್ಶ್ಯಾ ಜಿವಿತಾಂತಲಿಂ ಖತಾಂ ಆನಿ ಬರ್ಯಾ ಪುಡಾರಾಕ್ ಆಸ್ಚಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ ಆಮ್ಚೆ ಕಡೆ ಉಲಯ್ತಾತ್. **"ಮೈಲಾಫಾತರ್"** ನಾಂವಾಚೊ ಹೊ ಕವಿತಾ ಝೆಲೊ ಲ್ಹಾನಾಂಕ್ ತಶೆಂಚ್ ವ್ಹಡಾಂಕ್ ಜಿವಿತಾಚೆರ್ ಖೊಲಾಯೆನ್ ನಿಯಾಳ್ ಕರೂಂಕ್ ಪ್ರೇರಣ್ ದಿತಾ. ಕವ್ನಾಂತಲಿಂ ಭಾವ್ನಾಂ ವಾಚೂನ್, ಅಂತಸ್ಕರಣಾಚೆಂ ದಾರ್ ಉಗ್ಡೂನ್, ಮನಾಂತಲಿ ಘಾಣ್ ನಿತಳ್ ಕರೂನ್, ರಚ್ಣೆ ಕಡೆ ಆನಿ ರಚ್ಣಾರಾ ಕಡೆ ಬರೆ ಆನಿ ಖರೆ ಸಂಬಂದ್ ಜೊಡುಂಯಾ.

ಲಾಂಬ್ ಜಿಯೆವಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮಾಯ್!

ಜೆಸನ್ ಪೀಂತ್, SDB

सैम/ सैंब आनी ताका संबंदीत हेर गजालीं, हांचो वापर करून मनशाचो अभाव आनी सभाव व्यक्त करता. हांचे मदें राजश्रीबायेचीं उतरां आमकां नियाळूंक प्रेरीत करतात.

म्हाका कळूंक हांचे पावशी तत्वगिन्यान
आजयेलो घरकार आळवा पाना वयल्या थेंब्या वरीं
रोखडोच व्हांवून गेलो.
मावशेल्या पोटांत केन्ना गर्भूच रचुंकूच नासलो,
आनी म्हजी भयण जिवीतभर घोवालो मारूच खायत आसली
आतां ह्या रासवळ दुखांचो एक पावस
एक पावस जाला.

ह्या कवनांनी मनशाचीं भावनां आटापतात. समाजाच्या वेगवेगळ्या प्रस्नांचेर हारसो दवरून, मनशा संबंदाच्या पोकळपणाचेर नियाळ करच्यो आनी प्रकृतीच्या देखींतल्यान मनशा कडे उलोवंच्यो ह्यो कविता खरेपणीं आमी वाचून तांचेर नियाळ करूंक फावो. तांतूं आसचीं वास्तवीक सतां, काल्पनीक रुपां, मनशा जिवितांतलीं खतां आनी बर्या? फुडाराक आसचीं चिंतनां आमचे कडे उलयतात. "मैलाफातर" नांवाचो हो कविता झेलो ल्हानांक तशेंच व्हडांक जिविताचेर खोलायेन नियाळ करूंक प्रेरण दिता. कवनांतलीं भावनां वाचून, अंतस्करणाचें दार उगडून, मनांतली घाण नितळ करून, रचणे कडे आनी रचणारा कडे बरे आनी खरे संबंद जोडुंया.

लांब जियेवं कोंकणी माय!

जेसन पींत, SDB

ಎಕ್ ಮಯ್ಲ್ಯಾ ಫಾತರ್- ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾವ್ಯ್ ಇತಿಹಾಸಾಚೊ

ಇತಿಹಾಸೀಕ್ ಕಾರ್ಣಾಂಕ್ ಲಾಗೂನ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಜನ್ವಿದ್ ಮೂಳ್ಳಿತ್ ಗೊಂಯ್ ಸೊಡೂನ್ ಕರ್ಣಾಟಕ್ ಕೆರಳ್ ಮಹಾರಾಷ್ಟ್ರ ಆದಿ ರಾಜ್ಯಾಂತ್ ಸ್ಥಲಾಂತರೀತ್ ಜಾಲೆ. ಹಾಂಣಿಂ ಮಾಯ್ ಭಾಸ್ ಸಂಬಾಳೂನ್ ಘೆತ್ಲಿ. ಆನಿ ಹಾಂಗೆಂಲ್ಯಾ ವಾಟೆನ್ ಆದಿಂ ಕಾಳಾಂತ್ ಸಾವ್ನ್ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚಿ ವಾ ಕಾವ್ಯಾಚಿ ರಚ್ನಾಜಾಲಿ.

ಕಾವ್ಯ್ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚೆ ಇತಿಹಾಸಾಂತ್ ನದರ್ ಮಾರ್ತನಾ ಸಂತ್ ಅಪ್ಪಯಾ, ರಾಘ್ವಾ, ಆಪ್ಪಿ, ಜೊಗ್ವಾ ಅಶಿಂ ನಾಂವಾಂ ಪೂರ್ವಿಲ್ಲೆ ಕವೀಚಿಂ ಮ್ಹೊಣ್ ಉಲ್ಲೆಖ್ ಜಾಲಾ ಪಳೆವಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾ. ಗೊಂಯ್ ಮುಕ್ತೀಚೆ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಕಾವ್ಯಾಚಿ ರಚ್ನಾ ನೆಟಾನ್ ಜಾಲಿ. ಹೆರ್ ಪ್ರಾಂತಾಂತ್ಲ್ಯಾನಯ್ ಹ್ಯಾ ಪ್ರಕಾರಾಂತ್ ಮೊಲಾದೀಕ್ ಯೊಗ್ದಾನ್ ಬಿ ಜಾಲೆ.

ಪ್ರತಿನಿಧೀಕ್ ಮ್ಹೊಣ್‌ಚಾರೂಯ್ ವಾಟಾರಾಂತಲೆ ಕವೀಂಚಿ ವೈಚೀಕ್ ಕವಿತಾಂ ಆಸ್ಪಾವನ್ ಘೆತಿಲೊ ಮೊಟೊ ಎಕ್ ಕವಿತಾಸಂಕಲನ್ ಕವಿ ಮಾಧವ್ ಬೊರ್ಕಾರ್ ಹಾಂಣಿ ಸಂಪಾದನ್ ಕೆಲ್ಲಾ. ಬಾಕಿಬಾಬ್ ಬೊರ್ಕಾರ್ ಸಾವ್ನ್ ಆಶ್ಶಿಲ್ಯಾ ಕವೀಂಚಿ ಕವಿತಾ ಹಾಂತು ಮೆಳ್ತಾ. ಮಾಧವ್ ಬೊರ್ಕಾರ್ ಹಾಂಣೀಚ್ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಅಕಾದಮೀಚೆ ಖಾತೀರ್ ಕಾಡಿಲ್ಲೊ ಆನಿ ಎಕ್ ಸಂಗ್ರಹೂಯ್ ಆಸಾ. ಚಾರೂಯ್ ಪ್ರದೇಶಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಕವೀಚಿಂ ವೈಚೀಕ್ ಕವಿತೆಂಚೊ ಸಂಕಲನ್ ತಯಾರ್ ಕರೂನ್ ಆನಿ ಎಕ್ ಬರೆಂ ವಾವ್ರ್ ಕೇರಳಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಜಾಲಾ ಡಾ.ಎಲ್. ಸುನಿತಾಬಾಯ್ ಹಾಂಗೆಲ್ಯಾ ವಾಟೆನ್. ದೆವ್ನಾಗರಿ ಲಿಪೀಂತಚ್. ಸಾಹಿತ್ಯ್ ರಚ್ನೆಕ್ ಖಾತೀರ್ ಕೇರಳಾಂತಲೆ ಲೆಖಕ್ ದೆವ್ನಾಗರಿ ಸೊಡೂನ್ ಮಲ್ಯಾಳಮ್ ಲಿಪಿ ವಾವುರತಾಯ್ ಅಶೆಂ ಕೆನ್ನಾನಾ. ಆದಿಂ ಸಾಂವ್ನಚ್ ಹಾಂಗಾಚೆ ಸಾಹಿತ್ಯೀಕಾಂನಿ ದೆವ್ನಾಗರಿ ಆಪ್ಣಾಯಲಾ. ಪುರಾಯ್ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚೆ ನಿರ್ಮಾಣ್ ಜಾಲಾ ಹ್ಯಾ ಲಿಪೀತ್ಲ್ಯಾನಚ್. ಹ್ಯಾ ಸಂದ್ರಾ್ಭಂತ್ ಹೆ ಸುಚೊವಂಪಾಚೆ ಗರಜ್ ಆಸಾ ದಿಸ್ತಾ. ವೈಚೀಕ್ ಕವಿತೆಂಚೊ ಆನಿ ಎಕ್ ಝುಲೊ ಮೆಲ್ವಿನ್ ರೊಡ್ರೀಗ್ಸ್ ಹಾಂಣಿ ಸಂಪಾದನ್ ಕೆಲ್ಲೊ. ಕನ್ನಡ್ ಲಿಪೀಂತ್.

ಆತಾಂಚಾರೂಯ್ ರಾಜ್ಯಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಕವೀಂಚೆ ವೈಚೀಕ್ ಕವಿತೆಂಚೊ ಝುಲೊ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತೆಚ್ಯಾ ಇತಿಹಾಸಾಂತ್ ನವೊ ಅಧ್ಯಾಯ್ ಉಕ್ತಾವನ್ ದೆವ್ನಾಗರಿ ರೊಮಿ ಕನ್ನಡ್ ಅಶಿಂ ತೀನ್ ಲಿಪೀನಿ ತಯಾರ್ ಕರೂನ್ ಮಹತ್ವಾಚೊ ವಾವ್ರ್ ಘೆತ್ಲಾ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್ ಹಾಂಣೆ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾವ್ಯಾಚ್ಯಾ ಇತಿಹಾಸಾಂತ್ ಹೊ ಎಕ್ 'ಮಯ್ಲ್ಯಾ ಫಾತರ್' ಮ್ಹೊಣ್ ಸಾಂಗೂಕ್ ಜಾಯ್.

ಸುಮಾರ್27 ಪ್ರತಿಭಾವಂತ್ ಕವೀಂಚಿ ಕವಿತಾ ವೆಂಚೂನ್ ಕಾಡೂನ್ ಹ್ಯಾ ಸಂಕ್ಲನಾಂತ್ ಆಸ್ಪಾವನ್ ಘೆತ್ಲ್ಯಾಯ್. ಪ್ರಕೃತಿ, ಮನೀಸ್, ನಾತೆಂ, ಪ್ರೆಮ್, ಮನ್ಶ್ಯಾಂ ಭಿತರಲೊ ಗುಣ್, ಬಾಯ್ಲ್ಯಾಂಚೆರ್ ಜಾಪ್ಪಿ ಅನ್ಯಾಯ್, ಸಮಾಜೀಕ್ ಆನಿ ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ್ ಸಂಬಂದೀತ್ ವಿಶ್ಯಾಂ, ಭುರ್ಗೆಂಪಣ್, ಹುಲ್ಪಿಜೀಣ್, ಆಪುಣ್ ವಸ್ತಿ ಕರ್ಪಿಘರಾಕಡೆಚೆ ಮನ್ಶ್ಯಾಚೆ ನಾತೆಂ, ಜೀಣೆಚೆಂ

एक मैयला फातर – कोंकणी काव्य इतिहासाचो



इतिहासीक कारणाक लागून कोंकणी जनपद मूळपीठ गोंय सोडून कर्णाटक केरळ महारा?् आदी राज्यांत स्थलांतरीत जाले. हांणीं माय भास संबाळून घेतली. आनी हांगेंल्या वाटेन आदीं काळांत सावन साहित्याची वा काव्याची रचना जाली.

काव्य साहित्याचे इतिहासांत नदर मारतना संत अप्पया, राघवा, आवडी, जोगवा अशीं नांवां पूर्विल्ले कवीचीं म्होण उल्लेख जाला पळेवंक मेळता. गोंय मुक्तीचे उपरांत काव्याची रचना नेटान जाली. हेर प्रांतांतल्यानय ह्या प्रकारांत मोलादीक योगदान बी जाले.

प्रतिनिधीक म्होण चारूय वाटारांतले कवींची वैचीक कवितां आसपावन घेतिलो मोटो एक कविता संकलन कवी माधव बोरकार हांणी संपादन केल्ला. बाकी बाब बोरकार सावन आश्शिल्या कवींची कविता हांतु मेळता. माधव बोरकार हांणीच साहित्य अकादमीचे खातीर काडिल्लो आनी एक संग्रहूय आसा. चारूय प्रदेशांतल्या कवीचीं वैचीक कवितेंचो संकलन तयार करून आनी एक बरें वावर केरळांतल्यान जाला डॉ.एल.सुनिताबाय हांगेल्या वाटेन. देवनागरी लिपींतच. साहित्य रचनेक खातीर केरळांतले लेखक देवनागरी सोडून मलयाळम लिपी वावुरताय अशें केन्ना ना. आदीं सांवनच हांगाचे साहित्यीकांनी देवनागरी आपणायला. पुराय साहित्याचे निर्माण जाला ह्या लिपीतल्यानच. ह्या संदर्भांत हे सुचोवंपाचे गरज आसा दिसता. वैचीक कवितेंचो आनी एक झेलो मेलविन रोड्रीग्स हांणी संपादन केल्लो. कन्नड लिपींत.

आतां चारूय राज्यांतल्या कवींचे वैचीक कवितेंचो झेलो कोंकणी कवितेच्या इतिहासांत नवो अध्याय उक्तावन देवनागरी रोमी कन्नड अशीं तीन लिपीनी तयार करून महत्वाचो वावर घेतला वाली क्वाड्रोस हांणे. कोंकणी काव्याच्या इतिहासांत हो एक 'मैलाफातर' म्होण सांगूक जाय.

सुमार २७ प्रतिभावंत कवींची कविता वेंचून काडून ह्या संकलनांत आसपावन घेतल्याय. प्रकृती, मनीस, नातें, प्रेम, मनश्यां भितरलो गुण, बायलांचेर जावपी अन्याय, समाजीक आनी रा?ीय संबंदीत विशयां, भुरगेंपण, हुलपी जीण, आपुण वस्ती करपी घराकडेचे मनश्याचे नातें, जीणेचें व्याख्यान अशीं कितलेशे विषयांवेल्यो कविता हांतु

ವ್ಯಾಖ್ಯಾನ್ ಅಶಿಂ ಕಿತ್ಲೆಶೆ ವಿಷ್ಯಾಂವೆಲ್ಯೊ ಕವಿತಾ ಹಾಂತು ವಾಚುೂಕ್ ಮೆಳ್ತಾಯ್. ಶೈಲೊನಿ ಆನಿ ವಿಚಾರಾಂನಿ ಪುರಾಯ್ ರಚ್ನಾಯ್ ದರ್ಜೆ ವಯ್ಲ್ಯೊ ಮ್ಹೊಣ್ ಸಾಂಗ್ಪಾಕ್ ಜಾಯ್.

ಹಾಂತುಲ್ಯಾದರ್ ಎಕ್ ಕವಿತೆಚೆ ವಿಶಿಂ ನಿಯಾಳ್ ಫೆವ್ಪ್ ಪ್ರಾಯೊಗೀಕ್ ನ್ಹಯ್. ಸಗಟ್ ಕವಿತಾಯ್ ಬಯ್ರೊಚ್. ಚಾರ್ ಮಾತೆಂವೆಲ್ಯಾನ್ ಫುಲ್ಲೆಲಿಂ ಪರ್ಮಳೀತ್ ಆನಿ ಸೊಬೀತ್ ಸುಂದರ್ ಫುಲಾಂ ಆಸೂನ್ ಸಮ್ಸ್ತಾಂಕ್ ಹೊ ಕವಿತಾ ವಾಚ್ನಾತ್ಲ್ಯಾನ್ ಎಕ್ ಅಗ್ಗೈ ವೆಗ್ಳೆ ಅನುಭೂತಿ ದಿತ್ಲ್ಯೊ ಹಾಂತು ದುಬಾವ್ ನಾ. ಲಿಪಿ ಖಾತೀರಚಿ ಅಡ್ಚಾಣ್ ಸೊಂಶೆಯ್ನಾಶೆಂ ಕೊಣಾಕಯ್ ಕಾವ್ಯಾಂ ಆಸ್ವಾದನ್ ಕರ್ಪಾಕ್ ಜಾತ್ಲೆ ಮ್ಹಳ್ಳೆಲೆ ಖೊಶೆಚೆ ಖಬರ್. ಹೆರ್ ಭಾಶೆಂ ಕಡೆನ್ ತುಳನ್ ಕರ್ತನಾಆಜ್ಯ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕವಿತಾ ಗುಣಾಂನಿ ಯೊಗ್ಯ್ ಸ್ಥಾನಾಚೆರ್ ಆಸಾ ಅಶೆಂ ದಿಸ್ತಾ. ಹಾಂತುಲ್ಯಾ ಸಮೇಸ್ತ್ಕವೀಂಕಯ್‌ಯೆಶ್ ಆಂಡೆವಪಾಕಚ್ ಜಾಯ್.

ಎಕ್ ಪ್ರದೆಶಾಂತಲೆ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಆನಿ ಪ್ರದೆಶಾಂತಲೆ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚೆ ಪರಸ್ ಮಹ್ತ್ವಾಚೆ ಅಶೆಂ ನಾ. ಪರ್ತೂನ್ ಸಾಂಗ್ತನಾ, ಕೆನ್ನಾ ಹೆರ್ ಪ್ರಾಂತಾಂತಲೆ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಥಳಾವಿ ಲಿಪೀಂಚ್ಯೊ ವಂಯೊಂ ಹುಂಪೂನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ತಾ ಆನಿ ಮುಖೆಲ್ ಶ್ರೆಣೀಂತ್ ಪಾವ್ತಾ ತೆನ್ನಾಚ್ ಕೊಂಕ್ಣೀಚೆ ಎಕೀಕರಣ್ ಜಾತಾ. ಲಿಪೀಂಚ್ಯೆ ಹೆತಾಂನಿ ಸಮಾಜಾಂತ್ ಫಾಂಸೂನ್ ರಾವ್ತಲೊ ವೆಗ್ಳೆಪಣ್ ಪಯ್ಸ್ ಕರ್ಪಾಕ್ ಹ್ಯಾ ಸಾರ್ಕೆಚೊ ನವೊ ನವೊ ಘಡ್ಲುಕೊ ನಿಮೀತ್ ಜಾತಾ. 'ನಾನಾತ್ವಾಂತ್ ಏಕತ್ವ್' ಹೆ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚೆ ವರ್ವಿ ಜಾತಾ ದಿಸ್ತಾ.

ಕೊಂಕ್ಣೀಚೆ ಗಿರೆಸ್ತಕಾಯ್ ವಿವಿದದಾಯೆಂತಚ್ ಪ್ರಗ್ಟಾವನ್ ದಿಸ್ತಾ. ಹಾಜೊ ಖರೆಂ ಸಂದೆಶ್ ದಿತಾ ವಲ್ಲಿ ಬಾಬ್ ಹಾಂಗೆಲೊ ಅಪ್ರೂಪ್ ಆನಿ ಪರ್ಜಳೀತ್ ದಿಶಾ ದಾಖೊವ್ಪಿ ಹೊ "ಮಯ್ಲಾಫಾತರ್". ಮ್ಹಣೂನಚ್ ಸಂಪಾದಕ್ ಬಾಬ್ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರೊಸ್ ಹಾಂಕಾ ವಾಲೊರ್!

ಆರ್.ಎಸ್.ಭಾಸ್ಕರ್
ಕೊಚ್ಚಿನ್, ಕೇರಳಾ

वाचूक मेळताय. शैलोनी आनी विचारांनी पुराय रचनाय दर्जे वयल्यो म्होण सांगपाक जाय.

हांतुल्या दर एक कवितेचे विर्शी नियाळ घेवप प्रायोगीक न्हय. सगट कविताय बर्योच. चार मातेंवेल्यान फुल्लेलीं परमळीत आनी सोबीत सुंदर फुलां आसून समस्तांक हो कविता वाचनातल्यान एक अगळे वेगळे अनुभूती दितल्यो हांतु दुबाव ना. लिपी खातीरची अडचाण सोंशेयनाशें कोणाकय काव्यां आस्वादन करपाक जातले म्हळ्ळेले खोशेचे खबर. हेर भाशेंकडेन तुळन करतना आज्य कोंकणी कविता गुणांनी योग्य स्थानाचेर आसा अशें दिसता. हांतुल्या समस्त कवींकय येश आंडेवपाकच जाय.

एक प्रदेशांतले साहित्य आनी प्रदेशांतले साहित्याचे परस महत्वाचे अशें ना. परतून सांगतना, केन्ना हेर प्रांतांतले साहित्य थळावी लिपींच्यो वंयों हुंपून भायर सरता आनी मुखेल श्रेणींत पावता तेन्नाच कोंकणीची एकीकरण जाता. लिपींच्ये हेतांनी समाजांत घांसून रावतलो वेगळेपण पयस करपाक ह्या सारकेचो नवो नवो घडणुको निमीत जाता. ‘नानात्वांत एकत्व’ हे साहित्याचे वरवी जाता दिसता.

कोंकणीची गिरेस्तकाय विविददायेंतच प्रगटावन दिसता. हाजो खरें संदेश दिता वल्लीबाब हांगेलो अपरूप आनी परजळीत दिशा दाखोवपी हो “मयलाफातर”. म्हणूनच संपादक बाब वल्ली क्वाड्रोस हांका वालोर!

आर.एस.भास्कर
कोच्चीन, केरळा

ಕಾಳ್ಯಾ ಪಯ್ಶ್ಯಾಚ್ಯಾ ಆರೊಪಾಂತ್

ಅಮೆಯ್ ನಾಯ್ಕ್, ಗೊಂಯ್

ಆಕಾಶ್‌ವಾಣಿ
ಗೊಂಯ್,
ಕವಿಸಮ್ಮೇಳನಾಂನಿ
ಕವಿತಾ ಸಾದರ್ ಕೆಲ್ಯಾತ್.
ಪರ್ಗಟ್
ಜಾಲ್ಲೊ ಕವಿತಾ ಜಮೊ:
'ಮೋಗ್ ಡೊಟ್ ಕೊಮ್'.
2017 ಇಸ್ವೆಚೊ
ಸಾಹಿತ್ ಅಕಾಡೆಮಿಚೊ
ಯುವ ಪುರಸ್ಕಾರ್ ಜೊಡ್ಡಿ.

ಕಾಳ್ಯಾ ಪಯ್ಶ್ಯಾಚ್ಯಾ ಆರೊಪಾಂತ್
ಕಿತ್ಲ್ಯೊಶೊಚ್ ನೊಟಿ
ಭೊಗ್ತಾತ್ ಜಲ್ಮಠೆಪ್,
ದುಬಾವೀತ್ ಮ್ಹಣ್
'ರಿಜರ್ವ್ ಬೆಂಕೆಚ್ಯಾ' ಬಂದ್ವಣೀತ್...

ಹ್ಯಾ ಚಳವ್ಳಿಂತ್
ಗಾಂಧೀಯ್
ಆಪ್ರೊಬೆಯನ್ ಜಾಲೊ ಮೆತೆರ್
ತೆಣೆಂ ಸೊಡ್ಲೊ ಜಾಗೊ
ಬದ್ಲಿ ದೀಶಾ
ಆನಿ ತೊಣಾವ್ಯಲೊ
ರಂಗೂಯ್.
ನಿವ್ಳಟಲೊ ಆತಂಕವಾದ್

काळ्या पयशाच्या आरोपांत

अमेय नायक

काळ्या पयशाच्या आरोपांत
कितल्योशोच नोटी
भोगतात जल्मठेप,
दुबावीत म्हण
'रिजर्व बेंकेच्या' बंदखणीत...

ह्या चळवळींत
गांधीय
आपखोशेयन जालो मेतेर
तेणें सोडलो जागो
बदल्ली दीशा
आनी तोणावयलो
रंगूय.
निवळटलो आतंकवाद

आकाशवाणी गोंय, कविसम्मेळनांनी कविता सादर केल्यात. पर्गट जाल्लो कविताजमो: **'मोग डोट कोम'.** २०१७ इस्वेचो साहीत अकाडेमिचो यूव पुरसकार जोडपी.

ದೆಶಾವ್ಯಲೊ ಭಾರ್
ಭ್ರಷ್ಟಾಚಾರ್... ಸಾರ್ಕೆಂ
ಉಮೆದಿ ನಾರೆಂ,
ದೀತಾಲೆಂ ಪ್ರೋತ್ಸಾಹಾತ್
ಪೊರ್ನ್ಯಾ ನೊಟೀಂಕ್
ಬಲೀದಾನ್ ದೀವಂಕ್.

ಚಳವ್ಳ್ ಸೊಪ್ತೊಕೂಚ್
ಭಾಂಗ್ರಾಂಚ್ಯಾ ತಿಜೊರೀತ್ ರಾವ್ಪಿ
ಪೊರ್ನ್ಯಾ ನೊಟೀಂಕೂಯ್,
ಮೆಳ್ಳಾಕ್ ಲಾಗ್ಲಿ ವಾಗ್ಣೂಕ್
ಅಭೂತಾಂವರಿ.
ನವ್ಯೊ ನೊಟಿ
ಜಲ್ಮಾಕ್ ಯೆತಾಂಚ್ ಜಾಲ್ಯೊ
ಕುಪೊಶೀತ್.
ಮನಾಂತ್ ನಾಸ್ತನಾಯ್ ತೆಂಕಾ
ರಾವ್ಚೆಂ ಪಡ್ಲೆಂ ಆಶ್ರೀತ್ ಮ್ಹಣ್
ಭಾಂಡವ್ಲಶಾಹೀಚ್ಯಾ ದಬಾವಾಂತ್...

ಧರ್ಮ್ ಪರಿವ್ರ್ತನ್ ಕೊರೂನ್
ಕಾಳ್ಯಾ ಪಯ್ಶ್ಯಾನ್ ಘೆತ್ಲೊ
ಭಾಯ್ಲ್ಯಾ ಬೆಂಕಾನಿ ರಾಜಾಶ್ರಯ್
ಯುಧ್ದ್ ಪಾತ್ಳೆರ್ ಜಾಲೊ ಪ್ರಯತ್ನ್
ತೆಂಚ್ಯಾ ಘರ್ವಾಪಸಿ ಖಾತೀರ್.

ತೊ ಖಯೂಯ್ ಪಾವೊ
ತೊ ಖಯೂಯ್ ರಾವೊ
ತೆಕಾ ನಾ ಭಯ್.
ವಿಚಾರೀಲ್ಲ್ಯಾ ಪ್ರಸ್ನಾಂಕ್
ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಆರೊಪಾಂಕ್
ತೆಜೊ ಎಕೂಚ್ ಜವಾಂಬ್...
ಭಾರತ್ ಮಾತಾ ಕಿ ಜಯ್
ಭಾರತ್ ಮಾತಾ ಕಿ ಜಯ್

देशावयलो भार
भ्रष्टाचार... सारकें
उमेदी नारें,
दीतालें प्रोत्साहात
पोन्र्या नोटींक
बलीदान दीवंक.

चळवळ सोपतोकूच
भांगरांच्या तिजोरीत रावपी
पोन्र्यां नोटींकूय,
मेळपाक लागली वागणूक
अछूतांवरी.

नव्यो नोटी
जल्माक येतांच जाल्यो
कुपोशीत.
मनांत नास्तनाय तेंका
रावचें पडलें आश्रीत म्हण
भांडवलशाहीच्या दबावांत...

धर्म परिवर्तन कोरून
काळ्या पयशान घेतलो
भायल्या बेंकानी राजाश्रय
युध्द पातळेर जालो प्नयत्न
तेंच्या घरवापसी खातीर.

तो खयूय पावो
तो खयूय रावो
तेका ना भय.
विचारील्ल्या प्रस्नांक
केल्ल्या आरोपांक
तेजो एकूच जवांब...
भारत माता की जय
भारत माता की जय

ನಾಂ ತರ್ ತುಂ

ಆನ್ನಿ ದೆ ಕೊಲ್ವಾಲೆ, ಗೊಂಯ್

ಆನ್ನಿ ಫೆರ್ನಾಂಡಿಸ್ ಏಕ್ ತಿಯಾತ್ರಿಸ್ತ್, ಕವಿ ಆನಿ ಲೇಕಕ್. ಆಮ್ಚೊ ಆವಾಜ್, ಪುಡಾರಿ, ಉಜ್ವಾಡ್, ಗುಲಾಬ್, ದೊರ್ ಮಯ್ನ್ಯಾಚಿ ರೊಟಿ ನೇಮಾಳ್ಯಾಂನಿ ಹಿಚಿಂ ಬರ್ಪಾಂ ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಹಿಚೆ ದೋನ್ ಕವಿತಾಜಮೆ; **'ಉಮಾಳೆ'**, **'ಶಿಕಾರ್'** ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾತ್. ವಲೇರಿಯೋ ಕಾರ್ವಾಲ್ಹೊ ಕೊಂಕಣಿ ಪುರಸ್ಕಾರ್, 125ವೊ ತಿಯಾತ್ರಿಸ್ಟ್ ವರ್ಸುಗೆಚೊ ಪುರಸ್ಕಾರ್ ಹಿಕಾ ಲಾಭ್ಲ್ಲೆ ಥೊಡೆ ಪುರಸ್ಕಾರ್.

ಮನ್ ಮ್ಹಜೆಂ
ಆಯ್ಜ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಅಶೆಂ?
ಹಾತ್ ಮುಖಾರ್ ಯೆನಾತ್
ತರ್ ಬರ್ವಂ ಕಶೆಂ?

ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಜಾಯ್ತೆಂ ಭಾವ್ಲಾಂ
ಮನಾಂತೂಯ್ ತೆಂ ರಚ್ಲಾಂ
ಪೂಣ್ ಹಿಯೆ ಕಾಗ್ದಾ ಫಲೀರ್
ಹಾಡುಂ ಕಶೆಂ?
ಹಾತ್ ಮುಖಾರ್ ಯೆನಾತ್
ತರ್ ಬರ್ವಂ ಕಶೆಂ?

ನಾಂ ತರ್ ತುಂ
ದಳ್ಯಾ ಮುಖಾರ್ ಆಯ್ಜ್
ಹಿಯೆ ಫಲೀರ್ ಪಡ್ಟಾತ್
ಫಕ್ತ್ ಉತ್ರಾಂಚಿ ರಾಸ್
ನಾಂ ತಾತುಂತ್ ಭಾವ್ನಾಂ ನಾಂ ಕವ್ನಾಂ
ತರ್ ಕವಿತಾ ಹಾಂವ್ ರಚುಂ ಕಶೆಂ
ಕವಿತಾ ಹಾಂವ್ ರಚುಂ ಕಶೆಂ?

नां तर तूं

आन्नी दे कोलवाले

मन म्हजें
आयज कित्याक अशें?
हात मुखार येनात
तर बरवं कशें?

काळजांत जायतें भावलां
मनांतूय तें रचलां
पूण हिये कागदा फलीर
हाडूं कशें?
हात मुखार येनात
तर बरवं कशें?

नां तर तूं
दळ्या मुखार आयज
हिये फलीर पडटात
फक्त उत्रांची रास
नां तातुंत भावनां नां कवनां
तर कविता हांव रचूं कशें
कविता हांव रचूं कशें?

आन्नी फेर्नांडीस एक तियात्रिसत, कवी आनी लेकक. आमचो आवाज, फुडारी, उज्वाड, गुलाब, दोर मयन्याची रोटी नेमाळ्यांनी हिचीं बर्पां पर्गटल्यांत. हिचे दोन कविताजमे; **'उमाळे', 'शिकार'** पर्गटल्यात. वलेरियो कार्वाल्हो कोंकणी पुरसकार, १२५वो तियात्रिसट वर्सुगेचो पुरसकार हिका लाभल्ले थोडे पुरसकार.

ಧಾಂವ್

ಆಂಟನಿ ಬಾರ್ಕೂರ್, ಮಂಗ್ಳುರ್

ಮ್ಹಜೊ 'ಕೊಲೀಗ್' ಮೆಲೊ.
ಬಸ್‌ಲ್ಯಾ ಕಡೆ ಪರ್ತಾಲೊ
ಆನಿಂ
ರೆಸಟ್ ರುಮಾಂತ್ ಮೆಲೊ,
ಕಚೆರ್ಂ ಕಾಮ್ ಅರ್ಧ್ಯಾರ್ ಸೊಡನ್...

ತಾಚ್ಯಾ ಬಸ್ಕೆಚೆರ್ ಬಸ್‌ಲ್ಲೊಂ ಹಾಂವ್
ತೆನ್ನಾ ತೆನ್ನಾ
ಸ್ವಾವ್ಲೊಕನಾಚ್ಯಾ ಗಲ್ಲೆಂನಿಂ
ಸಾಂಡೂನ್ ವೆತಾಂ...
ಸರ್ವ್ ಕಾಮೆಲಿ ಘರಾ ಗೆಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್,
ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಕಾಮಾಚ್ಯಾ ಸಂಸ್ರಾಂತ್.

ತಾಚೊ ಕೀಬೊರ್ಡ್, ಪೆಪ್ರಾಂ,
ಕಂಪ್ಯೂಟರಾರ್ ಚಿಡ್ಕಾಯಿಲ್ಲೊ ಧಾಕ್ಲುಲೊ ಗಣೇಶ್...
ಮ್ಹಾಕಾ ತಾಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಹಾಡ್ತಾತ್.
ಹ್ಯೊ 'ಡೆಡ್ ಲೈನಿ', ಮಧ್ಯಾನೆಂಚಿಂ ಲಾಂಬ್ ವೊರಾಂ,
ರಾತೀಕ್ ಪಾಂವ್ಚೆ ಅಮೆರಿಕನ್ 'ಇ ಮೈಲ್' ಸಂದೆಶ್,
ಮ್ಹಾಕಾ ತಾಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಹಾಡ್ತಾತ್.

ಕಿತೆಂಗಿ ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ಆಫಿಸಾಂತಲಿ ಎ. ಸಿ.
ಮ್ಹಾಕಾ ಮೊರ್ಚುವರಿಚೊ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಹಾಡ್ತಾ.
ಉಜೊ ದೆಖ್ತಾನಾ ಬೆಂಗ್ಳುಚೆರ್ಂ ಸುಡ್ಕಾಡ್ ದೊಳ್ಯಾಂತ್ ಜಳ್ತಾ.
ತಾಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಮಾತೆಂ, ಧವೆಂ ವಸ್ತುರ್
ಆನಿಂ ತ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಸೊಡನ್...
ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪುತಾಕ್ ದೆಖ್ಯಾರ್,
ತಾಚ್ಯಾ ಪುತಾಬರಿಂಚ್ ದಿಸ್ತಾ...

ಮ್ಹಜೊ ಪಾಸ್‌ಪೊರ್ಟ್ ಮೆಳ್ಳ್ಯಾ ಆನಿಂ ಹಾಂವ್
ಅಮೆರಿಕಾ ಉಬ್ಚ್ಯಾರ್ ಆಸಾಂ.
ತುಕಾ ಮೆಳ್ತಾನಾ ತೊಂಡ್ ಚುಕೊನ್
'ಪರತ್ ಮೆಳ್ಯಾಂ, ಸಿ ಯು ಸೂನ್' ಮ್ಹಣ್ತಾಂ.
ತಕ್ಷಣ್ ಎ.ಸಿ. ಆನಿಂ ಉಜೊ ದೊಳ್ಯಾಂತ್ ಭರೂನ್ ಯೆತಾತ್.
ಹಾಂವ್ ತ್ಯಾ ಬಸ್ಕೆ ತೆವ್ಷಿನ್ ಧಾಂವ್ತಾಂ, ವಿಶೆವ್ ಆಶೆವ್ನ್.
'ಪರತ್ ಮೆಳ್ತಲೊಂಗಿ' ಮ್ಹಳ್ಯಾ ಸವಾಲಾಂಕ್ ಮಾತ್ರ್
ಗಣೇಶ್ ಜವಾಬ್ ದೀಚ್‌ನಾಂ.

ಆಂಟನಿ ಡಿ'ಸೋಜಾ ಕಂಪ್ಯುಟರ್ ಇಂಜಿನಿಯರಿಂಗ್ ಕರುನ್ ಸೋಫ್ಟ್‌ವೇರ್ ಇಂಜಿನಿಯರ್ ಜಾವ್ನ್ ವಾವ್ರ್ ಕರುನ್ ಆಸಾ. **'ಕಾಟ್ ತುಟ್ಲ್ಯೊ ವೇಳ್'** ಹಾಚೊ ಪರ್ಗಟ್‌ಲ್ಲೊ ಕವಿತಾ ಜಮೊ. ದಾಯ್ಜ್.ಕೊಮ್‌ಚೊ 2007 ವರ್ಸಾಚೊ ಕವಿ ಪುರಸ್ಕಾರ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲೊ ಹೊ ಕವಿತಾ ತಶೆಂಚ್ ಕಾಣಿಯೊ ಬರಯ್ತಾ. ಸಭಾರ್ ಕವಿಗೋಷ್ಟಿಂನಿ ಕವಿತಾ ಸಾದರ್ ಕೆಲ್ಯಾಂತ್.

धांव

आंटनी बार्कूर

म्हजो 'कोलीग' मेलो.
बसल्ल्या कडे पर्तालो
आनीं
रेसट रुमांत मेलो,
कर्चें काम अर्ध्यार सोडन...

ताच्या बसकेचेर बसल्लों (बसयिल्लों) हांव
तेन्ना तेन्ना
स्वावलोकनाच्या गल्लेंनीं
सांडून वेतां...
सर्व कामेली घरा गेल्ल्या उपरांत,
म्हज्या कामाच्या संस्रांत.

ताचो कीबोर्ड, पेपरां,
कंप्यूटरार चिडकायिल्लो धाकटुलो गणेश...
म्हाका ताचो उगडास हाडतात.
ह्यो 'डेड लैनी', मध्यानेंचीं लांब वोरां,
रातीक पांवचे अमेरिकन 'ई मैल' संदेश,
म्हाका ताचो उगडास हाडतात.

किनेंगी आजकाल आफिसांतली ए. सी.
म्हाका मोर्चुवरिचो उगडास हाडता.
उजो देखाना बेंगळूर्चें सुडकाड दोळ्यांत जळता.
तासल्लें मातें, धवें वसतूर
आनीं त्या दोळ्यांक सोडन...
म्हज्या पुताक देखल्यार, ताच्या पुताबरिंच दिसता...

म्हजो पासपोरटा मेळ्ळा आनीं हांव
अमेरिका उभच्यार आसां.
तुका मेळताना तोंड चुकोन
'परत मेळ्यां, सी यू सून' म्हणतां.
तक्षण ए.सी. आनीं उजो दोळ्यांत भरून येतात.
हाव त्या बसके तेवशीन धांवतां, विशेव आशेवन.
'परत मेळतलोंगी' म्हळ्ळ्या सवालांक मात्र
गणेश जवाब दीचनां.

आंटनी डी'सोजा
कंप्युटर इंजिनियरिंग
करून सोफ्टवेर इंजिनियर
जावन वावर करून आसा.
'काट तुटचो वेळ' हाचो
पर्गटल्लो कविता जमो.
दायज.कोमचो २००७
वर्साचो कवी पुरसकार
जोडल्लो हो कविता
तशेंच काणियो बरयता.
सभार कविगोश्टिंनी
कविता सादर केल्यांत.

ಭವ್ತಾರಣಿ

ಬಾಲಕೃಷ್ಣ ಮಲ್ಯ, ಕೊಚ್ಚಿ

ತಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಚೊಯ್ಲಿ ಹಾಂವೆಂ ದೃಷ್ಟಿ ಪಳೆಯ್ಲಿ
ಶುರು ಜಾಲಿ ಆಮಂಚಿ ಕಳ್ತಾ ತುಮ್ಕಾಂ ಕಾಣಿ
ಜೀವಿತಾಚೆ ಪಯ್ಲಿಂ ಆಗ್ರಹಾಂ ತಿಂ ಆಯ್ಲಿಂ
ಮನಾಕ್ ಚಿತಾರಿಲಿ ಮೌನಾಚೆ ಭೊವ್ರಂಗಾನಿ
ಅಕ್ಷರಾಂ ಕೊರಾಂತಿಲಿಂ ಉತ್ತರಾಂಕ್ ಜೀಣ್ ದಿಲಿಂ
ಪ್ರೆಮಾಚೆ ಸಾಯೀನ್ ಸುಶೊಭಿತ್ ಬರ್ಪಾನಿ

ಗರ್ಭಾಚೆ ಕುಡೀಂತು ಎಕ್ಠಾಂಯ್ ಆಮಿಂ ನಿದೆಲಿಂ
ತಿಜೆ ದೊಳ್ಯಾಂತಾಸಲಿ ಮೊಗಾಚಿ ಗೊಡ್ಸಾಣಿ
ಹಾಸ್ತಾಚಾಸಲಿ ನೆಣ್ ಕಿತ್ಯಾ ತಿ ಹಾಸ್ತಾಲಿ
ಹೃದಯ್ ಫುಲ್ಲೆಲೆಂ ಮ್ಹಜೆ ವಿಶ್ವಾಚಿ ತಿ ರಾಣಿ
ಆತ್ಮಾಚಿ ಹುನ್ಸಾಣಿ ಮೊಗಾಚಿ ಮಾಯೆಲಿ
ಮನ್ ವಶ್ ಧರ್ಲಿ ಮಮ್ತೆಚೆ ಪೊರ್ಮೊಳಾನಿ

ತೀಕಾ ಕಳ್ತಾಸಲಿ ಮ್ಹಜಿ ಜನ್ಮಾಕುಂಡಲಿ
ತಿ ವಳ್ಖತಾಸಲಿ ಮ್ಹಜಿ ಪೂರಾಯ್ ಕಾಣಿ
ಮ್ಹಜೆ ಸುಖ್ದುಖಾಂ ತಿ ನ್ಹಯ್ವೆ ವ್ಹಾವಂತಾಲಿ?
ಕಷ್ಟಾಂತೂಯ್ ಝುುರಿಯ್ಲಿ ರಿತ್ತೆ ತೆ ಹಾತಾಂನಿ
ಭೂಂಯೆರ್ ಪಾಯ್ ಲಾಗತ್ ಆಶಾ ಮ್ಹಸ್ತಾಸಲಿ
ತೀಣೆ ನ್ಹಯ್ವೆ ಧರ್ಲೀಲಿ ಮೊಹಾಚೆ ವ್ಹಂಟೀನಿ?

ಕಳ್ ನಾತ್ತಿಲ್ಲೆ ಭಾಸೆನಿ ಕಿತಿ ಕಿ ಉಲೆಯ್ಲಿಂ
ಕಿತಿ ಆಮಿಂ ಜಾಣ್ಲಿಂ ತೆಂಚ್ ಆಮಿಂ ನೆಣಿ
ಉಬುಚೆ ಪವ್ಯಾರ್ಂಕ್ ಧರೂಂಕ್ ಉಡ್ಕಿ ಹಾಂವೆಂ ಮಾರ್ಲಿ
ಮಾಳ್ಬಾಕ್ ಧರೊ ಮ್ಹಣ್ ತೀಣೆ ದವರ್ಲಿ ನಿಸ್ಣಿ
ಜಾಣಾ ಮ್ಹಜೆ ಹೃದಯಾಂತ್ ತಿ ಎಕ್ಲೀಚ್ ಆಸೀಲ್ಲಿ
ಮ್ಹಜೆ ಎಕೆಕ್ ಶ್ವಾಸಾಕಾಸಾ ಹಾಂವ್ ತೀಜೊ ಋಣಿ

ಜೀವಿತಾಚಿ ಪರೀಕ್ಷಾ ಮ್ಹಜಿ ತಿಣೆ ಮು ಬರೆಯ್ಲಿ
ಆನಿ ತೆ ಬರ್ಪಾರ್ಂ ಖಾಲ್ ಮ್ಹಜಿ ಘಾಲೆಯ್ಲಿ ನಿಶಾನಿ
ಭಿಣ್ಣ್ ಮಾತ್ಥ್ಯಾಂತು ಭಿತ್ತರ್ ದಿವ್ಲಿ ಮು ಜಳೆಯ್ಲಿ
ಭಿಜುಡ್ ಪಿಸಾಂಟ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಕೆಲ್ಲೊ ತಿಣೆ ಗುಣಿ
ಜನ್ಮಾಂಚೆ ಪುಣ್ಯಾನ್ ಕಿ ತೀಕಾ ದೆವಾನ್ ಬಳೆಯ್ಲಲಿ
ಅನಿಯೆಕ್ ನಿಬ್ಬಾನಿ ಜಾವೂನ್ ಭವಾಚಿ ತಾರ್ಣಿ?

ತಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಚೊಯ್ಲಿ ಹಾಂವೆಂ ದೃಷ್ಟಿ ಪಳೆಯ್ಲಿ
ಶುರು ಜಾಲಿ ಆಮಂಚಿ ಕಳ್ತಾ ತುಮ್ಕಾಂ ಕಾಣಿ

ಕಾಣಿಯೆಗಾರ್, ಲೀಕಕ್.
ಹಾಚ್ಯಾ ಕವಿತೆಂಜೆ ದೋನ್
ಜಮೆ; 'ಜೀವ್ ಸಂಕಲ್ಪ್',
ತಶೆಂಚ್ 'ಆತ್ಮಗತ್'
ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾತ್. ಅಖಿಲ್
ಭಾರತೀಯ್ ಪರಿಶದ್
ತಶೆಂಚ್ ಕವಿಗೋಷ್ಟಿಂನಿ
ಕವಿತಾ, ಉಲವ್ಪಾಂ
ಸಾದರ್ ಕೆಲ್ಯಾಂತ್.

भवतारणी

बालकृषण मल्य, कोच्ची

ती म्हाका चोयली हांवें दृष्टी पळेय्ली
शुरू जाली आमंची कळता तुमकां काणी
जीविताचे पयलीं आग्रहां तीं आयलीं
मनाक चितारिली मौनाचे भोवरंगानी
अक्षरां कोरांतिलीं उत्तरांक जीण दिलीं
प्रेमाचे सायीन सुशोभित बरपानी

गर्भाचे कुडींतु एकठांय आमीं निदेलीं
तिजे दोळ्यांतासली मोगाची गोडसाणी
हासताचासली नेण कित्या ती हासताली
हृदय फुल्लेलें म्हजे विश्वाची ती राणी
आत्माची हुनसाणी मोगाची मायेली
मन वश धरली ममतेचे पोरम्बोळानी

तीका कळनासली म्हजी जन्माकुंडली
ती वळखतासली म्हजी पूराय काणी
म्हजे सुखदुखां ती न्हयवें व्हावंताली?
कष्टांतूय झुझली रित्ते ते हातांनी
भूंयेर पाय लागन आशा म्हस्तासली
तीणे न्हयवे धरलीली मोहाचे व्हंटीनी?

कळ नात्तिल्ले भासेनी किती की उलेयलीं
किति आमीं जाणलीं तेंच आमीं नेणी
उबचे परव्यांक धरूंक उड्डी हांवें मारली
माळबाक धरो म्हण तीणे दवर्ली निसणी
जाणा म्हजे हृदयांत ती एकलीच आसील्ली
म्हजे एकेक श्वासाकासा हांव तीजो ऋणी

जीविताची परीक्षा म्हजी तिणे मू बरेयली
आनी ते बरपा खाल म्हजी घालेय्ली निशानी
भिण्ण मान्थ्यांतु भित्तर दिवली मू जळेयली
भिजड पिसांट म्हाका केल्लो तिणे गुणी
जन्माचे पुण्यान कि तीका देवान बळेयलली
अनियेक निब्बानी जावून भवाची तारणी?

ती म्हाका चोयली हांवें दृष्टी पळेय्ली
शुरू जाली आमंची कळता तुमकां काणी



कवी, काणियेगार, लेकक. हाच्या कवितेंचे दोन जमे; **'जीव संकल्प'**, तशेंच **'आत्मगत'** पर्गटल्यात. अखील भारतीय परिशद तशेंच कविगोश्टिंनी कविता, उलवपां सादर केल्यांत.

ಆನಾಚೊ ಪುಡ್ವೊ...!

ಚಿಕ್ಕ ಪಾಂಗ್ಳಾ, ಮಂಗ್ಳುರ್

ಹಾಂವ್ ಭುಂಯ್ ಪಡ್ಲ್ಯಾ ವೇಳಾ
ನಿತಳ್ ಉಗ್ಡ್ಯಾ ವಸ್ತ್ರಾಕ್
ಬಗ್ಗಾಲ್ ಆಸ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾ
ಲಜ್ ಕಾಶ್ಟೆರ್ ಲಿಪೊನ್
ಆನಾನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಪುಡ್ವ್ಯಾನ್
ಮ್ಹಾಕಾ ಗುಟ್ಲಾಯಿಲ್ಲೊ ಮ್ಹಣೊನ್
ಸದಾಂನೀತ್ ಪುಸ್ಪುಸತಾಲಿ ಮಾಂಯ್...!

ಎಕ್ ಶ್ಹೆರ್ ತಾಂದ್ಳ್ಯಾಕ್
ಘರಾಂತ್ ಬಾರಾ ವಾಂಟೆ
ಭುಕೆ ಮಾಲ್ತೆರ್
ದಿಸಾಕ್ ಎಕೂಚ್ ಪಾವ್ಟಿಂ
ಹಾಜ್ರಿ ಗಾಲ್ಚಿ ದೊಯ್...
ಮಾಂಯ್ಚ್ಯಾ ಪಾಲ್ವಾ ಕುಚ್ಚೆ ಗಾಂಟೀರ್
ಚಿಲ್ಲರ್ ಆಣ್ಯಾಂಚೊ ಫೆಂಗೊರ್ ತರ್
ಆನಾಚ್ಯಾ ಮುಂಡಾ ಬುರಾಕಾಂಕ್
ಥಂಯ್ ಥಂಯ್ ಸುವಿ ಸುತಾನ್
ವ್ಹೊಳುಲ್ಲಿ ಮಾನಾಚಿ ವೊಂಯ್...!

ಹರ್ಮನ್ ರಾಯನ್
ಮೆಂಡೋನ್ಸಾ ಮೂಳ್
ಪಾಂಗ್ಳಾ (ಶಂಕರಪುರ)
ಗಾಂವ್ಚೊ, ಕವಿತಾ
ತಶೆಂಚ್ ಕಾಣಿಯೊ
ಬರಂವ್ಚೊ ಹೊ ಸದ್ದ್ಯಾಕ್
ಗಲ್ಫಾಂತ್ ವಾವ್ರ್
ಕರುನ್ ಆಸಾ.

आनाचो पुडवो...!

चिक्क पांगळा

हांव भुंय पडल्या वेळा
नितळ लुगटा वसत्राक
बर्गाल आसल्या काळा
लज काश्टेर लिपोन
आनान आपल्या पुडव्यान
म्हाका गुटलायिल्लो म्हणोन
सदांनीत पुस्पुसताली मांय...!

एक श्हेर तांद्याक
घरांत बारा वांटे
भुके माल्तेर
दिसाक एकूच पावटीं
हाजी गाल्ची दोय...
मांयच्या पालवा कुच्चे गांटीर
चिल्लर आण्यांचो फेंर्गो तर
आनाच्या मुंडा बुराकांक
थंय थंय सुवी सुतान
व्होळुल्ली मानाची वोंय...!

हर्मन रायन मेंडोन्सा
मूळ पांगळा (शंकरपूर)
गांवचो, कविता तशेंच
काणियो बरंवचो हो
सद्याक गलफांत वावर
करून आसा.

ಗೆಣಿ ಭಿಕೆಕ್ ಲಾಬುಲ್ಲ್ಯಾ
ನಾಡ್ವಾರಾ ಕುಡ್ಕೊ ಭುಂಯ್ತ್
ಸಕಾಳಿಂ ತಾಜಾ ಪರ್ಜಳಿ
ಆನಾಚೊ ಧವೊ ಪುಡ್ವೊ
ಸಾಂಜೆರ್ ತಾಂಬ್ಡೊ ಸದಾಂಯ್...
ಕರ್ಕಟ್ಯಾ ವೊತಾ ಉಜ್ಯಾಂತ್
ಸುಕಿಧಾಡ್ ಪಡ್ಲೆಲ್ಯಾ ಶೆತಾಕ್
ಆನಾಚ್ಯಾ ಘಾಮಾಚಿ ಶೆಕಾಯ್...!

ವ್ಹಡ್ಲೆಂ ಫೆಸತ್ ವಾ ಉತ್ಸವ್
ಭೂತ್ ಕೊಲ್ ತಂಬೀಲ್
ಗಾಂವಾಂತ್ ಬೊರೆಂ ಘಾಲೆಂ
ಉಣೆಂ ನಾತ್ಲೆಂ ಕಾಂಯ್...
ಘರ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಲ್ಬ್ಯಾ ಪೊಟಾಂತ್
ಬುಸ್ಕೊಟ್ ಜಾಯ್ತೆ ತರಿ
ರೂಕಾ ಪಾಳಾಂ ಅನೆಕ್
ಮೂಳ್ ಎಕ್ ವ್ಹಳ್ಳೆಬರಿಂ
ಧವೊ ಪುಡ್ವೊ ನ್ಹೆಸೊನ್
ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ತಾಲೊ ಆನ್ ರಾಯ್...!

ವೆಳಾನ್ ಕಾಳಾಚಿಂ ಪಾನಾಂ
ಹಾಳು ವೊಳು ಪರ್ತಿತಾನಾ
ಕೊಲ್ಬ್ಯಾ ಪಾಕೆಂ ವಚೊನ್
ನಳ್ಯಾ ಸಾವ್ಳೆಚಿ ಮೆಳ್ಳಿ ಸಸಾಯ್...
ಮಾಂಯ್ ಆನಾಚ್ಯಾ ಘೊಂಟೆರಾಂತ್
ಪಾಂಚ್ ಚೆಡ್ವಾಂ ಸುಕ್ಣಿಂ ವಾಡೊನ್
ದಾದ್ಲ್ಯಾ ಗುಡಾಂಕ್ ಉಬ್ಲಿಂ ತರ್
ಪಾಂಚ್ ತರ್ನೆ ಕೊಂಬ್ಲೆ ಆಮಿಂ
ತೆಗಾನಿಂ ಧರ್ಲಿ ಗಾದ್ಯಾಂ ದೆಗ್
ಆನ್ಯೆಕ್ಲ್ಯಾಕ್ ಬೊಂಬೊಯ್ಚಿ ದೀಗ್
ನಿಮಾಣ್ಯಾ ಪೆದ್ದಾಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ
ಗಲ್ಫಾ ಧಗಿ ದೊವಾಂತ್ ಭಿಜ್ಜಿ ಪಿಸಾಯ್...!

ಕಾಗ್ದಾ ಪಾನಾರ್ ಆಶಾರ್ ಪಾಶಾರ್
ಬೆಸಾಂವಾಂ, ದುಖಾಂ ತಶೆಂ ನವೆಂ
ಖಂತೀಸ್ತ್ ಭಯ್ಣ್, ಭಾವಾಚೆಂ ರೀಣ್
ಮಾಂಯ್ ಆನಾಚ್ಯಾ ರೂಣಾಕ್
ಕುಸ್ಕೊಟ್ ಗಲ್ಫಾ ದುಡು

ಕಿತ್ಲೊ ಲಾಬಯ್ತ್ ಪುರ್ತಿ ಥಂಡಾಯ್...
ಮಾಂಯ್ಯಾ ಕಪ್ಲಾಚ್ಯೊ ಮಿರಿಯೊ
ಆನಾಚೆ ಅಸ್ಕತ್ ಬೊರಿಯೊ
ಕಾಳಾಚ್ಯಾ ಕಾಂಟ್ಯಾಂಕ್ ಬಾಪ್ಲಿ
ಮಾಲಘ್ಯಾ ಮಾಂಡ್ಯಾಂಚಿ ಪಿರಾಯ್...!

ಘಾಲ್ಯಾಣ್ಯಾ ಎಕಾ ಸಕಾಳಿಂ
ವಾವ್ರಾರ್ ಝುಜ್ಯಾ ಗಲ್ಫಾ ಥಳಿಂ
ಅಪ್ಲೀತ್ ಶೆವ್ಲಾಲಿ ಖಬಾರ್ ಕಾನಾಂಕ್
ಆನ್ ಆನಿ ನಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂಚ್
ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಮಾಂಡ್ಲೊ ಕಾಳೊಕ್
ದುಕಾಂನಿಂ ಭಿಜ್ಲಿ ರೆಂವ್...
ಉಟಾ ಉಟಿಂ ಧಾವ್ಣಿ ಭೊಗ್ಲಾಂಚಿ
ಲಾಂಬ್ ರೂಂದ್ ದಿಸ್ಲಿ ವಾಟ್ ಗಾಂವ್ಚಿ
ಉಡಾಣ್ ಉಬ್ತಾನಾ ಉಚಾರಲಿ ಶೀಣ್
ಆನಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ ಲಾಗಿಂ ಆಪ್ಯಿಲ್ಲೊ
ಕಿತ್ಲೊ ಕಠೊರ್ ತುಂ ದೆವ್...!

ಕಾಂಪ್ಕುರೆ ಪಾಯ್ ಆಂಗ್ಣಾಕ್ ತೆಂಕ್ಲೆ
ಕುಟ್ಮಾ ಕಿಂಕ್ರಾಟಿ ಕಾನಾಂಕ್ ತೊಪ್ಲೆ
ಮಾಂಯ್ಕ್ ಮೊಗಾನ್ ಭುಜಾಯ್ತಾನಾ
ಭಾವ್ ಭಯ್ಣಿನಿ ಬಳಾನ್ ಆರಾಯ್ಲೆಂ
ಬೊರೆ ಮನೀಸ್ ದೆವಾಕ್ ಲಾಗ್ಗಿಲೆ ವ್ಹಯ್
ಉಸ್ವಾಸ್ ದಿಲ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆ ದಾತಾರಾಕ್
ಮೊರ್ನಾ ಪೆಟೆಂತ್ ಪಳೆಂವ್ಚೆಂ
ಮ್ಹಾಕಾ ಕಾಳೀಜ್ ಕೊಂಕ್ಡೊ ಘಾಯ್...
ಫುಲಾಂ ಝೆಲ್ಯಾಂ ಸುಂಗ್ರಾರ್ ಭಡ್ವಾಕ್
ಆನಾ ಸಂಗಿಂ ಧುಳೀಕ್ ಮೆಳ್ಚೆಂ ಭಾಗ್
ಪುಡ್ವಾಕ್
ಪುಶಾರ್ಂವ್ ಶೆಮಾರ್ಂವ್ ಸಂಪ್ಲೊ
ವಾಡ್ಯಾ ಗುರ್ಕಾರಾನ್ ಗುಣ್ಗುಣತಾನಾ
ಆದೆವ್ಸಾ ಉತ್ರಾ ಮಾನ್
ಜಿವಿತಾಂತ್ ಪಯ್ಲೆ ಪಾವ್ಪಿಂ
ಭಾವಾರ್ಥಾ ಅರ್ಥ್ ಕೊಡು ದಿಸ್ಲೊ
"ಜಲ್ಮಲ್ಯಾ ಹರ್ಯೆಕ್ಲ್ಯಾಕ್ ಎಕ್ ದೀಸ್
ಮೊರೊಂಕ್ ಜಾಯ್". !

गेणी भिकेक लाबुल्ल्या
नाडवारा कुडको भुंयत
सकाळीं ताजा पर्जळी
आनाचो धवो पुडवो
सांजेर तांबसो सदांय...
कर्कल्या वोंता उज्यांत
सुकिथाड पडलेल्या शेताक
आनाच्या घामाची शेकाय...!

व्हडलें फेसत वा उत्सव
भूत कोल तंबील
गांवांत बोरें फालें
उणें नातलें कांय...
घर्च्या कोंलबा पोटांत
बुसकोट जायते तरी
रूका पाळां अनेक
मूळ एक म्हळ्ळेबरीं
धवो पुडवो न्हेसोन
भायर सर्तालो आन राय...!

वेळान काळाचीं पानां
हाळू वोळू पर्तिताना
कोलवा पाकें वचोन
नळ्या सावळेची मेळ्ळी ससाय...
मांय आनाच्या घोंटेरांत
पांच चेडवां सुकर्णी वाडोन
दादल्या गुडांक उबलीं तर
पांच तर्ने कोंबले आमीं
तेगानीं धरली गाद्यां देग
आन्येकल्याक बोंबोयची दीग
निमाण्या पेह्याक म्हाका
गलफा धगी दोवांत भिजची पिसाय...!

कागदा पानार आशार पाशार
बेसांवां, दुखां तशें नवें
खंतीश्ट भयण, भावाचें रीण
मांय आनाच्या रूणाक

कुसकूट गलफा दुड्डू
कितलो लाबयत पुर्ती थंडाय...
मांयच्या कपलाच्यो मिरियो
आनाचे असकत बोरियो
काळाच्या कांव्यांक बावली
मालघड्या मांड्यांची पिराय...!

फाल्याण्या एका सकाळीं
वावरार झजच्या गलफा थळीं
अवचीत शेवटाली खबार कानांक
आन आनी ना म्हळ्ळेंच
दोळ्यांक मांडलो काळोक
दुकांनीं भिजली रेंव...
उटा उटीं धावणी भोगणांची
लांब रूंद दिसली वाट गांवची
उडाण उबताना उचारली शीण
आनाक तुज्या लागीं आपयिल्लो
कितलो कठोर तूं देव...!

कांपकुरे पाय आंगणाक तेंकले
कुटमा किंक्राटी कानांक तोपले
मांयक मोगान भुजायताना
भाव भयणिनी बळान आरायलें
बोरे मनीस देवाक लागशिले व्हय
उस्वास दिल्ल्या जिण्ये दाताराक
मोर्ना पेटेंत पळेंवचें
म्हाका काळीज कोंकचो घाय...
फुलां झेल्यां सुंर्गार भडव्याक
आना संगीं धुळीक मेळचें भाग
पुडव्याक
पुर्शांव शेर्मांव संपलो
वाड्या गुर्कारान गुणगुणताना
आदेवसा उत्रा मान
जिवितांत पयले पावटीं
भावार्था अर्थ कोडू दिसलो
"जल्मल्ल्या हऱ्येकल्याक एक दीस
मोरोंक जाय". !

ತಿ ವಾಟ್

ಕ್ಲೈವ್ ಸೊಜ್, ಬೊಳಿಯೆ, ಮಂಗ್ಳುರ್

ನಾಂ ನಾಂ ಮ್ಹಣೂನ್ ರಡ್ಪೆಲ್ಯಾಂ ಲಾಗಿಂ ಸಗ್ಳೆಂ ಮೆಳ್ಳೆಂ,
ಸಗ್ಳೆಂ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ತಲೆ ರಸ್ತ್ಯಾ ದೆಗೆನ್ ನಿದೂನ್ ಆಸ್ಲೆ.
ಆನಿ ತೆ ನಿರ್ಗತೀಕ್, ಥಿಭೊ ಲಾಗ್ಲಲೆ

ರೆಡ್ಯಾಚಿ ದೂಕ್ ಕಾವ್ಳ್ಯೊ ಕಿತೆಂ ಜಾಣಾ?
ಗಾದ್ ಮಾತ್ರ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾಂನಿ ಘಾಲ್ಜಿ
ಕಾವ್ಳ್ಯಾಚಿ ಭೂಕ್ ರೆಡ್ಯಾಶಿವಾಯ್ ಕೊಣಾಕ್ ದಿಸ್ಲಿ?

ರಗತ್ ಚಿಂವ್ಚ್ಯಾ ಕಿರಂಟಿಂಪರಾಸ್,
ಕಾವ್ಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ಬೊಂಚಿಂತ್ ಆಸ್ಲಿ ಮಜಾ
ಹಾಂಗಾ, ಸದಾಂ ಮನ್ಶ್ಯಾರುಪಾರ್ ಬೊಲ್ಪೆ ಉಭೆ

ಬರ್ಯಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಂಕ್ ಕಶ್ಟ್ ಚಡ್
ದೆಕೂನ್ ಕಶ್ಟಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಪಯ್ಸ್ ರಾವ್ತಾಂವ್
ಆನಿ ಅಪ್ಣಾಂಕ್‌ಚ ಬರೆ ಮ್ಹಣ್ತಾಂವ್

ತುವೆಂ ತರ್ಕಾಕ್ ದೆಂವ್ತಾನಾ
ಹಾಂವ್ ಪಾಟಿಂ ಸರ್ಲೊಂ
ಚಿಂತಿನಾಕಾ ಹಾಂವ್ ನೆಣಾರಿ ಮ್ಹಣ್
ಹಾಂವ್ ಜಾಣಾರೀಯ್ ನ್ಹಯ್

ತರ್ಕ್ ತರ್ ಸೊಲ್ಲೊ ಕರೀತ್, ಅಸ್ಮಿತಾಯ್ ಉದೆಯ್ತ್
ದಂದ್ವ್ ಹಾಡಯ್ತ್, ಮನ್ಶ್ಯಾಪಣಾಂ ಮೊರೊನ್ ಪಡ್ತೀತ್
ಹಾಂವ್, ಹಾಂವ್ ಜಾಯ್ನಾ ಜಾಯ್ತ್

ಕವಿತಾ, ಕಾಣಿಯೊ ಬರಂವ್ಚ್ಯಾ ಕ್ಲೈವ್ ಸೋಜ್ ಬೊಳಿಯೆಚಿಂ ಬರಪಾಂ ಕೊಂಕಣಿ ಜಾಳಿಜಾಗ್ಯಾಂನಿ ತಶೆಂಚ್ ನೇಮಾಳ್ಯಾಂನಿ ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಸದ್ಯಾಕ್ ಕುವೆಯ್ಟಾಂತ್ ವಾವ್ರ್ ಕರುನ್ ಆಸಾ.

ती वाट

क्लैव सोज, बोळिये

नां नां म्हणून रडटेल्यां लागीं सगळें मेळ्ळें,
सगळें आसा म्हणतले रसत्या देगेन निदून आसले.
आनी ते निर्गतीक, थिभो लागलले

रेड्याची दूक कावळो कितें जाणा?
गाद मात्र सगळ्यांनी घाजली
कावळ्याची भूक रेड्याशिवाय कोणाक दिसली?

रगत चिंवच्या किरंटिंपरास,
कावळ्याच्या बोंचिंत आसली मजा
हांगा, सदां मनशारुपार बोल्पे उभे

बरया? मनश्यांक कश्ट चड
देकून कश्टां थावन पयस रावतांव
आनी अपणांकच बरे म्हणतांव

तुवें तर्काक देंवताना
हांव पाटीं सरलों
चिंतिनाका हांव नेणारी म्हण
हांव जाणारीय न्हय

तर्क तर सोल्लो करीत, अस्मिताय उदेयत
दंद्व हाडयत, मनशापणां मोरोन पडतीत
हांव, हांव जायना जायत

कविता, काणियो
बरंवच्या क्लैव सोज
बोळियेचीं बरपां कोंकणी
जाळिजाग्यांनी तशेंच
नेमाळ्यांनी पर्गटल्यांत.
सद्याक कुवेयटांत
वावर करून आसा.

ಮನ್ಶ್ಯಾಚೆಂ ಮಟಣ್

ದೀಪ್‌ರಾಜ್ ಸಾತೊರ್ಡೆಕರ್, ಪಂಚವ್ಡಿ, ಗೊಂಯ್

ಎಕ್ ದೀಸ್ ಬೊಕ್ಯಾಕ್
ಖಾಯ್ನ್ ದಿಸ್ಲೆಂ ಮನ್ಶ್ಯಾಚೆಂ ಮಟಣ್
ತೀರ್‌ಯಾರ್ ವಚ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ಘೆ ರಾಶಿ..
ತಂಬ್ಡೆಂ ಗುಂಜ್ ಮಟಣ್
ಘೆವಂಕ್ ಗೆಲ್ಯಾರ್
ಕೊಣಾಕ್ ಗೊಡೆಂಮೂತ್
ಕೊಣಾಕ್ ಕೆನ್ಸರ್
ಕೊಣಾಕ್ ಎಡ್‌ಸ
ಕೊಣಾಕ್ ಟಿ.ಬಿ.
ದುಯೆಂಸ್ಟ್ಯೊ ಘೆ ರಾಶಿ
ಬೊಕ್ಡೊ ಉರ್ಲೊ ಉಪಾಶಿ

ಬೊಕಡ್‌ಯಾನ್ ಮಟಣ್ ಮಾಗೀರ್
ಒನ್‌ಲಾಯ್ನ್ ಟ್ರಾಯ್ ಕೆಲೆಂ
ಮನ್ಶ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮಟ್ಣಾಚಿ ಸಾಯ್ಟ್ ಕೆಲಿ ಒಪನ್
ಒಪ್ತನ್ ಆಯ್ಲೆಂ
ಕೊಂಕ್ಣೆ-ಮುಸ್ಲಮಾನ್-ಕಿರಿಸ್ತಾಂವ್
ತಾಣೆಂ 'ಕೊಂಕ್ಣೆ' ಕ್ಲೀಕ್ ಕೆಲೆಂ
ಪತೆರ್ಂ ಒಪ್ತನ್ ಆಯ್ಲೆಂ..
ಭಾಟ್-ಬಾಮಣ್-ವಾಣಿ
ಶೆಟ್-ಮ್ಹಾಲೊ-ಮೆಸತ್
ಖಾಖಿ-ಗಾವ್ಡೊ-ಭಂಡಾರಿ..
ಜಾತೀಚ್ಯೊ ಘೆ ರಾಶಿ
ಬೊಕ್ಡೊ ಪರ್ತೂನ್ ಉಪಾಶಿ

ಬೊಕ್ಡೊ ಪರ್ತೂನ್
ತೀರ್‌ಯಾರ್ ಗೆಲೊ
ತಾಣೆಂ ತಿನೂಯ್ ಧರ್ಮಾಚೆ
ಜಾತಿ ಕಾತೀಚೆ
ವಾಂಟೆ ಮೊಲಾಯ್ಲೆ
ಸಗ್ಯಾಂಚೊ
ರಂಗ್ ಎಕ್, ಕಾಲೆತ್ ಎಕ್
ವೆಗ್ಳೆಂ ಕಾಂಯ್ಚ್ ದಿಸ್ಲೆಂ ನಾ
ಆಪ್ಲಿ ಜಾತ್ ಖಂಯ್ಚಿ ಕಾಯ್?
ತಿವ್ಯ ತಾಕಾ ಕಳ್ಳಿ ನಾ
ವಿಚಾರಾಂಚ್ಯೊ ಘೆ ರಾಶಿ
ಬೊಕ್ಡೊ ಬಾಬ್ಡೊ ಉಪಾಶಿ

ಎಮ್.ಎ. ಪದ್ಯುತ್ತರ್ ಶಿಕ್ಪಿ
ನಾಟಕಿಸ್ತ್, ಕಾಣಿಯೆಗಾರ್
ಆನಿ ಕವಿ. **ಸುನಾಪರಾಂತ್, ಭಾಂಗಾರ್ ಭುಂಯ್**
ತಶೆಂಚ್ ಹೆರ್
ನೇಮಾಳ್ಯಾಂನಿ
ಕವಿತಾ ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾತ್.
ಕವಿಸಮ್ಮೇಳನಾಂನಿ
ಕವಿತಾ ಸಾದರ್
ಕೆಲ್ಯಾರ್.

मनशाचें मटण

दीपराज सातोर्डेकर, पंचवडी

एक दीस बोकड्याक
खायन दिसलें मनशाचें मटण
तीठयार वच जाल्यार
घे राशी..
तंबडें गुंज मटण
घेवंक गेल्यार
कोणाक गोडेंमूत
कोणाक केन्सर
कोणाक एडस
कोणाक टी.बी.
दुयेंसच्यो घे राशी
बोकडो उरलो उपाशी

बोकडयान मटण मागीर
ओनलायन ट्राय केलें
मनश्याच्या मटणाची सायट केली ओपन
ओपशन आयलें
कोंकणे-मुसलमान-किरिसतांव
ताणें 'कोंकणे' क्लीक केलें
परतें ओपशन आयलें..
भाट-बामण-वाणी
शेट-म्हालो-मेसत
खाखी-गावडो-भंडारी..
जातीच्यो घे राशी
बोकडो परतून उपाशी

बोकडो परतून
तीठयार गेलो
ताणें तिनूय धर्माचे
जाती कातीचे
वांटे मोलायले
सगळ्यांचो
रंग एक, कालेत एक
वेगळें कांयच दिसलें ना
आपली जात खंयची काय?
तिव्यू ताका कळळी ना
विचारांच्यो घे राशी
बोकडो बाबडो उपाशी



एम.ए. पद्युत्तर शिकपी नाटकिसत, काणियेगार आनी कवी. **सुनापरांत, भांगार भुंय** तशेंच हेर नेमाळ्यांनी कविता पर्गटल्यात. कविसम्मेळनांनी कविता सादर केल्यार.

ಪ್ರವಚನ್

ಎಲಾಸ್ ಅಲಂಗಾರ್, ಮಂಗ್ಳುರ್

ಹೆರಾಂಕ್ ಪ್ರವಚನ್.
ತಾಂಚೆಭಿತರ್ ಕುಲ್ಯಾಂರ್ಗಚೆ ಗೂಣ್.
ಮೊಗಾನ್ ಜಿಯೆಯಾ
ಮ್ಹಣೊನ್ ದಿತಾತ್ ಶಿಕೊನ್.
ಪೂಣ್ ತಾಂಚೆಭಿತರ್
ಭಲಾರ್ಂ ಮೊಸ್ರಿಪಣ್.
ಸೊಡ್ ರೆ ಮಿಂಗಾ
ಸಕ್ಕಡ್ ನ್ಹಹಿಂರೆ ತಶೆಂ...

ಎಕ್ಲ್ಯಾಕ್ ಪಳೆಯ್ಲ್ಯಾರ್
ಅನ್ಯೆಕ್ಲ್ಯಾಕ್ ಜಾಯ್ನಾ.
ತಾಣೆ ಕಿತೆಂಯ್ ಸಾಂಗ್ಲ್ಯಾರ್
ಹಾಕಾ ಜಾಯ್ನಾ.
ಹಾಚೆ ಆಯ್ಕಾನಾತ್ಲ್ಯಾರ್
ತಾಚೆ ದೆಂವ್ಚಾರ್ ಪಣ್.
ಸೊಡ್ ರೆ ಮಿಂಗಾ
ಸಕ್ಕಡ್ ನ್ಹಹಿಂರೆ ತಶೆಂ...

ಹಾಕಾ ಪದ್ವಿ, ನಾಂವ್
ಬಿಜಿನೆಸ್ ಮೈಂಡ್.
ತಾಚೆ ಸಾಧೆಂಪಣ್.
ಹಾಕಾ ಆಸತ್ ಸಂಪ್ತ್.
ತಾಚೆ ಉದಾರ್ ಪಣ್.
ಹಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ಜಾತಾ
ಸದಾಂಚ್ಯ್ ಜಟಾಪಟ್.
ಸೊಡ್ ರೆ ಮಿಂಗಾ
ಸಕ್ಕಡ್ ನ್ಹಹಿಂರೆ ತಶೆಂ...

ಸೊಡ್ ಮ್ಹನ್ಯಾ ಪಯ್ಲೆಂ
ತುಜೆ ಕುಸ್ಡೆಪಣ್!!
ಉಪ್ರಾಂತ್ ದಿ ತುಜಿ
ಶಿಕೊನ್, ಪ್ರವಚನ್.
ಜಿಯೆಂವ್ಕ್ ದಾಕಯ್
ಸ್ವತ್ಹಾ ತುಜೆ ಮ್ಹನ್ಯಾಪಣ್.
ಉಪ್ರಾಂತ್ ಮುಕಾರ್ಸೀಯ್
ಮಿಸಾಂವಾಚೆ ಪಯ್ಣ್.
ಸೊಡ್ ರೆ ಮಿಂಗಾ
ಸಕ್ಕಡ್ ನ್ಹಹಿಂರೆ ತಶೆಂ...
ಅಸಾತ್ ರೆ ಸಬಾರ್ ಬರೆಂ....

ಅಲಂಗಾರ್ ಗಾಂವ್ಚೊ
ಎಲಿಯಾಸ್ ಡಿ'ಸೋಜ್
ಸದ್ದ್ಯಾಕ್ ಇಸ್ರೇಲಾಂತ್
ಕಾಮ್ ಕರುನ್ ಆಸಾ.
ಕವಿತಾ ತಸೆಂಚ್
ಕಾಣಿಯೊ ಬರಯ್ತಾ.

प्रवचन

एलास अलंगार

हेरांक प्रवचन.
तांचेभितर कुरल्यांचे गूण.
मोगान जियेया
म्हणोन दितात शिकोन.
पूण तांचेभितर
भरलां मोस्रिपण.
सोड रे मिंगा
सक्कड न्हहिंरे तशें...

एकल्याक पळेयल्यार
अनेकल्याक जायना.
ताणे कितेंय सांगल्यार
हाका जायना.
हाचे आयकानातल्यार
ताचे देंवचार पण.
सोड रे मिंगा
सक्कड न्हहिंरे तशें...

हाका पद्दी, नांव
बिजिनेस मैंड.
ताचे साधेंपण.
हाका आसत संपत्त.
ताचे उदार पण.
हांचे मधें जाता
सदांच्य जटापट.
सोड रे मिंगा
सक्कड न्हहिंरे तशें...

सोड म्हनश्या पयलें
तुजे कुस्डेपण!!
उपरांत दी तुजी
शिकोन, प्रवचन.
जियेंवन दाकय
स्वतहा तुजे म्हनश्यापण.
उपरांत मकार्सीय
मिसांवाचे पयण.
सोड रे मिंगा
सक्कड न्हहिंरे तशें...
असात रे सबार बरें....

अलंगार गांवचो एलियास डी'सोज सद्याक इस्रेलांत काम करून आसा. कविता तसेंच काणियो बरयता.

ಅನ್ಯಾಯ್

ಗ್ವಾದಲುಪ್ ಡಾಯಸ್, ಗೊಂಯ

‘ಘುಂಯ್ ಫೊಡ್’, ‘ಮಳಬ್ ಗಂಗಾ’, ‘ಜಲ್ ಸ್ಥಳ್’, ‘ನಾತೆಂ’, ‘ಆಸೊರ್’ ಹಿಚ್ಯಾ ಕವಿತೆಂಚೆ ಜಮೆ. ಕವಿತೆ ಶಿವಾಯ್ ಲೇಕನಾಂ ಬರಯ್ತಾ. ಆಪಿಯಂತರಾಚೊ ವಾವ್ರ್ ಸಯ್ತ್ ತಿ ಕರ್ತಾ. ‘ಮಥಯಸ್ ಕುಟ್ಮಾಚೊ 2019 ಇಸ್ವೆಚೊ ಕವಿತಾ ಪುರಸ್ಕಾರ್’ ತಶೆಂಚ್ ಹಿಚ್ಯಾ ಹೆರ್ ಕವಿತಾ ಬುಕಾಂಕ್ ‘ಗೊಂಯ್ ಕೊಂಕಣಿ ಅಕಾಡೆಮಿಚೊ’, ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಷಾ ಮಂಡಳ್ (ಗೊಂಯ್), ಅಖಿಲ್ ಭಾರತೀಯ್ ಕವಯತ್ರಿಂಚೊ ಕಾವ್ಯಾ ಸೇವಾ ಪುರಸ್ಕಾರ್, ಬಾಲ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಪುರಸ್ಕಾರ್, ಯುವ ಸೃಜನ್ ಪುರಸ್ಕಾರ್, ಗುಲಾಬ್, ಸ್ಟೀಫನ್ ಕೊಂಕಣಿ ಕೇಂದ್ರ್ ಥಾವ್ನ್ ‘ವಲೇರಿಯನ್ ಗ್ರೇಶಿಯಸ್ ಪುರಸ್ಕಾರ್’ ಹಿಕಾ ಲಾಭ್ಲ್ಲೆ ಹೆರ್ ಪ್ರಮುಕ್ ಪುರಸ್ಕಾರ್.

ತಾಕಾ ಬಾಪುಯ್ ಮ್ಹಣಾಪಾಕ್
ಕಾಂಯ್ ಕೀಣ್ ಪರೊ ಜಾಲೆ
ತಿಕಾ ಮಾತ್ ಆವಯ್ ಜಾಂವಂಕ್
ನೊವ್ ಮಯ್ನೆ ಲಾಗ್ಲೆ

ತರಿ ಭುಗ್ಯಾರ್ಂಚಾ ನಾಂವಾಂತ್
ಸಮಾಜಾಕ್ ಬಾಪುಯ್ ದಿಸ್ತಾ
ನೊವ್ ಮಯ್ನ್ಯಾಚೊ ಹಿಸೊಬ್ ಕರೂಂಕ್
ವೆಳ್ ಕೊಣಾಕ್ ಆಸ್ತಾ?

ಶಿಕ್ಷಣೀಕ್ ಮಾಳಾರ್ ಪರ್ಜಳ್ಯಾರ್
ತೊ ಬಾಪಾಯ್ಚೊ ಚೆಡೊ
ವಾಯ್ಟ್ ರಸ್ತ್ಯೊ ಆಪ್ಣಾಯ್ಲ್ಯಾರ್
ಆವ್ಯ್ಕ ಹಾಸ್ತಾ ವಾಡೊ

ಲಗ್ನ್ ವೆಳಾರ್ ವಳೊಕ್ ಕಶಿ
ತಿ ಬಾಪಾಯ್ಚಿ ಚಲಿ
ಘೊವಾಗೆರ್ ಚೂಕ್ ಘಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಮ್ಹಣ್ಟಾತ್
ದೆಖ್ ದಿವ್ಪಿ ಆವಯ್ ಮೆಲಿ?

ಆತ್ ಮಾರ್ಚ್ ಬಾಯ್ಲಾಂಚೊ ದೀಸ್
ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮ್ಹಣಾ ಹೊ ವೆಗ್ಳೊ
ಎಕ್ ದಿಸಾನ್ ಪುಸುನ್ ವಚತ್
ಅನ್ಯಾಯ್ ಜಾಲ್ಲೊ ಸಗ್ಳೊ?

अन्याय

ग्वादलुप डायस, गोयां

'भुंय फोड', 'मळब गंगा', 'जल स्थळ', 'नातें', 'आसोर' हिच्या कवितेंचे जमे. कवितेशिवाय लेकनां बरयता. लिपियंतराचो वावर सयत ती कर्ता. 'मथयस कुटमाचो २०१९ इस्वेचो कविता पुरसकार' तशेंच हिच्या हेर कविता बुकांक 'गोंय कोंकणी अकाडेमिचो', कोंकणी भाषा मंडळ (गोंय), अखील भारतीय कवयत्रिंचो काव्या सेवा पुरसकार, बाल साहित्य पुरसकार, यूव सृजन पुरसकार, गुलाब, स्टीफन कोंकणी केंद्र थावन 'वलेरियन ग्रेशियस पुरसकार' हिका लाभल्ले हेर प्रमूक पुरसकार.

ताका बापुय म्हणापाक
कांय कीण परो जाले
तिका मात आवय जांवंक
नोव मयने लागले

तरी भुरग्यांचा नांवांत
समाजाक बापुय दिसता
नोव मयन्याचो हिसोब करूंक
वेळ कोणाक आसता?

शिक्षणीक माळार पर्जळ्ळ्यार
तो बापायचो चेडो
वाय्ट रस्तो आप्णाय्ल्यार
आवय्क हास्ता वाडो

लग्न वेळार वळोक कशी
ती बापायचि चली
घोवागेर चूक घड्ल्यार म्हण्टात
देख दिव्वि आवय मेलि?

आत मार्च बाय्लांचो दीस
कित्याक म्हणा हो वेगळो
ऐक दिसान पुसुन वचत
अन्याय जाल्लो सग्ळो?

ಮಾನಸ್ ಕನ್ಯಾ

ಡೊ। ಹನುಮಂತ್ ಚೊಪ್ಡೆಕರ್, ಗೊಂಯ



ಕೊಂಕಣಿ ವಿಭಾಗಾಚೊ ಮುಖೇಸ್ತ್ ತಶೆಂಚ್ ಪ್ರಾಧ್ಯಾಪಕ್ ಜಾವ್ನ್ ವಾವ್ರ್ ಕರ್ಚೊ ಕವಿ, ಕಾಣಿಯೆಗಾರ್, ನಾಟಕಿಸ್ತ್, ಬಾಲ್ ಸಾಹಿತ್‌ಕಾರ್, ಸಂಶೋಧಕ್ ತಶೆಂಚ್ ತರ್ಜಣ್‌ಕಾರ್. ದೋನ್ ಕವಿತಾ ಜಮೆ; **'ಆತಾಂ ಕೆನ್ನಾ ತರೀ ಪಾಂತೊಡ್ ಜಾತಲಿ', 'ಏಕ್ ಚೀಟ್ ಮೊಗಾಳ್ ಆಯಿಲಿಕ್'** ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾತ್. ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಷಾ ಮಂಡಳ್ (ಗೊಂಯ್) ತಶೆಂಚ್ ಗೊವಾ ಕೊಂಕಣಿ ಅಕಾಡೆಮಿಚೊ ಪುರಸ್ಕಾರ್ ಹಾಕಾ ಲಾಬ್‌ಲ್ಲೆ ಪ್ರಮುಕ್ ಪುರಸ್ಕಾರ್.

ಧುವೆ,
ತುಜೆರ್ ಆಗ್ಗೀಕ್ ಜ಼ಾಲ್ಲ್ಯಾ
ತ್ಯಾ ಕಾಳ್ಯಾ ದಿಸಾಂಚ್ಯಾ
ಆಕಾಂತಾಚಿ ಯಾದ್ ಯೆತಾಚ್
ಆತ್ಯಾಕ್ ಫುಟ್ಟಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ
ಕುಲ್ಕುಲ್ಯಾಚೊ ಜೊರ್
ಆನಿ
ಬೆಳ್ಯೆಲ್ಲೊ ಶೆಲೊ ಘಾಮ್
ಫುಟ್ಟಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ
ಭಗ್ಭಗ್ ಪಡಿಲ್ಲ್ಯಾ
ಫಢ್ಫಡಪಿ ಪ್ರಾಣಾಕ್

मानस कन्या

डो।हनुमंत चोपडेकर



कोंकणी विभागाचो मुखेसत तशेंच प्राध्यापक जावन वावर कर्चो कवी, काणियेगार, नाटकिसत, बाल साहीतकार, संशोधक तशेंच तर्जणकार. दोन कविताजमे; **'आतां केन्ना तरी पांतोड जातली', 'एक चीट मोगाळ आयीक'** पर्गटल्यात. कोंकणी भाषा मंडळ (गोंय) तशेंच गोवा कोंकणी अकाडेमिचो पुरसकार हाका लाबल्ले प्रमूक पुरसकार.

धुवे,
तुजेर आगळीक जाल्ल्या
त्या काळ्या दिसांच्या
आकांताची याद येताच
आत्म्याक फुट्टा म्हज्या
कुलकुल्याचो जोर
आनी
बेळशेल्लो शेळो घाम
फुट्टा म्हज्या
भगभग पडिल्ल्या
फडफडपी प्राणाक

ಕಶೆಂ........
ಧುವೆ.... ಕಶೆಂ........
ಸೊಂಸ್ಲೆ ತುವೆಂ
ತೆ
ಮಹಾಯಾತನಾಂಚೆ
ನಿರಂತರ್
ಪೊಜ್ಡೆ ಅತ್ಯಾಚಾರ್

ರಾಷ್ಟ್ರಾಚ್ಯಾ
ಭರ್ ಕಾಳ್ಜಾಂತಘಡಿಲ್ಲ್ಯಾ
ತ್ಯಾ
ಕಾಳ್ಯಾ ಘಡ್ಣುಕೆ ಸಾವ್ನ್
ಮ್ಹಾಕಾ ದರ್ ಖಿಣಾಕ್
ಎಕ್ ಪ್ರಸ್ನ್ ಸತಯ್ತಾ..
ಪಸ್ತ್ರೀಕ್ ಆವಯ್ ಮಾನ್ಚಿ
ಮಹಾಪುರೂಶ್ ಹ್ಯಾಚ್ ಸಂಸ್ಕೃತೆಂತ್
ಜಲ್ಮಲ್ಲೆ ಅಶೆಂ ಮ್ಹಟ್ಲ್ಯಾರ್
ಕೊಣ್ ದವ್ರತಲೊ ವಿಶ್ವಾಸ್...

ತಸೊ ಆತಾಂ
ವಿಶ್ವಾಸ್
ಹ್ಯಾ ವಿಶ್ವಾಂತ್ ಉರೂಂಕೂಚ್ ನಾ
ತೊ
ಪಿಸೊ ಜಾಲಾ
ನಪುಂಸಕ್ ಜಾಲಾ
ತಾಚ್ಯಾ ಸಗ್ಳ್ಯಾ
ಸೊಯ್ರ್ಯಾಂ ಧಾಯ್ರ್ಯಾಂ
ಆನಿ
ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂ ಸಕಟ್

ಧುವೆ,
ತುಜೆರ್ ಅತ್ಯಾಚಾರ್ ಕರ್ಪಿ
ಹಾತ್
ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸಾರ್ಕ್ಯಾಚ್
ದಾದ್ಲ್ಯಾಂಚೆ ಆಸ್ಲೆಂ....
ಹೆಂ ಸತ್ ಹೊಲ್ಮತಾಚ್
ಮ್ಹಜೊ ಹಾಂವೂಚ್

ಮ್ಹಾಕಾಚ್ ಕಾಡೊನ್ ಉಡಯ್ತಾ
ನರ್ಕಾಂಚ್ಯಾ ಗುವಾಂತ್
ಆನಿ
ತ್ಯಾ ಸ ನರ್ಕಾಸುರಾಂಚ್ಯೊ
ಆತ್ಮ್ಯೊ ಭಾಯ್ರ್ ಕಾಡೂನ್
ತ್ಯೊ ವೆಶೀರ್ ಹುಮ್ಕೊಳಪಾಕ್
ಹಾಂವ್ ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ತಾ
ಘರಾಧಾರಾಚೆರ್ ಮ್ಹಜೆಂ
ಪುರೂಷ್ಪ್ ಹುಮ್ಕೊಳೊನ್

ಧುವೆ,
ಮ್ಹಾಕಾ ಖಬರ್ ಆಸಾ
ಹಾಂಗಾಂ
ಮನೀಸ್ ದುಯೆಂಸಾನ್ ಮರ್ತಾತ್
ಮನೀಸ್ ರಸ್ತ್ಯಾರ್ ಸೊಪ್ತಾತ್
ಗಾಡ್ಯೆ ಪೊಂದಾಕ್ ಪಡಿಲ್ಲೆ ಜೀವ್
ಎಕಾ ಧಪ್ಕ್ಯಾಂತ್ ಲಾಟೂನ್ ವತಾ
ಚಪಾತಿ ಸಾರ್ಕೆ...
ಹಯ್ ಧುವೆ,
ಹಾಂವ್ ಜಾಣಾ
ತೊ ಜೀವ್ ಎಕ್ದಾಂಚ್ ಮರ್ತಾತ್
ಎಕಾ ಧಪ್ಕ್ಯಾಂತ್ ಕಾಬಾರ್ ಜಾತಾ
ಪೂಣ್ ತುವೆಂ
ಇಲ್ಲ್ಯಾಶಾ ಸಾನ್ ಪಿರಾಯೆರ್
ಎಕಾಚ್ ವಾಂಗ್ಡಾ
ತಿಂ ಹಜಾರಮರಣಾಂ
ಕಶಿಂ ಗೆ ಸೊಂಸ್ಲಿಂ
ಕಶಿಂ ?????????

ಧುವೆ ಮ್ಹಜೆ,
ನಿರ್ಭಯೆ............
ತುಂ ಮರ್ಣಾ ಕಡೆನ್ ಝುಜೂನ್ ಗೆಲಿ....
ಸಾಸ್ಣಾಚಿ ನ್ಹಿದ್ ಘೆವ್ನ್ ಗೆಲಿ
ಆಮ್ಕಾಂ ಸಗ್ಳ್ಯಾಂಕ್ ಮಾತ್
ತುಂ ಲಖ್ಬ್ ಜಾಗಿ ಕರೂನ್ ಗೆಲಿ

कशें........
धुवे.... कशें........
सोंसले तुवें
ते
महायातनांचे
निरंतर
पोजडे अत्याचार

राष्ट्राच्या
भर काळजांतघडिल्ल्या
त्या
काळख्या घडणुके सावन
म्हाका दर खिणाक
एक प्रस्न सतयता..
परस्त्रीक आवय मानपी
महापुरूश ह्याच संस्कृतेंत
जल्मल्ले अशें म्हटल्यार
कोण दवरतलो विश्र्वास...

तसो आतां
विश्र्वास
ह्या विश्र्वांत उरूंकूच ना
तो
पिसो जाला
नपुंसक जाला
ताच्या सगळ्या
सोयऱ्यां धायऱ्यां
आनी
दायज्यां सकट

धुवे,
तुजेर अत्याचार करपी
हात
म्हज्या सारक्याच
दादल्यांचे आसलें....
हें सत्य होल्मताच

म्हजो हांवूच
म्हाकाच काडोन उडयता
नरकांच्या गुवांत
आनी
त्या स नरकासुरांच्यो
आतड्यो भायर काडून
त्यो वेशीर हुमकोळपाक
हांव भायर सरता
घराधाराचेर म्हजें
पुरूषत्व हुमकोळोन

धुवे,
म्हाका खबर आसा
हांगां
मनीस दुयेंसान मरतात
मनीस रस्त्यार सोपतात
गाडये पोंदाक पडिल्ले जीव
एका धपक्यांत लाटून वता
चपाती सारके...
हय धुवे,
हांव जाणा
तो जीव एकदांच मरतात
एका धपक्यांत काबार जाता
पूण तुवें
इल्ल्याशा सान पिरायेर
एकाच वांगडा
तीं हजारमरणां
कशीं गे सोंसलीं
कशीं ?????????

धुवे म्हजे,
निर्भये............
तूं मरणा कडेन झुजून गेली....
सासणाची न्हिद घेवन गेली
आमकां सगळ्यांक मात
तूं लखख जागी करून गेली

ಮುಂಬಯ್ಚೊ ಪಯ್ಲೊ ಪಾವ್ಸ್..

ಪ್ರಸನ್ನ್ ನಿಡ್ಡೊಡಿ, ಮುಂಬಯ್

ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಪಾವ್ಸಾ ಥೆಂಬ್ಯಾಂನಿ
ಧರ್ಣಿ ಮೂರ್ ವಾರ್ಯಾಕ್ ಉಭಯ್ತಾನಾ
ಸಾಡಿ ಧರೂನ್ ಪಾಲೊಂವ್ ವೊಡೂನ್
ಆಂಗ್ ಹಿವ್ಳಾವನ್ ಚಲ್ಯಾ ನಾರೀನ್
ಸತ್ರೆ ಪಂದಾಕ್ ವೊಡೂನ್ ಧರ್ಲೆಂ
ಮುಂಬಯ್ಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಪಾವ್ಸಾಕ್....

ಭುರ್ಗಿಂ ಸಂತೊಸಾನ್ ಉಡ್ಕಣಾ ಮಾರೂನ್
ಪಾವ್ಸಾ ರಾಯಾಕ್ ಸ್ವಾಗತ್ ಕರ್ತಾನಾ
ಹಾತ್-ಗಾಡ್ಯೆರ್ ಚ್ಯಾ ಭಜಿಯಾ ಕರ್ಚೊ ಭಯ್ಯಾ
ಗೊಮ್ಟಿ ಲಾಂಬ್ ಕರೂನ್ ಗಿರಾಕಿಂಕ್ ತಿಳ್ತಾ
ಮುಂಬಯ್ಚ್ಯಾ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಪಾವ್ಸಾಕ್.....

ಹಾಂವ್ಯಿ ಭಿಜೊನ್ ಕಾವ್ಳೊ ಜಾತಾನಾ
ಹಾತ್ ಗಾಡ್ಯೆ ಕುಶಿಂ ಹುನೊನಿ ಚ್ಯಾ
ತಾಳ್ಯಾರ್ ಸೊಡೂನ್ ಪಾವ್ಸಾ ಹಿಂವ್ ದೂರ್
ಕರುಂಕ್ ಬೊಲ್ಸಾಕ್ ಹಾತ್ ಘಾಲ್ತಾನಾ
ಭೀಜ್‌ಲ್ಲೆ ನೊಟ್ ಚಿಡಾವ್ನ್ ಹಾಸ್ತಾಲೆ
ಮುಂಬಯ್ಚ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಪಯ್ಲ್ಯಾ ಪಾವ್ಸಾಕ್.....!!

ಹಿಲರಿ ಡಿ'ಸಿಲ್ವಾ ಬಿ.ಎ.
ಪದ್ವಿ ಜೊಡ್ಬಿ,
ಪಯ್ಣಾರಿ.ಕೊಮ್‌ಚೊ
ಸಹ-ಸಂಪಾದಕ್, ನಾಟಕಿಸ್ತ್,
ಕವಿ, ಕಾಣಿಯೆಗಾರ್,
ತಶೆಂಚ್ ಲೇಕಕ್. **'ತಾನ್'**
ಹಾಚ್ಯಾ ಕವಿತೆಂಚೊ ಜಮೊ
ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನಾನ್
ಪರ್ಗಟ್ಲಾ. ಪಯ್ಣಾರಿ-
ವೀಜ್ ಹಾಣಿಂ ಮಾಂಡುನ್
ಹಾಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಡೆ| ವಿಲ್ಪಿ
ರೆಬಿಂಬಸ್ ಸ್ಮಾರಕ್
ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ್ ಸಾಹಿತಿಕ್
ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಂತ್, 2007
ಇಸ್ವೆಂತ್ ದಾಯ್ಜ್.ಕೊಮ್‌ಚೊ
'ಮಯ್ನ್ಯಾಚೊ ಕವಿ'
ತಶೆಂಚ್ ಹೆರ್ ಸಾಹಿತಿಕ್
ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಂನಿ ಇನಾಮಾಂ
ಆಪ್ಣಾಯ್ಲ್ಯಾಂತ್.

मुंबयचो पयलो पावस....

प्रसन्न निड्डोडी

पयल्या पावसा थेंब्यांनी
धर्णी मूर वारयांक उभयताना
साडी धरून पालोंव वोडून
आंग हिवळावन चल्च्या नारीन
सत्रे पंदाक वोडून धरलें
मुंबयच्या ह्या पयल्या पावसाक....

भुर्गीं संतोसान उडकणा मारून
पावसा रायाक स्वागत कर्ताना
हात–गाड्येर च्हा भजिया कर्चो भय्या
गोमटी लांब करून गिराकिंक तिळता
मुंबयच्या पयल्या पावसाक.....

हांवयी भिजोन कावळो जाताना
हात गाड्ये कुशीं हुनोनी च्हा
ताळ्यार सोडून पावसा हिंव दूर
करुंक बोल्साक हात घाल्ताना
भीजल्ले नोट चिडावन हासताले
मुंबयच्या त्या पयल्या पावसाक.....!!

हिलरी डी'सिलवा बी. ए. पद्वी जोडपी, पयणारी.कोमचो सह–संपादक, नाटकिसत, कवी, काणियेगार, तशेंच लेकक. **'तान'** हाच्या कवितेंचो जमो आशावादी प्रकाशनान पर्गटला. पयणारी–वीज हाणीं मांडून हाडल्या दे। विलफी रेबिंबस स्मारक राश्ट्रीय साहितीक स्पर्ध्यांत, २००७ इस्वेंत दायज.कोमचो 'मयन्याचो कवी' तशेंच हेर साहितीक स्पर्ध्यांनी इनामां आपणायल्यांत.

ಭುಗೆರ್ಂಪಣ್

ಮನೋಜ್ ನರೆಂದ್ರ್ ಕಾಮತ್, ಫೊಂಡೆಂ – ಗೊಂಯ್

ಧಾಕ್ಟುಲೆಚ್ ದೊಳೆ ತುಜೆ
ಸೊಬೀತ್ ಮುಖಾಮಳ್
ಫುಲಾಂ ಫುಲ್ತಾತ್ ಹಾಂಶಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್
ತುಂ ಜಾವೊಂನಾ ಅಜೂನ್ ವ್ಹಡ್

ಧಾಕ್ಟುಲೆಚ್ ಉತರ್ ತುಜೆಂ
ಜಿಬೆರ್ ಜಾತಾ ಜಡ್
ಉಡ್ಕ್ಯೊ ಮಾರೀತ್ ಧಾಂವ್ತ್ ಸುಟ್ಟಾ
ಪಡ್ಟಾ ತೆನ್ನಾ ರಡ್

ಧಾಕ್ಟುಲೆಂಚ್ ಸಪನ್ ತುಜೆಂ
ನ್ಹೀದ್ ಹಾಂಸಯ್ತಾ
ಖೆಳ್ ತುಜೆ ಸಾಮ್ಕೆಚ್ ಲ್ಹಾನ್
ಸಗ್ಳ್ಯಾಂಚಿ ಉರ್ಬಾ ವಾಡಯ್ತಾ

ಧಾಕ್ಟುಲೆಚ್ ದೀಸ್ ತುಜೆ
ಸೊಬೀತ್ ತಿತ್ಲೆ ಮ್ಹೊವೆ
ಜಾವುಂ ನಾಕಾ ವ್ಹಡ್ ಬೆಗೀನ್
ಖೆಳ್ ಘಡಯ್ ನವೆ

ಭುರ್ಗೆಪಣ್ ಮೆಳ್ಟಾ ಎಕ್ದಾಂಚ್
ಖೊಶ್ಯೆನ್ ಸಾರೂಂಕ್ ಜಾಯ್
ಉಮೆದೀಚ್ಯಾ ಲ್ಹಾರಾರ್ ಹುಬತ್
ಸದಾಂಚ್ ಜಿಯೆವಂಕ್ ಜಾಯ್

ಪ್ರಾಧ್ಯಾಪಕ್ ಜಾವ್ನ್ ವಾವ್ರ್
ಕರ್ಚ್ಯಾ ಹಾಚೆ ದೋನ್
ಕವಿತಾ ಜಮೆ;
'ರಂಗ್‌ಫಳ್', 'ಆತ್ಮ-ಬ್ರಹ್ಮ'
ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾ ್ಯತ್.
ಹಾಚಿಂ ಕವಿತಾ ಗೊಂಯ್ಚ್ಯಾ ್ಯ
ನೇಮಾಳ್ಯಾಂನಿ
ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾ ್ಯಂತ್ ತಶೆಂಚ್
ಸಭಾರ್ ಕವಿತೆಂಕ್
ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಂನಿ ಇನಾಮಾಂ
ಲಾಭ್ಲ್ಯಾ ್ಯಂತ್.

भुरगेंपण

मनोज नरेंद्र कामत, फोंडें – गोंय

धाकटुलेच दोळे तुजे
सोबीत मुखामळ
फुलां फुलतात हांशांतल्यान
तूं जावूंना अजून व्हड

धाकटुलेच उतर तुजें
जिबेर जाता जड
उडक्यो मारीत धांवत सुट्टा
पडटा तेन्ना रड

धाकटुलेंच सपन तुजें
न्हीद हांसयता
खेळ तुजे सामकेच ल्हान
सगळ्यांची उर्बा वाडयता

धाकटुलेच दीस तुजे
सोबीत तितले म्होंवे
जावूं नाका व्हड बेगीन
खेळ घडय नवे

भुरगेपण मेळटा एकदांच
खोशयेन सारूंक जाय
उमेदीच्या ल्हारार हुबत
सदांच जियेवंक जाय

प्राध्यापक जावन
वावर करच्या हाचे दोन
कविताजमे; **'रंगफळ'**,
'आत्म–ब्रह्म' पर्गटल्यात.
हाचीं कविता गोंयच्या
नेमाळ्यांनी पर्गटल्यांत
तशेंच सभार कवितेंक
स्पर्ध्यांनी इनामां
लाभल्यांत.

ಪೀಕ್-ವೀಕ್

ನಜ್ರೆತ್ ನೆರಿ ತಾಕೊಡೆ, ಮುಂಬಯ್

ಕಾಲ್ಚ ಹಾಂವೆ
ಮಜೆ ಭುಂಯ್ತ್
ವೊಂಪ್ಲಿಂ ಭಿಂಯಾಂ
ಭಾಂಗಾರಾ ಸಾರ್ಕಿಂ.

ಫಾಂತ್ಯಾರ್ ಉಟೊನ್
ಚೊಯ್ತಾಂ;
ಕೊಣೆಂಗಿ ವಿಕಾಳ್ ಕೆಲ್ಯಾಂತ್
ಭಿಂಯಾಂ ಮ್ಹಜಿಂ
ಮುಂಗ್ಯಾಂತ್ಚ

ಫಡ್ಯೆನ್ ಝುಡೊನ್
ಮಾತ್ಯೆಂತ್ ಜಿಲಿಂ
ದುಕಾಂ ಮ್ಹಜಿಂ

ಸವ್ಕಾಸ್ ತಾಂಕಾಂ
ಫುಟ್ಲೆ ಮುಂಗೆ
ಉಟ್ಲೊ ರೊವ್
ತಿಂ ವಾಡ್ಲಿಂ
ಆನಿ ಆಯ್ಲಿ ಫಳಾಂ

ಆತಾಂ ಸಗ್ಳ್ಯಾ
ಭಿಂಯಾನಿ ಸಾಂಗಾತಾ ಮೆಳೊನ್
ಜಮತ್ ಆಪಯ್ಲ್ಯಾ
'ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಾ
ಕೊಣಾಚೆಂ ತುಪೆಂ ಭರ್ಚೆಂ..?'
ಮ್ಹಳ್ಳಿ ತಾಂಚಿ
ಆತಾಂ
ವಿಕಾಳ್ 'ಚರ್ಚಾ'.

ವೊಂಪ್ತಾನಾ ಆಸ್ಲ್ಲಿಂ
ನಂಯ್‌ಗಿ
ಭಾಂಗಾರಾ ಸಾರ್ಕಿಂ.



ಪಯ್ಣಾರಿ.ಕೊಮ್‌ಜೊ
ಸ್ಥಾಪಕ್ ಸಹ-ಸಂಪಾದಕ್, ಕವಿ, ಸಮೀಕ್ಷಕ್. ಅಖಿಲ್ ಭಾರತೀಯ್ ಕೊಂಕಣಿ ಪರಿಶದ್ ತಶೆಂಚ್ ಹೆರ್ ಸಭಾರ್ ಕವಿಗೋಷ್ಟಿಂತ್ ಹಾಣೆಂ ವಾಂಟೊ ಘೆತ್ಲಾ. 'ಗಾಣಾಂ' ಹಾಚ್ಯಾ ಕವಿತೆಂಚೊ ಜಮೊ ಪರ್ಗಟ್ಲಾ.

पीक–वीक

नज्रेत नेरी ताकोडे

कालच हांवे
मजे भुंयत
वोंपलीं भिंयां
भांगारा सार्कीं.

फांत्यार उटोन
चोयतां;
कोणेंगी विकाळ केल्यांत
भिंयां म्हजीं
मुंग्यांतच

घब्रोन झडोन
मात्येंत जिरलीं
दुकां म्हजीं

सवकास तांकां
फुटले मुंगे
उटलो रोव
तीं वाडलीं
आनी आयली फळां

आतां सगळ्या
भिंयानी सांगाता मेळोन
जमत आपयल्या
'ह्या वर्सा
कोणाचें तुपें भर्चें..?'
म्हळ्ळी तांची
आतां
विकाळ 'चर्चा'.

वोंप्ताना आसल्लीं
नंयगी
भांगारा सार्कीं.

पयणारी.कोमचो
स्थापक सह–संपादक,
कवी, समीक्षक.
अखील भारतीय
कोंकणी परिशद
तशेंच हेर सभार
कविगोश्टिंत हाणें
वांटो घेतला. **'गाणां'**
हाच्या कवितेंचो
जमो पर्गटला.

ಶೂನ್ಯ್ ಹಿಶೊಬ್

ಡಾ। ಪೂರ್ಣಾನಂದ್ ಚಾರಿ, ಗೊಂಯ್

ರಿತ್ಯಾ ಕಳ್ಯಾಂಚೊ ಹಿಶೊಬ್ ಕಿತ್ಯಾ ಲಾಂವ್?
ಶೂನ್ಯ್ ಹಿಸ್ಸಾಬಾಚೆಂ ಕವ್ನ್ ಕಿತ್ಯಾ ಗಾಂವ್?

ಯತ್ನಾಚಿಂ ರತ್ನಾಂ ಕಾಡೂಂಕ್ ದರ್ಯಾ ಘುಸ್ಲೆ
ವಿಶ್ವಾಸ್ ವೆರ್ ಘಾಲೂನ್ ಸಗ್ಳೆ ಘಾಸಾಳ್ಳೆಂ
ವಾಂಝುನ್ ದರ್ಯಾಕ್ ಕಾನ್ ಕಿತ್ಯಾ ಲಾಂವ್?
ಶೂನ್ಯ್ ಹಿಸ್ಸಾಬಾಚೆಂ ಕವ್ನ್ ಕಿತ್ಯಾ ಗಾಂವ್?

ನವ್ಲಾಂಚೊ ದರ್ಯಾ ಹುಪೂಂಕ್ ತಾರ್ ಮೆಳಯ್ಲಿ
ಧಕ್ಯಾವೆಲ್ಯಾ ಧಕ್ಯಾರ್ ಕೊಣಿ ಶಿಡಾಂ ಪಳಯ್ಲಿಂ
ಜೀರ್ಣ್ ಶಿಡಾಂಕ್ ಥಿಗ್ಳಾಂ ಕಿತ್ಯಾ ಲಾಂವ್?
ಶೂನ್ಯ್ ಹಿಸ್ಸಾಬಾಚೆಂ ಕವ್ನ್ ಕಿತ್ಯಾ ಗಾಂವ್?

ಪರ್ಜಿಡೆ ಪಾಳ್ ಜವ್ನ್ ಜೀಣ್ ಝುರಯ್ಲಿ
ಉಪ್ಕಾರ್ ಶ್ರಾಪ್ ಜಾಲೆ, ರೀತ್ ಜಿರಯ್ಲಿ
ಹುಲ್ಪಿ ಜಿಣೆಕ್ ಶ್ರಾಪ್ ಕಿತ್ಯ್ ಜಾಂವ್?
ಶೂನ್ಯ್ ಹಿಸ್ಸಾಬಾಚೆಂ ಕವ್ನ್ ಕಿತ್ಯಾ ಗಾಂವ್?

ಕೊಂಕಣಿ ವಿಭಾಗಾಚೊ
ಮುಖೇಸ್ತ್ ತಶೆಂಚ್
ಪ್ರಾಧ್ಯಾಪಕ್ ಜಾವ್ನ್ ವಾವ್ರ್
ಕರ್ಚೊ ಕವಿ, ಪದಾಂ
ಫಡ್ವಿ, ನಾಟಕಿಸ್ತ್, ವಾವ್ರಾಡಿ,
ಗಾವ್ಪಿ ಆನಿ ಉಲವ್ಪಿ. ಹಾಚ್ಯಾ
ಗೀತ್-ಕವಿತೆಂಚೆ ದೋನ್
ಜಮೆ; 'ಜಿಂಗಾರ್', 'ಭಜನ್
ಮನ್'. 15 ಸಮ್ಗೀತ್
ಕೊವ್ಳೆಂಕ್ ಪದಾಂ
ಬರಯ್ಲ್ಯಾಂತ್.

शून्य हिशोब

डा। पूर्णानंद चारी

रित्या कळशांचो हिशोब कित्या लांव?
शून्य हिसवाचें कवन कित्या गांव?

यत्नाचीं रत्नां काडूंक दर्य घुसळ्ळे
विश्वास वेर घालून सगळे फासाळ्ळें
वांझ दर्याक कान कित्या लांव?
शून्य हिसबाचें कवन कित्या गांव?

नवलांचो दर्य हुपूंक तार मेळयली
धक्यावेल्या धक्यार कोणी शिडां पळयलीं
जीर्ण शिडांक थिगळां कित्या लांव?
शून्य हिसबाचें कवन कित्या गांव?

परपिडे पाळ जवन जीण झरयली
उपकार श्राप जाले, रीत जिरयली
हुलपी जिणेक श्राप कित्य जांव?
शून्य हिसबाचें कवन कित्या गांव?



कोंकणी विभागाचो मुखेसत तशेंच प्राध्यापक जावन वावर कर्चो कवी, पदां घडपी, नाटकिसत, वावराडी, गावपी आनी उलवपी. हाच्या गीत-कवितेंचे दोन जमे; **'चिंगार', 'भजन मन'.** १५ समगीत कोवळेंक पदां बरयल्यांत.

ಶೆಳಾಂವ್ ಯಾದಿ

ರಾಜಶ್ರೀ ಸಯ್ಲ್, ಗೊಂಯ್

ಮ್ಹಜಿ ಆಜಿ ಮ್ಹಣ್ಟಾಲಿ;
ಜಿವೀತ್ ಮ್ಹಣ್ಟಾತ್ ತೆಂ,
ಆಳ್ವಾ ಪಾನಾವಯ್ಲೆಂ ಉದಕ್,
ಪಾವ್ಸಾಂತ್ ಪಡ್ಟಾ ಆನಿ ವಾಯ್ರಾಂತ್ ವ್ಹಾಳ್ಟಾ.
ಮ್ಹಜಿ ಮಾವ್ಶಿ ಮ್ಹಣ್ಟಾಲಿ;
ಗರ್ಭಾಚೆ ಅನಿ ಮಿರ್ಗಾಚೆ ಸಾಂಗು ಯೆತಾ,
ಕೆನ್ನ್ ರಚ್ತಾ ಆನಿ ಕೆನ್ನಾ ಝುಡ್ಟಾ ತೊ.
ಮ್ಹಜಿ ಭಯ್ಣ್ ಮ್ಹಣ್ಟಾಲಿ;
ಪಾವ್ಸಾಂತ್ ಭಿಜ್ಲ್ಯಾರ್ ಆನಿ
ಘೊವಾನ್ ಮಾಲ್ಯಾರ್ ಕೊಣಾಕ್ ಸಾಂಗ್ತಲಿ?
ಲೊವ್ ಲೊವ್ ಹಾಂವ್ ವ್ಹಡ್ ಜಾಲಿಂ ಅನಿ
ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳೂಕ್ ಹಾಂಚೆ ಪಾವ್ಶಿ ತತ್ವ್‌ಗಿನ್ಯಾನ್
ಅಜ್ಯೆಲೊ ಘರ್ಕಾರ್ ಆಳ್ವಾ ಪಾನಾವಯ್ಲ್ಯಾ ಥೆಂಬ್ಯಾವರಿ
ರೊಖ್ಡೊಚ್ ವಾಂವ್ನ್ ಗೆಲೊ.
ಮಾವ್ಶೆಲ್ಯಾ ಪೊಟಾತ್ ಕೆನ್ನಾ ಗರ್ಭಚ್ ರಚೂಕಚ್ ನಾಸ್ಲೊ,
ಆನಿ ಮ್ಹಜಿ ಭಯ್ಣ್ ಜಿವೀತ್‌ಭರ್ ಘೊವಾಲೊ ಮಾರಚ್
ಖಾಯ್ತ್ ಆಸ್ಲಿ
ಆತಾಂ ಹ್ಯಾ ರಾಸವ್ಳ್ ದುಖಾಂಚೊ
ಎಕ್ ಪಾವ್ಸ್
ಎಕ್ ಪಾವ್ಸ್ ಜಾಲಾ

ಫಾ। ಆಗ್ನೆಲ್ ಕೊಲೆಜಿಂತ್
ಸಹ-ಪ್ರಾಧ್ಯಾಪಕ್ ಜಾವ್ನ್
ವಾವ್ರ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ಹಿಚಿಂ
ಕವಿತಾ, ಲೇಕನಾಂ ಪ್ರಬಂಧ್
ಗೊಂಯ್ಚ್ಯಾ ನೇಮಾಳ್ಯಾಂನಿ
ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾಂತ್.
'ಒಳಿಂ ರಾನಾಂ' ಹಿಚೊ
ಪರ್ಗಟ್‌ಲ್ಲೊ
ಕವಿತಾ ಜಮೊ.

शेळांव यादी

राजश्री सयल

म्हजी आजी म्हणटाली;
जिवीत म्हणटात तें,
आळवा पनावयलें उदक,
पावसांत पडटा आनी वाऱ्यात व्हाळटा.
म्हजी मावशी म्हणटाली;
गरभाचे अनी मिरगाचे सांगू येता,
केन्न रचता आनी केन्ना झडटा तो.
म्हजी भयण म्हणटाली;
पावसांत भिजल्यार आनी
घोवान मारल्यार कोणाक सांगतली?
लोव लोव हांव व्हड जालीं अनी
म्हाका कळ्क हांचे पावशी तत्वगिन्यान
अज्येलो घरकार आळवा पानावयल्या थेंब्यावरी
रोखडोच वांवन गेलो.
मावशेल्या पोटात केन्ना गर्भच रचूकच नासलो,
आनी म्हजी भयण जिवीतभर घोवालो मारच खायत
आसली
आतां ह्या रासवळ दुखांचो
एक पावस
एक पावस जाला

फा। आग्नेल कोलेजिंत सह-प्राध्यापक जावन वावर कर्च्या हिचीं कविता, लेकनां प्रबंध गोंयच्या नेमाळ्यांनी पर्गटल्यांत. **'ओर्लीं रानां'** हिचो पर्गटल्लो कविताजमो.

ಮನಾಂತಲೊ ಪಾವ್ಸ್

ಪ್ರಕಾಶ್ ದ. ನಾಯ್ಕ್, ಗೊಂಯ್

ಮನಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಪಾವ್ಸಾಂತ್
ಭಿಜೂನ್ ಗೆಲಾ
ಗಡದ್ ತುಜೊ ಕೊರ್
ಝುಡಯ್ತ್ ಪಾಂಖಾಂ
ಥುಯ್ಥುಯ್ ನಾಚ್ತಾ
ಇಂದ್ರಧೊಣುಚೊ ಮೊರ್

ಶೆರವ್ಡಾಕ್ ಚಡ್ಲಾ ರಂಗ್
ಧವೆ ಫುಲ್ಲ್ ಮಾತ್ಯೆಂತ್
ಹಾತಾಯೆದೊ ದಡ್ಲಾ ಹಾತೊ
ಕೆಗ್ದೀಚ್ಯಾ ಜುವ್ಯಾಂತ್
ಚವ್ಯಾರ್ಂತ್ ರಾವ್ಲಾ ಲಿಪೂನ್
ನವೊ ಭಾಂಗ್ರಾ ಪೊಟೆರ್
ದುದಾ ದೀಖ್ ಉರ್ಲಾ ದಸೂನ್
ಪಾಡ್ಕಾಚ್ಯಾ ಒಠಾರ್

ಅಥಾಂಗ್ ತುಜೆಂ ಮಳಬ್ ಪಾವ್ಲಾಂ
ತಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ತಳಾಂತ್
ಮೊನಿ ಸಾಂಜ್ ಗಾಭಾಕ್ ಯೆತಾ
ಕಾಜುಲ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಜಾಳಾಂತ್
ವಾಟ್ ಪಳಯ್ತ್ ದಾರಾಂತ್ ಉಬಿ
ಆಮುರಪಿಕಿ ಆಮೊರ್
ಜಳೀಮಳಿ ಆಂಗ್ಣಿ ಫುಟ್ಲಾ
ನಕ್ಷತ್ರಾಂಚೊ ಚಂವ್ರ್

ಶಿರಂತರಾಂ ಫಾಲ್ತಾ ಪುಗ್ಡಿ
ಆಕುಡ್ಪಾ ವಾವ್ಶಿ
ವಾವ್ಡಿಡೀಚಿ ಮಜಾ ಫೆತ್
ಸುಕ್ಣಿಂ ಒಲಿಂ ಪಾವ್ಶಿ
ಕಾಳ್ಜೆ ಮೆಥ್ಯೆಚೊ ದಾಗ್
ಅಜೂನ್ ಹಾತಾಚ್ಯಾ ತಳ್ವಾರ್
ಝೂಡ್ ತುಜೆಂ ಜಾತಾಂ ಒಲೆಂ
ವಥಾಂಬೆ ಥೆಂಬೆಂತಾಂ ಕಾಳ್ಜಾರ್

ಶಾರದಾ ಇಂಗ್ಲಿಶ್ ಹೈಸ್ಕೂಲಾಂತ್ ಶಿಕ್ಷಕ್ ಜಾವ್ನ್ ವಾವ್ರ್ ಕರ್ಚೊ ಹೊ ಕವಿ, ಲೇಕಕ್ ಆನಿ ವಾವ್ರಾಡಿ. ಕವಿತಾಜಮೆ; **'ಚೈತರ್'**, **'ಕಸ್ತುರ್ ಗಂಧ್'**, **'ಕುಟಳ್'**, **'ಅಸ್ತುರಿ: ಶಿಮೆಭಾಯ್ಲೆಂ ಮಳಬ್'** ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾತ್. ದೂರ್‌ದರ್ಶನ್, ಆಕಾಶ್‌ವಾಣಿ ಅಶೆಂ ಸಬ್ರ್ ಕವಿಸಮ್ಮೇಳನಾಂನಿ ಕವಿತಾ ಸಾದರ್ ಕೆಲ್ಯಾತ್.

मनांतलो पावस

प्रकाश द. नायक

मनांतल्या पावसांत,
भिजून गेला
गडद तुजो कोर
झडयत पांखां
थुयथुय नाचता
इंद्रधोणूचो मोर

शेरवडाक चडला रंग
धवे फुल्ल मातयेंत
हातायेदो दडला हातो
केगदीच्या जुव्यांत
चरव्यांत रावला लिपून
नवो भांगरा पोटेर
दुदा दीख उरला दसून
पाडकाच्या ओठार

अथांग तुजें मळब पावलां
तळ्याच्या तळांत
मोनी सांज गाभाक येता
काजुल्यांच्या जाळांत
वाट पळयत दारांत उबी
आमृरपिकी आमोर
जळीमळी आंगणी फुटला
नक्षत्रांचो चंवर

शिरंतरां घालता फुगडी
आकुड्टा वावशी
वावझडीची मजा घेत
सुकणीं ओलीं पावशी
कालचे मेथयेचो दाग
अजून हाताच्या तळव्यार
झाड तुजें जातां ओलें
वथांबे थेंबेंतां काळजार

शारदा इंगलीश हैसकूलांत शिक्षक जावन वावर कर्चो हो कवी, लेकक आनी वावराडी. तीन कविताजमे; **'चैतर', 'कसतूर गंध', 'कुटळ', 'असतुरीः शिमेभायलें मळब'** पर्गटल्यात. दूरदर्शन, आकाशवाणी अशें सभ्र कविसम्मेळनांनी कविता सादर केल्यात.

ಬಾಪುಯ್

ರಮೆಶ್ ಸಾಜು ಗಡಿ, ಗೊಂಯ್

ಕವಿತಾ, ಕಾಣಿಯೊ, ಲೇಖನಾಂ ಬರಯ್ತಾ. **ಜಿಂಬ್, ಜಾಗ್, ಗುಲಾಬ್, ಸುನಾಪರಾಂತ್ ತಶೆಂಚ್** ಭಾಂಗಾರ್ ಭುಂಯ್ ನೇಮಾಳ್ಯಾಂನಿ ಹಾಚಿಂ ಬರ್ಪಾಂ ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಕವಿಗೋಶ್ಟಿಂನಿ ಕವಿತಾ ಸಾದರ್ ಕೆಲ್ಯಾಂತ್. ಪಯ್ಣಾರಿ-ವೀಜ್ ಹಾಣಿಂ ಮಾಂಡುನ್ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ದೆ|ವಿಲ್ಬಿ ರೆಜಿಂಬಸ್ ಸ್ಮಾರಕ್ ರಾಷ್ಟ್ರೀಯ್ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಂತ್ ಇನಾಮ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಹಾಚ್ಯಾ ಕವಿತೆಂಚೊ ಜಮೊ 'ಆವಯ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಜಾಣ್ತಿ' ಸದ್ದ್ಯಾಕ್ ಪರ್ಗಟ್ಣೆಂತ್ ಆಸಾ.

ಆಬ್ರಿಲಾಚ್ಯಾ ಮ್ಹಯ್ನ್ಯಾಂತ್ ಜೆನ್ನಾಂ
ಮಳ್ಬಾರ್ ಲಾಗ್ತಾ ಗಡ್ಗಡೂಂಕ್
ವಸ್ರೆರ್ ಬಸೂನ್ ಬಾಪೂಯ್ ಮ್ಹಜೊ
ಪರತ್ ಲಾಗ್ತಾ ಬಡ್ಬಡೂಂಕ್..

ನಾಲ್ಲ್ ಸುಕ್ಯಾ ಭಾಟಾಂತ್ ಸಾಂಗ್
ಕೆದ್ನಾ ವಚೂನ್ ಪಾಡ್ಟಲೊ..
ಖಳಾಂತ್ ಫಾಲೂಂಕ್ ದಿಖಾಳ್ಯಾಚಿ
ತೊರಾಂ ಕೆದ್ನಾ ಹಾಡ್ಟಲೊ..

बापुय

रमेश साजू गडी

कविता, काणियो, लेखनां बरयता. **भिंब, जाग, गुलाब, सुनापरांत तशेंच** भांगार भुंय नेमाळ्यांनी हाचीं बर्पां पर्गटल्यांत. कविगोश्टिंनी कविता सादर केल्यांत. पयणारी–वीज हाणीं मांडून हाडल्ल्या देविलफी रेबिंबस स्मारक राश्ट्रीय साहितीक स्पर्ध्यांत इनाम जोडल्ल्या हाच्या कवितेंचो जमो 'आवय जाल्या जाणती' सद्याक पर्गटणेंत आसा.

आब्रिलाच्या म्हयन्यांत जेन्नां
मळबार लागता गडगडूक
वसरेर बसून बापूय म्हजो
परत लागता बडबडूंक..

नाल्ल सुकल्या भाटांत सांग
केदना वचून पाडटलो..
खळांत घालूंक दिखाळ्याची
तोरां केदना हाडटलो..

ತಾಂಟ್ ಬಿಮ್ಬಲೊಂ ಭಲ್ಲಾ ಶೆತಾಂತ್
ಕೆದ್ನಾ ನೀತಳ್ ಕರ್ತಲೊ ...
ಗಾಯ್ರ್ ಉಸ್ಸೂನ್ ಗೊಬ್ರಿ ವ್ಹರೂನ್
ಶೆತಾಂತ್ ಕೆದ್ನಾ ಮಾರ್ತಲೊ...

ಕುಜ್ನಾಚ್ಯಾ ಪಾರೆತಿಕ್
ಯೆರೊ ಮೊಟ್ಯೊ ಪಡ್ನ್ಯಾತ್
ಜಳ್ವಾಚ್ಯಾ ಖೊಪೀಚೆ
ವಾಂಶೆಯ್ ದೊನ್ ಮೊಡ್ನ್ಯಾತ್..

ದರ್ಯಾರ್ಂತ್ ಲಾಗ್ಲಾ ಗಡ್ಗಡೂಕ್
ಕಿತ್ಲೆ ದಿಸ್ ರಾವ್ತಲೊ
ಮಾಯಾಕ್ ಪಾವ್ಸ್ ಝುಡ್ಲೊ ಜಾಲ್ಯಾರ್
ಖಂಯ್ ರೆ ಪುತಾ ಧಾವ್ತಲೊ?

ಮುಂಸಾರಾತ್ ಲಾಗ್ಲಾ ಝುಡೂಂಕ್
ಕೆದ್ನಾ ತೊರಾಂ ಕಾಡ್ವಲೊ
ಚಾರ್ ದಿಸ್ ಆವ್ವೆರ್
ಭಯ್ಣೀಂಕ್ ಕೆದ್ನಾ ಹಾಡ್ವಲೊ...

ವರ್ಸಾ ಜಾಲಿಂ ಗೆಲ್ಯಾರ್ ತಾಕಾ
ಆಜೂನ್ ಬಾಪೂಯ್ ಜಾಗಯ್ತಾ
ಪಾವ್ಸಾ ಪಯ್ಲೆ ತಯಾರೆಂತ್
ಆಜೂನ್ ಮ್ಹಾಕಾಂ ನಾಚಯ್ತಾ..ರೆ
ಆಜೂನ್ ಮ್ಹಾಕಾಂ ನಾಚಯ್ತಾ..

2
ಪರತ್ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಆಯ್ಲೊ ..
ತ್ಯಾ ಭುರ್ಗೆಪಣೀಚೊ

ಘಾಂತೊಡೀಚೆರ್ ಶೆತಾಂತ್ ಹಾವೆಂ
ಧುಕೆಂ ಪಳಯ್ಲೆ...
ವಲೀಂಚಿಪ್ಪ್ ಪಾಖಾಂ ಝೂಡ್ಪಿ
ಬಕೆಂ ಪಳಯ್ಲೆ.

ಆನಿ ಪರತ್ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಆಯ್ಲೊ
ತ್ಯಾ ಸಾಳ್ಕಾಂ ತಳ್ಯಾಚೊ
ಖಳ್ಯಾ ಪುಡ್ನ್ಯಾ ಪೊಸಾರ್ಂತ್ಲ್ಯಾ
ಮೊಗ್ರೆಂ ಕಳ್ಯಾಂಚೊ.

ಗೊತ್ಯಾಂತ್ಲ್ಯೊ ಖಾಪ್ಣಿ ಆನಿ
ಜಳ್ವಾ ಕುಡಾಚೊ
ಕಾಂದ್ಯಾ ಮಾಳೊ, ಮಿತಾ ಕಣ್ಗಿಂ,
ಕೊಮ್ಯಾ ಘುಡಾಚೊ.

ಜಳ್ವಾ ಕುಡಿ ಘಾಟ್ಲ್ಯಾ ಮೊತ್ಯಾ
ತಾಮ್ಯಾಂ ಭಾಣಾಚೊ
ಕೆಳಿ ಮುಳಾಂತ್ ತಿಣ್ಸಾಂಜ್ಯಾ
ಉದಕ್ ನ್ಹಾಣಾಚೊ.

ಚಾನೆ ಮ್ಹಶಿ ಥವ್ನ ಗಾಯೆಂ
ತಣಾ ಕುಡ್ಯಾಚೊ
ಕುಂಡ್ಲಿ, ದಾತಿಂ,ಮುಸ್ಳಾಂ,ವಾಯ್ನಾಂ
ಭಾತಾ ಮುಡ್ಯಾಚೊ.

ಭೆನುಲ್ಲೆಚ್ಯಾ ಝೊಪಾ ವಯ್ಲ್ಯಾ
ಹುಂಬ್ಲ್ಯಾ ಚೊಂಬ್ಯಾಂಚೊ
ಮಧ್ಯಾನಿಚೆರ್ ಸಾದ್ ಘಾಲ್ಪಿ
ಶೆಂಕ್ರ್ಯಾ ಕೊಂಬ್ಯಾಂಚೊ.

ವಯೆಂ ಘಾಟ್ಲ್ಯಾ ಖೊಲ್ ನಿಳ್ಯಾ
ಚಿರೆ ಖಣೀಚೊ
ಪರತ್ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಆಯ್ಲೊ ತ್ಯಾ
ಭುರ್ಗೆಪಣೀಚೊ...
ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಭುರ್ಗೆಪಣೀಚೊ.

ांट बिम्बलों भल्ला शेतांत
केदना नीतळ करतलो ...
ायर उसपून गोबरी व्हरून
शेतांत केदना मारतलो...

कुजनाच्या पारेतिक
येरो मोव्यो पडल्यात
जळवाच्या खोपीचे
वांशेय दोन मोडल्यात..

दर्यांत लागला गडगडूक
कितले दिस रावतलो
मायाक पावस झडलो जाल्यार
खंय रे पुता धावतलो?

मुंसारात लागला झडूंक
केदना तोरां काडटलो
चार दिस आवयगेर
भयणींक केदना हाडटलो...

वरसा जालीं गेल्यार ताका
आजून बापूय जागयता
पावसा पयले तयारेंत
आजून म्हाकां नाचयता..रे
आजून म्हाकां नाचयता..

२
परत उगडास आयलो ..
त्या भुरगेपणीचो

फांतोडीचेर शेतांत हावें
धुकें पळयले...
वलींचिप्प पाखां झाडपी
बकें पळयले.

आनी परत उगडास आयलो
त्या साळकां तळ्याचो
खळ्या फुडल्या पोरसांतल्या
मोगरें कळ्यांचो.

गोव्यांतल्यो खावणी आनी
जळवा कुडाचो
कांदया माळो ,मिठा कणगीं ,
कोमया घुडाचो.

जळवा कुडी फाटल्या मोथ्या
ताम्यां भाणाचो
केळी मुळांत तिणसांजच्या
उदक न्हाणाचो.

चाने म्हशी ढवळु गायें
तणा कुड्याचो
कुंडली, दातीं,मुसळां,वायनां
भाता मुड्याचो.

भेनुल्लेच्या झोपा वयल्या
हुंबल्या चोंब्यांचो
मध्यानिचेर साद घालपी
शेंकऱ्या कोंब्यांचो.

वयें फाटल्या खोल निळ्या
चिरे खणीचो
परत उगडास आयलो त्या
भुरगेपणीचो...
म्हज्या भुरगेपणीचो.

ರಾವ್‌ಲ್ಲೆಂ ಘಡಿಯಾಳ್

ರೊಹನ್ ಅಡ್ಕಬಾರೆ, ಮಂಗ್ಳುರ್

ರಾವ್‌ಲ್ಲೆಂ ಘಡಿಯಾಳ್
ದಿಸಾಕ್ ದೊನ್ ಪಾವ್ಟಿಂ
ಸಾರ್ಕೊ ವೆಳ್ ದಾಕಯ್ತಾ ಖಂಯ್!

ಹೆತ್ ಪಿಶ್ಯಾ,
ಅಸ್ಲಿ ಆಲೊಚನ್ ಕಿತ್ಯಾ?
ರಾವ್ಲ್ಯಾರ್ ತುಕಾ ದೊನ್ ಪಾವ್ಟಿಂ
ಯೆವ್ನ್ ಪಳೆತಾ ಕೊಣ್?

ಸೆಕುಂದಾಂಕ್ ಸೆಕುಂದಾಂ
ಮಿನುಟಾಂಕ್ ಮಿನುಟಾಂ
ಘಡ್ಯಿಲ್ಯಾರ್ ಮಾತ್ರ್
ವಾಜತ್ಲ್ಯೊ ಘಾಂಟಿ.

ತುಕಾ ಹುಂಗ್ಜೆಂ ಧಾಂವ್ತಾನಾ
ಮಾತ್ರ್, ಘಾಂಟ್
ವಾಜ್ತಾನಾ ತುಜೆರ್ ನದರ್.

ಮಧೆಂ ಕೊಣೆಂಯ್
ಯಾದ್ ಕೆಲಿ ತರ್
ಪುಗಾನಾಕಾ...
ಹರ್ಯೆಕಾಂತಿ ಸ್ವಾರ್ಥ್ ಹಾಂಗಾ...

ಪಾತ್ಯೆನಾಂಯ್ ತರ್
ಥೊಡೊ ವೆಳ್ ರಾವ್.
ಪಳೆ ಸಂಸಾರಾಕ್
ಬಾರ್ಕಾಯೆನ್ ಎಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ
ರಾವ್‌ಲ್ಲೆಂ ಘಡಿಯಾಳ್ ಜಾವ್ನ್!!

ಬಿ.ಎ. ಶಿಕಪ್ ಜೊಡ್ಲಿ,
ನಟನ್ ತಶೆಂಚ್ ಕವಿತಾ
ಬರಯ್ತಾ. ಕವಿತಾ ಸಾದರ್
ಕರ್ಚ್ಯಾ ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಂತ್ ಅಖಿಲ್
ಭಾರತೀಯ್ ಮಟ್ಟಾರ್
ಇನಾಮ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಹಾಣೆಂ
ಸಭಾರ್ ಕವಿಗೋಷ್ಟಿಂತ್
ವಾಂಟೊ ಘೆತ್ಲಾ.

रावल्लें घडियाळ

रोहन अडकबारे

रावल्लें घडियाळ
दिसाक दोन पावटीं
सार्को वेळ दाकयता खंय!

हेत्त पिश्या,
असली आलोचन कित्या?
रावल्यार तुका दोन पावटीं
येवन पळेता कोण?

सेकुंदांक सेकुंदां
मिनुटांक मिनुटां
घडशिल्यार मात्र
वाजतल्यो घांटी.

तुका हुंगचें धांवताना
मात्र, घांट
वाजताना तुजेर नदर.

मधें कोणेंय
याद केली तर
फुगानाका...
ह्न्येकांती स्वार्थ हांगा...

पात्येनांय तर
थोडो वेळ राव.
पळे संसाराक
बार्कायेन एक पावटीं
रावल्लें घडियाळ जावन!!

बी.ए. शिकप जोडपी, नटन तशेंच कविता बरयता. कविता सादर कर्च्या स्पर्ध्यांत अखील भारतीय मट्टार इनाम जोडल्ल्या हाणें सभार कविगोश्टिंत वांटो घेतला.

ಕಾಳೀಜ್ ಉಡ್ಟಾ ಮನ್ ರಡ್ಟಾ

ರುಪಾಲಿ ಮಾವ್ಳೊ ಕೀರ್ತನಿ, ಗೊಂಯ್

ಘರ್ ಸೊಡೂನ್ ವತಾ ತೆನ್ನಾ ತಾಜೆಯ್ ಮನ್ ರಡ್ಟಾ
ನೊಕ್ರಿ ಕಾಮಾ ಖಾತೀರ್ ಪಯ್ಸ್ ತಾಕಾಯ್ ರಾವ್ಚೆ ಪಡ್ಟಾ

ಘರ್ಚೆ ಯಾದೀನ್ ತಾಜೆಯ್ ಮನಾಂತ್ ಹುಂಡ್ಯಾ ಲ್ಹಾರ್ ಫುಟ್ಟಾ
ರೊಕ್ಡೊಚ್ ವತ್ಲೊ ಘರಾ ಮ್ಹಣೀತ್ ಸಮ್ಜೂತ್ ತೊ ಕಾಡ್ಟಾ

ಒಗೀಚ್ ನಸ್ತೊ ಖರ್ಚ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಜೊಡ್ ಸಾತಯ್ತ್ ಉರ್ತಾ
ಕರ್ಚಿ ಪಾಡಿಲ್ಲಿ ತಡ್ಜೊಡ್ ಮಾತ್ ಲಿಪಯ್ತ್ ತೊ ರಾವ್ತಾ

ಘರ್ಚೆ ಸಗ್ಳೆ ಸಣ್ವಾರ್ ತಾಕಾಯ್ ಖೂಪ್ ಚುಕ್ತಾ
ಮನ್ ಉಕ್ತಾಂವಂಕ್ ಮಾತ್ ತೊ ಸದಾಂಚ್ ಫಾಟಿ ಸರ್ತಾ

ಖುಶಾಲ್ ಆಸಾ ಹಾಂವ್ ಹಾಂಗಾ ಹಾಸೂನ್ ಘರ್ಚ್ಯಾಂಕ್ ಸಾಂಗ್ತಾ
ಸದಾಂಚ್ ತಾಂಕಾ ಹಾಂಸ್ತೆ ದವ್ರ್ ದೆವಾ ಕಡೆನ್ ಮಾಗ್ತಾ

ಕೆನ್ನಾ ಕೆನ್ನಾಯ್ ಕಾಳ್ಜಾಕ್ ತಾಜ್ಯಾಯ್ ಯಾದಿ ಪೀಳ್ ಪಡ್ಟಾ
ತೆನ್ನಾ ಮಾತ್ ಹಳೂಚ್ ತೊಂಡ್ ಉಶ್ಯಾತ್ ಲಿಪೊವ್ನ್ ಸೊಡ್ಟಾ

'ದಾದ್ಲೊ ಮನೀಸ್ ತುಂ ಬಾಬಾ ರಡಪ್ ತುಕಾ ಸೊಬ್ನಾ'
ಉತ್ರಾಂ ಘುಮ್ತಾತ್ ಕಾನಾಂತ್ ಪುಣ್ ಮನ್ ತೆನ್ನಾ ಆಯ್ಕನಾ

'ಜಡ್ ಮನಾಚೆಂ ವಜೆಂ ಆಜ್ ಜಾಯ್ನಾ ಗೆ ಪೆಲೂಂಕ್
ದುಕಾಂ ಲಗೀತ್ ತಯಾರ್ ನಾತ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಕಾಂಯ್ಚ್ ಆಯ್ಕುಂಕ್'

ಹುಡ್ಯಾ ಲ್ಹಾರ್ ತೆನ್ನಾ ಲ್ಹವೂಚ್ ಉಶೆಂ ಭಿಜೊವ್ನ್ ವತಾ
ರಾವ್ ನಜ್ ಜಾವ್ನ್ ಮನ್ ಸಾದ್ ಘಾಲೂಂಕ್ ಲಾಗ್ತಾ
'ಆಇ ಎ ಆಇ ತುಜಿ ಯಾದ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಯೆತಾ
ಯಾದೀನ್ ತುಜ್ಯಾ ಮನ್ ಮ್ಹಜೆ ಸದಾಂಚ್ ಜಡ್ ಜಾತಾ
ಮನ್ ಸದಾಂಚ್ ಜಡ್ ಜಾತಾ'

ಕೊಂಕಣಿ, ಮರಾಠಿ ತಶೆಂಚ್ ಇಂಗ್ಲಿಶ್ ಅನಿ ಹಿಂದಿಂತ್ ಕವಿತಾ, ಲೇಕನಾಂ, ಕಾಣಿಯೊ ಬರಯ್ತಾ. ಚ್ಯಾರ್ ಕವಿತಾ ಜಮೆ; 'ಮ್ಹಜ್ಯಾಂತಲೆಂ ಹಾಂವ್', 'ಮಳ್ಬಾಥಾವ್ನ್', 'ವಿಂಗ್ಸ್', 'ಮೈ ಮಿರರ್' ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾತ್. ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಷಾ ಮಂಡಳ್ (ಗೊಂಯ್) ಪುರಸ್ಕಾರ್ ಆನಿ ಟಿ.ಎಮ್.ಎ.ಪೈ. ಪುರಸ್ಕಾರ್ ಹಿಕಾ ಲಾಭ್ಲ್ಲೆ ಪ್ರಮುಕ್ ಪುರಸ್ಕಾರ್.

काळीज उडटा मन रडटा

रुपाली मावजो कीर्तनी

घर सोडून वता तेन्ना ताजेय मन रडटा
नोकरी कामा खातीर पयस ताकाय रावचे पडटा

घरचे यादीन ताजेय मनांत हुंडक्या ल्हार फुटटा
रोकडोच वतलो घरा म्हणीत समजूत तो काडटा

ओगीच नस्तो खर्च कित्याक जोड साठयत उरता
करची पाडिल्ली तडजोड मात लिपयत तो रावता

घरचे सगळे सणवार ताकाय खूप चुकता
मन उक्तांवंक मात तो सदांच फाटी सरता

खुशाल आसा हांव हांगा हासून घरच्यांक सांगता
सदांच तांका हांसते दवर देवा कडेन मागता

केन्ना केन्नाय काळजाक ताज्याय यादी पीळ पडटा
तेन्ना मात हळूच तोंड उश्यात लिपोवन सोडटा

'दादलो मनीस तूं बाबा रडप तुका सोबना'
उतरां घुमतात कानांत पुण मन तेन्ना आयकना

'जड मनाचें वजें आज जायना गे पेलूंक
दुकां लगीत तयार नात म्हजें कांयच आयकुंक'

हुडक्या ल्हार तेन्ना ल्हवूच उशें भिजोवन वता
राव नज जावन मन साद घालूंक लागता
'आई ए आई तुजी याद म्हाका येता
यादीन तुज्या मन म्हजे सदांच जड जाता
मन सदांच जड जाता'

कोंकणी, मराठी तशेंच इंगलीश अनी हिंदिंत कविता, लेकनां, काणियो बरयता. च्यार कविताजमे; **'म्हज्यांतलें हांव', 'मळबाथावन', 'विंगस', 'मै मिरर'** पर्गटल्यात. कोंकणी भाषा मंडळ (गोंय) पुरसकार आनी टी.एम.ए.पै. पुरसकार हिका लाभल्ले प्रमूक पुरसकार.

ಪಾವ್ಳಿ

ಸಂದೇಶ್ ಬಾಂದೇಕರ್, ಕಾರವಾರ್

ತುಗೆಲ್ ಅಂಗಾಣಾತ್ ಪಡ್ತಾಲಿ ಮ್ಹಗೆಲ್ ಘರಾ ಪಾವ್ಳಿ
ಆತಾಂ ಥಂಯೀತ್ ಪಡ್ತಾ ತ್ಯಾ ಪರ್ಜತಾ ಸಾವ್ಳಿ
ಆಮಿ ದೊಗಾಂ ಬಸ್ತಾಲಿಂ ಸಕ್ ಸಕಾಳಿ
ಘೆವ್ನೂಕ್ ಸೂರ್ಯಾಲಿ ಕಿಣಾರ್ಂ ಕವ್ಳಿ ಕವ್ಳಿ
ಲ್ಹಾನ್ಪಣಾಂತ್ ಆಮಿ ಥಂಯೀತ್ ಖೆಳ್ಳಿಂ
ಎಕ್ಮೆಕಾಚ್ಯಾ ಸೂಖ್ ದುಃಖಾಂತ್ ಮೆಳ್ಳಿಂ
ಕಿತ್ಲಿಂ ವಸಾರ್ಂ ತರಿ ಆಮಿ
ಥಂಯೀತ್ ಪ್ರೆಮ್ ಸ್ವಪ್ನಾಂ ಪಳಯ್ಲಿಂ
ಪೂಣ್ ತುಗೆಲ್ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ಜಾಯ್ ಆಶೀಲಿಂ
ಮೊಟಿ=ಮೊಟಿ ನೊಟಾಂ ಕವ್ಳಿ
ಕಿತ್ಲೆ ವಸಾರ್ಂ ನಂತರ್ ಆಮಿ ಕಾಳ್
ಪರತ್ ಎಕ್ ಪಟಿ ಮೆಳ್ಳಿಂ
ತುಂ ತುಗೆಲ್ಯಾ ಧಾವ್ ಬರಾ
ದೊನಿ ಹಾತಾಂತ್ ಘೆವ್ನ್ ಜುವ್ಳಿ
ಆತಾಂ ತರ್ ಸಗ್ಳೆತ್ ಸರ್ಲೆತ್
ಆತಾಂ ಫಕತ್ ವ್ಹಾವ್ಯಾತಾತ್
ಮ್ಹಗೆಲೆ ದೊಳ್ಯಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಪಾವ್ಳಿ

ಕವಿ, ತರ್ಜಣ್‌ಕಾರ್,
ತಶೆಂಚ್ ನಾಟಕ್, ಲೇಕನಾಂ
ಬರಂವ್ಚ್ಯಾ ಹಾಣೆಂ
ಅಖಿಲ್ ಭಾರತೀಯ್
ಕೊಂಕಣಿ ಪರಿಶದ್
ತಶೆಂಚ್ ಹೆರ್ ಸಭಾರ್
ಕವಿ ಸಮ್ಮೇಳನಾಂನಿ
ಕವಿತಾ ಸಾದರ್
ಕೆಲ್ಯಾತ್.

पावळी

संदेश बांदेकर

तुगेल अंगाणात पडताली म्हगेल घरा पावळी
आतां थंयीत पडता त्या परजता सावळी
आमी दोगां बसतालीं सक सकाळी
घेवूक सूऱ्याली किरणां कवळी कवळी
ल्हानपणांत आमी थंयीत खेळ्ळीं
एकमेकाच्या सूख दुःखांत मेळ्ळीं
कितलीं वर्सां तरी आमी
थंयीत प्रेम स्वपनां पळयलीं
पूण तुगेल बापायक जाय आशीलीं
मोटी=मोटी नोटां कवळी
कितले वर्सां नंतर आमी काळ
परत एक पटी मेळ्ळीं
तूं तुगेल्या धाव बरा
दोनी हातांत घेवन जुवळी
आतां तर सगळेत सरलेत
आतां फकत व्हावयातात
म्हगेले दोळ्यांतल्यान पावळी

कवी, तर्जणकार,
तशेंच नाटक, लेकनां
बरंवच्या हाणें अखील
भारतीय कोंकणी
परिशद तशेंच हेर सभार
कविसम्मेळनांनी
कविता सादर
केल्यात.

ಬಂಡ್

ಸಂಗೀತಾ ನಾಯ್ಕ್, ಗೊಂಯ್

ಡಿಜಿಟಲ್ ಗೋವಾಜಿ
ಎಕ್ಸೆಕ್ಯುಟಿವ್ ಸಂಪಾದಕ್
ಜಾವ್ನ್ ವಾವ್ರ್ ಕರ್ಜ್ಯಾ
ಹಿಜೆಂ ಬರ್ಪಾಂ
ಗೊಂಯ್ಚ್ಯಾ ನೇಮಾಳ್ಯಾಂನಿ
ಪರ್ಗಟ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಕವಿತಾ,
ಲೇಕನಾಂ, ಬರಂವ್ಚ್ಯಾ
ಹಿಣೆಂ ಪತ್ರಿಕೋದ್ಯಮಾಂತ್
ಸಯ್ತ್ ವಾವ್ರ್ ಕೆಲಾ.

ಚೆಡುಂ ತುಂ ....
ಹೆಂಚ್ ಕರು ನಾಕಾ,
ತೆಂಚ್ ಕರು ನಾಕಾ
ಅಶೆಂ ಘಾಟಿಂ ವಡೂನ್
ತು ಕರ್ತಲಿ ಮ್ಹಾಕಾ
ತುಜೆಚ್‌ಭಾಶೆನ್..
ಚೆಪ್ಣಾಕ್ ಘಾಲ್ಲಿ ಅಬ್ಲಾ.
'ಬಾಯ್ ಸರ್ ತು ಫುಡೆಂ' ಮ್ಹಣ್,
ಧಾರಿಷಟಯಾಚೆಂ ಬಳ್ಗೆಂ ದಿ
ಕರ್ಗೆ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಬ್ಲಾ

ನಾಜೂಕ್ ಕಳಿ,
ಫುಲಾಚಿ ಪಾಕ್ಳಿ,
ಸೊಶೀಕ್ ಪಾಯಾತಲೆಂ ಜೊತೆಂ,
ಅಶೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ವಾಢಯ್ಲಿೀತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್,
ಉಚೆರ್ಂನಾ ಹಾಂವ್ ಜೀತೆಂ.

बंड

संगीता नाईक

चेडूं तूं ....
हेंच करू नाका,
तेंच करू नाका
अशें फाटीं वडून
तू कर्तली म्हाका
तुजेचभाशेन..
चेपणाक घाल्नी अबला.
'बाय सर तू फुडें' म्हण,
धारिषटयाचें बळगें दी
कर्गे म्हाका सबला

नाजूक कळी,
फुलाची पाकळी,
सोशीक पायातलें जोतें,
अशें म्हाका वाढयशीत जाल्यार,
उर्चेना हांव जीतें.

डिजिटल गोवाची
एक्सेक्युटीव संपादक
जावन वावर कर्च्या
हिचीं बर्पां गोंयच्या
नेमाळ्यांनी पर्गटल्यांत.
कविता, लेकनां,
बरंवच्या हिणें
पत्रिकोध्यमांत सयत
वावर केला.

ಪಾಟ್ಲಿ, ಕಾಂಕ್ಣಾಂ,ಬಾಜೂಬಂದ್
ಪೆಟು ನಾಕಾ ಭಾಂಗಾಂರ್.
ತ್ಯಾಬ್ದಲಾ ಶಿಕಯ್ ಗೆ ಮ್ಹಾಕಾ
ಜಗಾಕ್ ಫೆವಂಕ್ ಶಿಂಗಾರ್.

ಮೊಟಾರ್ ಚಲೊವಂಕ್ ಶಿಕಯ್ತಾನಾ
ಶಿಕಯ್ ಪಂಕ್ಚರೂಯ್ ಕಾಡೂಂಕ್.
ಆನೀಕ್ ಶಿಕಯ್
ವಾಟೆಕ್ ಯೆತ್ಲ್ಯಾಂಚೆ
ಹಾತ್ ದೊಕೆಯ್ ಮೊಡುಂಕ್.

ಲಜ್ -ಭೀಡ್, ಕವ್ಚೆಂಶೀಲ್,
ಕುಟುಂಬಾಚೆ ಶಾನ್.
ಥೊತಾಂಡಾ ಸಗ್ಲಿಂ
ಸಾಂಗ್ಚೆ ಆದಿಂ
ಶಿಕಯ್ ಆತ್ಮಸ್ಮಾನ್.
ಬುದ್ದ್ ಗಂಜೊವ್ಪಿ ರೀತಿ ಭಾತಿ
ಮಾತೂಯ್ ಶಿಕೊವ್ ನಾಕಾ.
ಜಮ್ತಾ ತಶಿ ದಿಗೆ ಮ್ಹಾಕಾ
ಶಿಕ್ಷಣಾಚಿಂ ಪಾಖಾಂ.

ತನಾ -ಮನಾಚೆರ್ ಮ್ಹಜ್ಯಾ
ಪಳೊವ್ಪಾಚೆಂ ನಾಸತ್ ಹಜಾರಾಂನಿ ವಳ್,
ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಘಟ್ಮೊಟ್ ಘಡಯ್ ಮ್ಹಾಕಾ
ಮನ್ಗಟಾಂಕ್ ದಿವ್ನ್ ಬಳ್.

ಸರ್ಭವತಣಿ ಜಳಿಂ ಮಳಿಂ
ಮಾತ್ಸ್ಯಾ ಗುಂಡಾಂಚೆ ಝುಂಡ್
ಆಇ ಮ್ಹಾಕಾ ಹೆರ್ ಕಾಂಯ್
ಶಿಕಯ್ ವಾ ಶಿಕಯ್ ನಾಕಾ
ಕರೂಂಕ್ ಶಿಕಯ್ ಬಂಡ್
ಕರೂಂಕ್ ಶಿಕಯ್ ಬಂಡ್!

ली, कांकणां,बाजूबंद
नाका भांगांर.
ब्दला शिकय गे म्हाका
ाक घेवंक शिंगार.

टार चलोवंक शिकयताना
कय पंकचरूय काडूंक.
नीक शिकय
टेक येतल्यांचे
त दोकेय मोडुंक.

ज –भीड, कवचेंशील,
टुंबाची शान.
तांडा सगलीं
ांगचे आदीं
ाकय आत्मस्न्मान.
द्द गंजोवपी रीती भाती
तूय शिकोव नाका.
मता तशी दिगे म्हाका
ाक्षणाचीं पाखां.

ना –मनाचेर म्हज्या
ळोवपाचें नासत हजारांनी वळ,
ाल्यार घटमूट घडय म्हाका
नगटांक दिवन बळ.

र्भवतणी जळीं मळीं
ातल्या गुंडांचे झुंड
भाई म्हाका हेर कांय
शिकय वा शिकय नाका
करूंक शिकय बंड
करूंक शिकय बंड!

ಅತಿವಾಸ್ತವ್ ದೈವಗತಿ

ಶೈಲೆಂದ್ರ್ ಮೆಹ್ತಾ, ಮುಂಬಯ್

ಕೊಂಕಣಿ, ಮರಾಠಿ
ಭಾಶೆಂತ್ ಕವಿ, ಸಮೀಕ್ಷಕ್,
ಅಂಕಣ್‌ಕಾರ್, ಲೇಕಕ್.
'ಸಿಸಿಫಸ್ ತೆಂಗ್‌ಶೆರ್'
ಹಾಚ್ಯಾ ಕೊಂಕಣಿ
ಕವಿತೆಂಚೊ ಜಮೊ
ಪರ್ಗಟ್ಲಾ.
ಕವಿಗೋಷ್ಟಿಂನಿ ಕವಿತಾ
ಸಾದರ್ ಕೆಲ್ಯಾತ್.

ವಂಟಿ ನಿರ್ಮಾಣ್ ಜಾಂವ್ಚೆಂಆದಿಂ
ಮಳಬ್ ಮೆಕ್ಳೆಂ
ಕುಪಾಂ ವಿರಯ್ತ್
ಇಂದ್ರಧೊಣುಚೆ ಕುಡೀಸುವಾಳೆ
ಸಜಯ್ತ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಆಂಗ್ಣಾತ್
ಆಪೊವ್ನೆ ಧಾಡೀತ್
ವಸಂತರಾನಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಶೆವ್ಣಾಂಕ್
ಪಾಶಾಣ್ ಯುಗಾಸಾವನ್
ವಂಟಿ ಉಬ್ಯೊ ಜಾತ್ಕಚ್
ವಾರೆಂ ಆಡಾವ್ಲೆಂ
ಸುರು ಜಾಲೆ
ಆಪಾಪ್ಲ್ಯಾ ಖಿಳ್ಯಾಂತಲೆ
ದಶಾವ್ತಾರಾಂಚೆ ಕಾಲೆ
ಆಯ್ಲೊ ಸಾಂವಾರ್

अतिवास्तव दैवगती

शैलेंद्र मेहता

ंटी निर्माण जांवचेंआदीं
मळब मेकळें
कुपां विरयत
इंद्रधोणूचे कुडीसुवाळे
सजयत आपल्या आंगणात
आपोवणे धाडीत
त्रसनगनांतल्या शेवण्यांक
पशाण युगासावन

वंट्री उब्यो जातकच
वारें आडावलें
सुरु जाले
आपापल्या खळ्यांतले
दशावनारांचे काले
आयलो सांवार

कोंकणी, मराठी भाशेंत
कवी, समीक्षक,
अंकणकार, लेकक.
'सिसिफस तेंगशेर'
हाच्या कोंकणी
कवितेंचो जमो पर्गटला.
कविगोश्टिंनी कविता
सादर केल्यात.

ಘುಸ್ಪಲೆ ಸಮೆಸ್ತ್
ಮಿಥಕ್ ಆನಿ ಫಿಕ್ಶನ್
ಹಾಂಚ್ಯಾ ಉಟಂಗಾರಾಂತ್
ನಾಚಯ್ತ್ ಖೆಳಯ್ತ್
ಧಾಲೊ– ಪುಗ್ಡಯೊ –ಶಿಗ್ಮೊ
ಆನಿ ಉಪ್ರಾಂತ್
ಜೀಣೆಚಿ ಧುಳವ್ಡ್ ಕರೀತ್

ಸ್ಮೃತಿಭ್ರಂಶಾಚ್ಯಾ ದುಯೆಂಸಾನ್
ಘಾಲ್ಯೊ ಆಡ್
ತಣ್ಯೊ ಕುಡಿ
ಲೊಡ್ ಶೆಡೀಂಗ್ ಚ್ಯಾ ನಿಮ್ತಾನ್ ಬಾಂದಿಲ್ಲ್ಯಾ
ಕಾಳ್ಖಾಚ್ಯಾ ಬಲ್ಕಾಂವಾಂಚೆರ್
ಉಗ್ಡಾಸಾಚಿ ಘಸ್ಕಾಂ ಪೆಟವ್ನಿ
ಕುಡ್ಡಯಾ – ಭೆಡ್ಡಯಾ –ಶಕ್ತಿಹೀನ್
ಮ್ವಾತಾರ್ಯಾಕೊತಾರ್ಯಾ
ದಧೀಚಿಂಚಿ ಹಾಡಾಂ
ಮಾರೀತ್ ರಾವ್ಲಿಂ ಕರಂದಾಯೊ
ಪೂಣ್ ಇತಿಹಾಸ್ ವಿಸ್ರೂನ್ ಗೆಲ್ಲ್ಯಾ
ಕುಸಾಂಕಿಡೀಂಕ್ ಉರ್ಲೀನಾ ಆಸ್
ಫುಲ್ಪಾಕುಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮುಕ್ತ್ ಉಡ್ಡಾಣಾಚಿ
ಕಾಳ್ಖ್ಯಾ ಕುಪಾಂಚಿ
ಚಿತ್ರವಿಚಿತ್ರ್ ಪಾಯಂಜೆಲಾಂ
ಬಾಂದೂನ್ ಘಾಲೂನ್
ಚಕ್ಚಕತೆ ಫ್ರೆಮಿಂತ್
ಮಳಬ್ ಆಯ್ಲೆಂ ದಾಟೂನ್
ಸ್ವಯಂಪ್ರಕಾಶಿತ್ ಕಾಜೂಲೆ
ಆನಿ ಸೂರ್ಯ್ ಚಂದ್ರ್ ನಖೆತ್ರಾಂ ಲೆಗೀತ್
ಘುಂವ್ಲೆ – ಲಿಪ್ಲೆ ಸೊದಿತ್
ಕಾಲ್ಶೊ ಕಾಳ್
ಕಾಲ್ಚೆ ದಿಸ್
ಕಾಲ್ಚೆ ಖೀಣ್
ಫ್ರೆಮೀಚ್ಯಾ ಉಜ್ವಾಡಾಂತ್

ुस्पले समेस्त
मिथक आनी फिक्शान
ांच्या उटंगारांत
ाचयत खेळयत
धालो- फुगडयो -शिगमो
आनी उपरांत
जीणेची धुळवड करीत

स्मृतिभ्रंशाच्या दुयेंसान
घाल्यो आड
तरण्यो कुडी
लोड शेडींग च्या निमतान बांदिल्ल्या
काळखाच्या बल्कांवांचेर
उगडासाची फस्कां पेटवपी
कुड्डुया - भेड्डुया -शक्तिहीन
म्हाताऱ्याकोताऱ्या
दधीचिंची हाडां
मारीत रावलीं करंदायो
पूण इतिहास विसरून गेल्ल्या
कुसांकिर्डींक उरलीना आस
फुलपाकुल्याच्या मुक्त उड्डाणाची
काळख्या कुपांची
चित्रविचित्र पायंजेलां
बांदून घालून
चकचकते फ्रेमिंत
मळब आयलें दाटून
स्वयंप्रकाशित काजूले
आनी सूर्य चंद्र नखेत्रां लेगीत
घुंवले - लिपले सोदित
कालचो काळ
कालचे दिस
कालचे खीण
फ्रेमीच्या उजवाडांत

ಚಿತ್ರಾರಾಂತುಲಿ ಚೆಲ್ಲಿ

ಶೀಲಾ ಭಂಡಾರ್‌ಕರ್, ಮಯ್ಸೂರ್

ಸಾಂಜ್ ...
ಕಾಳೊಕ್ ಮಾಂಡ್ಚೆ ಪುಡೆ
ಚಾಂದ್ಣೆ ಪುಲ್ತನಾ..
ಹಾಂವ್ ದೆಂವ್ತಾ
ಚಿತ್ತರಾಂತುಲೆನ್ ಹೆಂ ಭೂಂಯ್ಚೆರಿ.

ಕೆಸ್ ಫಾಪ್ಲೂಣ್ ಘೆತ್ತನಾ
ಆಕಾಶಾಂತುಲೆ ನಕ್ಷತ್ರಾ ರಾಶಿ
ಹಾಂಗಾ ಉಜ್ವಾಡು ಶಿಂಪ್ತಾ

ಮೆಗೆಲೆ ಆಂಗಾಚೆ ಸುಗಂಧ್
ಪರ್ಮಳತನಾ ..
ಹರ್ಘಾರ್ ಚಾಂಪೆ ಪುಲ್ಲಂ
ಎಕ್ಕ್ ವಳೆ ಪುಲ್ತಾತಿಂ.
ದೊಳೆ ಎಡ್ಕೆಂತುಲೆನ್
ಕೆದ್ನಾಚ್ ಕಿ ಸೊಪ್ನಾ ಚೊ
ಎಕು ಕುಡ್ಕೊ ತುಂಟೂನ್ ಪಡ್ತಾ.

ಕೊಂಕಣಿ, ಕಾನಡಿ
ಭಾಶೆಂತ್ ಕವಿತಾ,
ಕಾಣಿಯೊ, ಲೇಕನಾಂ
ಬರಂವ್ಚಿ ಹಿ ತರ್ಜಣ್ ಕರ್ತಾ.
ಆಕಾಶ್‌ವಾಣಿಚೆರ್ ತಶೆಂಚ್
ಕವಿಗೋಷ್ಠಿಂನಿ ಕವಿತಾ
ಸಾದರ್ ಕೆಲ್ಯಾಂತ್.

चित्तारांतुली चेल्ली

शीला भंडारकर

सांज ...
काळोक मांडचे फुडे
चांदणे फुल्तना..
हांव देंवता
चित्तरांतुलेन हें भूंयचेरी.

केस फाप्पूण घेत्तना
आकाशांतुले नक्षत्रा राशी
हांगा उज्वाड्रू शिंप्ता

मेगेले आंगाचे सुगंध
परमळतना ..
हझार चांपे फुल्लं
एक्क वळे फुल्तार्ती.
दोळे एडकेंतुलेन
केदनाच की सोपना चो
एकू कुडको तुंटून पडता.

कोंकणी, कानडी भाशेंत
कविता, काणियो, लेकनां
बरंवची ही तर्जण कर्ता.
आकाशवाणिचेर तशेंच
कविगोश्टिंनी कविता
सादर केल्यांत.

ಮೊಹಕ್ ಥಂಡ್ ವ್ಹಾರೆಂತು
ಖಂಚೊ ಕಿ ರಾಗಾಕ್
ಖಂಚೆ ಕಿ ತಾಳಾಕ್ ಮೆಗೆಲೆ
ಪಾವೂಲ್ . . ರಾತ್ ಸಗ್ಗೆ
ಭೊಂವ್ತಾತಿ.

ಆನಿ ಇತ್ತೆ.. ಉಜ್ವಾಡು ಜಾಲ್ಲೊ... ಮಣ್ತಾನಾ..
ಹಾಂವ್ ಕೆಸ್ ಒಳೊವ್ನ್
ಫಾಂತಿ ವಿಂಡೂನ್ ಘೆತ್ತಾ.
ಚಾಂಪೆ ಫುಲ್ಲಂ ಮೆಗೆಲೆ
ಮಾಕ್ಷಿ ಯೆತ್ತಾತಿಂ
ಆಂಗಾಚೊ ಪರ್ಮಳು
ಭಾಯ್ರ್ ಯೆನಾತಶಿ
ವರಲ್ ಪಾಂಗೂರ್ನ್ ಘೆತ್ತಾ.
ನವೀನ್ ಎಕ್ ಸೊಪ್ನಾ ಕುಡ್ಕೊ
ಯೆವೂನ್ ದೊಳೆ ಎಡ್ಕೆಂತು ಬಸ್ತಾ.
ತಶಿ ಚಮ್ಕತಾ ...ಪರತ್
ಚಿತ್ರಾಂತುಲಿ ಚೆಲ್ಲಿ ಜಾತ್ತಾ.

ತು ಆಯ್ಲೊ. ಕೆದ್ನಾಚೆ ವ್ಹರಿ.
ಚಿತ್ತಾರಾ ವಯಿಲೆ ಧೂಳ್ ಪುಶಿತಾ.
ಎಕ್ ಘಡಿ ಪಳ್ವುನು..
ಮುಖಾರಿ ವತ್ತಾ ಆನ್ಯೆಕ್
ಚಿತ್ತಾರಾ ಲಾಗ್ಗಿ.

ಚಿತ್ತರಾಂತುಲಿ ಚೆಲ್ಲಿಯೆಲೊ
ತೊಂಡಾ ವೈಲೊ ಹಾಸು
ದಿಸ್ನಾವೆ ತುಕ್ಕಾ?

ಆಣಿ.. ಬಾವೂನ್ ನೆಲಾರಿ
ಪಳ್ಳೆಲೆ ತೆಂ ದೊನಿ
ಚಾಂಪೆ ಚೆ ಫುಲ್ಲಂ..?

[* ಚಿತ್ತೂರ್ = ಪಿಂತೂರ್, * ಚೆಲ್ಲಿ = ಚೆಡುಂ]

हक थंड व्हारेंतू
ंचो की रागाक
ंचे की ताळाक मेगेले
वूल . . रात सगळे
ांवताती.

ानी इत्ते.. उज्वाडू जाल्लो... मणतना..
ंव केस ओळोवन
ांती विंडून घेत्ता.
ांपे फुल्लं मेगेले
ाक्षी येत्तातीं
ांगाचो परमळू
ायर येनातशी
रल पांगूर्न घेत्ता.
वीन एक सोपना कुडको
वून दोळे एडकेंतू बसता.
शी चमकता ...परत
चेत्रांतुली चेल्ली जात्ता.

ू आयलो. केदनाचे व्हरी.
चित्तारा वयिले धूळ पुशिता.
एक घडी पळवुनू..
मुखारी वत्ता आन्येक
चित्तारा लाग्गी.

चित्तरांतुली चेल्लियेलो
तोंडा वैलो हासू
दिसनावे तुक्का?

आणी.. बावून नेलारी
पळ्ळेले तें दोनी
चांपे चे फुल्लं..?

[* चित्तूर = पिंतूर, * चेल्ली = चेडूं]

ಜಿವೀತ್

ಸುನೆತ್ರಾ ಜೊಗ್, ಗೊಂಯ್

ಹಾಲಿಂ ಹಾಲಿಂ ಮ್ಹಾಕಾ ಮಾತ್ಶೆಂ ಜಿವೀತ್ ಕಳೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾಂ
ಕೊಣ್ ಕೊಣಾಚೊ ನಾಸ್ತಾ ಹೆಂ ಸತ್ಯ್ ಹೊಲ್ಮೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾಂ
ಘೊವ್, ಬಾಯ್ಲ್, ಧೂವ್, ಪೂತ್ ಸಗ್ಳಿಂ ನಾತಿಂ ಫಟ್
ಸಗ್ಳ್ಯಾಂ ವಾಂಗ್ಡಾ ಆಸೂನ್ ಲೆಗೀತ್ ಎಕ್ಟೆಂ ದಿಸೂಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾಂ..

ಆಪ್ಲೆ ಮ್ಹಣೂನ್ ಜಾಂಚೊ ಕೆಲೊ ಮೊಗ್ ಆಯ್ವುಮೆರೆನ್
ತಾಂಕಾಂ ಲೆಗೀತ್ ಆತಾಂ ಮ್ಹಜೆಂ ವ್ಹೊಜೆಂ ಜಾವಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾಂ
ಧ್ಯಾಸ್ ಎಕ್ ಮನಾಂತ್ ಥೆವ್ನ್ ಜೀವ್ ಜಳಯ್ಲೊ
ಆತಾಂ ದಿಸ್ತಾ ಖಂಯ್ತರಿ ಮ್ಹಜೆಂಚ್ ಚುಕೂಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾಂ..

ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ದೆಖಿಲ್ಲೆಂ ಸೊಬೀತ್ ಸುಂದರ್ ಸಪನ್
ಪೂರಾಯ್ ನಾ ಜಾಯ್ತ್ ಹ್ಯಾ ಭಂಯಾನ್ ಕಾಳೀಜ್ ರಡೂಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾಂ..
ದುಃಖ್ ಮ್ಹಜೆಂ ಉತ್ರಾಂ ಜಾವ್ನ್ ಜೆನ್ನಾ ಯೆವಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾಂ
ಹಾಂವ್ ತಾಕಾ ಎಕ್ ಬರಿ ಕವಿತಾ ಸಮ್ಜೂಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಾಂ....

ಎಮ್.ಎ. ಪದ್ಯುತ್ತಸ್ ಶಿಕಪ್ ಜೊಡ್ಟಿ ಕೊಂಕಣಿ ತಶೆಂಚ್ ಮರಾಠಿಂಕ್ ತರ್ಜಣ್, ಕವಿತಾ, ಲೀಕನಾಂ ಬರಯ್ತಾ. ಗೊಂಯ್ ಕೊಂಕಣಿ ಅಕಾಡೆಮಿಚೊ ಪುರಸ್ಕಾರ್, ಕಲಾ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚೊ ಪುರಸ್ಕಾರ್ ಜೊಡ್ಟಿ.

जिवीत कविता

सुनेत्रा जोग

एम.ए. पद्युत्तस शिकप जोडपी कोंकणी तशेंच मराठिंक तर्जण, कविता, लेकनां बरयता. गोंय कोंकणी अकाडेमिचो पुरसकार, कला संसकृतिचो पुरसकार जोडपी.

हालीं हालीं म्हाका मातशें जिवीत कळूंक लागलां
कोण कोणाचो नासता हें सत्य होल्मूंक लागलां
घोव, बायल, धूव, पूत सगळीं नातीं फट
सगळ्यां वांगडा आसून लेगीत एकटें दिसूंक लागलां..

आपले म्हणून जांचो केलो मोग आयजमेरेन
तांकां लेगीत आतां म्हजें वोजें जावंक लागलां
ध्यास एक मनांत घेवन जीव जळयलो
आतां दिसता खंयतरी म्हजेंच चुकूंक लागलां..

काळजांतल्यान देखिल्लें सोबीत सुंदर सपन
पूराय ना जायत ह्या भंयान काळीज रडूंक लागलां..
दुःख म्हजें उत्रां जावन जेन्ना येवंक लागलां
हांव ताका एक बरी कविता समजूंक लागलां....

ಪ್ರತಿಬಿಂಬ್

ಉದಯ್ ನರಸಿಂಹ್ ಮ್ಹಾಂಬ್ರೊ, ಗೊಂಯ್

ತುಜ್ಯಾ ಮಾಣ್ಕುಲ್ಯಾ ಪಾವ್ಲಾಂನಿ
ಘರಾಕ್ ಥಾಕಾಯ್ ದಿಲಿ
ಘರಾಚಿ ಜಮೀನ್, ತಿಜುಲೆ, ಸೊಪ್ಣಾಂ
ಘರಾಚೊ ಭಾರ್ ಆಸಾ ಖಾಂದಾರ್
ತೆಂ ಖೀಣ್ಭರ್ ವಿಸ್ರೊಂಕ್ ಪಾಪ್ಲಿ

ಘರಾನ್ ಆಪ್ಲಿಂ ದಾರಾಂ, ಜನೆಲಾಂ
ಶೆಕಾನಶೆಕ್ ಉಗ್ತಿ ಕೆಲಿ
ತುಜ್ಯಾ ಖೆಳಾಂತಲಿ ಜನಾವ್ರಾಂ
ಜಿತಿ ಜಿವಿ ಜಾವ್ನ್
ಸಾಲ್ಭರ್ ವಾವ್ರೊಂಕ್ ಲಾಗ್ಲಿ

ಘರಾಚೆ ವಣ್ಟೀಕ್ ಲೆಗೀತ್
ಆಸ್ತಾತ್ ಖಂಯ್ ಕಾನ್
ತುಜ್ಯಾ ಲುಡ್ಬ್ಯಾ ಆವಾಜಾಕಡೆ
ಘರಾಚೆ ಸಗ್ಳೆ ಕಾನ್ ಲಾಗ್ಲೆ
ಬಾಕೀಚೆ ಆವಾಜ್ ಆಯ್ಕುಪಾಕ್
ಘರಾಚೆ ಕಾನ್ ಬಸ್ಲೆ

ಖೂಪ್ ವಸಾರ್ಂ ಘರಾನ್
ರಂಗ್ ಪಳೊವಂಕ್ ನಾಸ್ಲೊ
ತುಂವೆ ವಣ್ಟೀರ್ ಭಿರ್ಕಟಾವನ್
ವಣ್ಟೀಂಕ್ ಜೀವ್ ಹಾಡ್ಲೊ

ಘರ್ ಆತಾಂ ಭುಲ್ಲುಸಲಾಂ
ಘರ್ ಪಳಯ್ ಧಾದೊಸಲಾಂ
ತುಜ್ಯಾ ರೂಪಾನ್ ಘರಾನ್
ಆಪ್ಲೆಂ ಪ್ರತಿಬಿಂಬ್ ಪಳಯ್ಲಾಂ

ಕವಿತಾ, ಪದಾಂ
ಬರಂವ್ಚ್ಯಾ ಹಾಚೆ ದೋನ್
ಕವಿತಾ ಜಮೆ **'ಹಯ್ ಸಾಯ್ಬಾ', 'ಮನ್ಶಾಜ್ಯಾ ಸೊಧಾಂತ್'** ಪರ್ಗಟ್ಯಾತ್.
ಆಶಾವಾದಿ ಪ್ರಕಾಶನಾನ್
ಮುಂಬಯಾಂತ್ ಚಲಯಿಲ್ಲ್ಯಾ
ಕವಿತಾಪಾಠಾಂತ್ ಹಾಚ್ಯಾ
ಕವಿತೆಂಚೆರ್ ಸಮೀಕ್ಷಾ-
ಅಧ್ಯಯನ್ ಜಲ್ಲಾಂ.
ಸಭಾರ್ ಕವಿಗೋಷ್ಟಿಂನಿ
ಭಾಗ್ ಘೆತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಹಾಣೆಂ
ಕವಿಗೋಷ್ಟಿಂಕ್ ಚಲವ್ನ್
ಸಯ್ತ್ ವೆಲಾಂ.

प्रतिबिंब

उदय नरसिंह म्हांबरो – गोंय

ज्या माणकुल्या पावलांनी
राक थाकाय दिली
राची जमीन, तिजुले, सोपणां
राचो भार आसा खांदार
ं खीणभर विसरूंक पावली

रान आपलीं दारां, जनेलां
शेकानशेक उगती केली
ज्या खेळांतली जनावरां
जिती जिवी जावन
सालभर वावरूंक लागली

घराचे वण्टीक लेगीत
आसतात खंय कान
तुज्या लुडब्या आवाजाकडे
घराचे सगळे कान लागले
बाकीचे आवाज आयकुपाक
घराचे कान बसले

खूप वर्सां घरान
रंग पळोवंक नासलो
तुंवे वण्टीर भिरकटावन
वण्टींक जीव हाडलो

घर आतां भुल्लुसलां
घर पळय धादोसलां
तुज्या रूपान घरान
आपलें प्रतिबिंब पळयलां



कविता, पदां बरंवच्या
हाचे दोन कविता जमे
'हय सायभा',
'मनशाच्या सोधांत'
पर्गटल्यात. आशावादी
प्रकाशनान मुंबयांत
चलयिल्ल्या कवितापाठांत
हाच्या कवितेंचेर
समीक्षा–अध्ययन चल्लां.
सभार कविगोश्टिंनी
भाग घेतल्ल्या हाणें
कविगोश्टिंक चलवन
सयत वेलां.

ಮಾಳೊ

ಉರ್ಜಿತಾ ಭೊಬೆ, ಗೊಂಯ್

ನಿತಳ್ ಕರೂಂಕ್ ಘರ್
ಹಾಂವೆಂ ಲಾಯ್ಲಿ ನೀಸಣ್
ಮಾಳ್ಯಾರ್ ಚಡೂನ್ ವಯ್ರ್
ನಿಯಾಳ್ಳಿ ಸಭೊರ್ವತಣ್

ಶಾಳೆಚ್ಯಾ ಸ್ಪರ್ಧೆಚಿ ಥಾಲ್
ವಯ್ರ್ ಬಶೀಲ್ಲಿ
ಘಂಯ್ತ್ರಾವಾಚಿ ವ್ಹಡ್ಲಿ ಝೂಲರ್
ತಾಜೆರ್ ದಶೀಲ್ಲಿ

ಕವಿತಾ, ಕಾಣಿಯೊ,
ಲೇಕನಾಂ ಬರಂವ್ಚ್ಯಾ
ಹಿಚ್ಯಾ ಕವಿತೆಂಚೊ ಜಮೊ
'ಉರ್ಜಾ ಸ್ತ್ರೋತ್' ಪರ್ಗಟ್ಲಾ.
ಪಯ್ಣಾರಿ-ವೀಜ್ ಹಾಣಿಂ
ಮಾಂಡುನ್ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ
ದಿ।ವಿಲ್ಫಿ ರೆಬಿಂಬಸ್ ಸ್ಮಾರಕ್
ಅಖಿಲ್ ಭಾರತೀಯ್
ಮಟ್ವಾಚ್ಯಾ ಸಾಹಿತಿಕ್
ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಂನಿ ಇನಾಮಾಂ
ಆಪ್ಣಾಯ್ಲ್ಯಾಂತ್.

माळो

उर्जिता भोबे

कविता, काणियो, लेकनां बरंवच्या हिच्या कवितेंचो जमो **'उर्जा स्त्रोत'** पर्गटला. पयणारी–वीज हाणीं मांडून हाडल्ल्या देविलफी रेबिंबस स्मारक अखील भारतीय मट्टाच्या साहितीक स्पर्ध्यांनी इनामां आपणायल्यांत.

नितळ करूंक घर
हांवें लायली नीसण
माळ्यार चडून वयर
नियाळ्ळी सरभोवतण

शाळेच्या स्पर्धेची धाल
वयर बशील्ली
घंयरावाची व्हडली झालर
ताजेर दशील्ली

ಎಕ್ ದಪ್ತರ್ ಪೊನ್ನೆ
ಬುರಾಕಾಂಚೆಂ, ಲ್ಹಾನ್ ವ್ಹಡ್
ಇತಿಹಾಸ್, ಭೂಗೊಲ್ ಭರೂನ್
ಲಾಗ್ತಾಲೆಂ ತೆಂ ಜಡ್

ಎಕ್ ಘಡ್ಗಡೊ ಕಾಂಯ್ ಘೂಲೊ
ಎಕ್ ಸಾಪ್ಮಿಡಯೆ ಪಟ್
ಎಕ್ ಸಂಧ್ಯೆಚೊ ಪಡ್ಗೊ
ಎಕ್ ತಾಂಬ್ಯಾಚೆಂ ಚೀಪಟ್

ಮ್ಹಜೆ ಆವ್ದೀಚೊ ಪೆಲೊ
ಎಕ್ ಚೆಪಾಂ ಪಡೀಲ್ಲೊ
ತೀಚಾಕಿ ಸಾಯ್ಕಲಿ
ಸೀಟಾರ್ ಚಡಿಲ್ಲೊ

ಎಕ್ ಆಜ್ಯಾಚೆಂ ವ್ಹಲ್ತೆರ್
ಕಾಪಡ್ ನಾಶೀಲ್ಲೆಂ
ಎಕ್ ಜಾತ್ರೆಂತಲೆಂ ಘೀರ್ಘೀರೆಂ
ತಾಜೆ ಕುಶೀನ್ ಬಶೀಲ್ಲೆಂ

ಮಾಣ್ಣೂಲಿ ಚೂಲ್ ಕುಕೂಲೆ ತೊಪ್
ಕಾಂಯ್ ಆಂಶೆ ಬುಡ್ಕುಲ್ಯಾನಿ
ಚ್ಯಾಚೆಂ ಗಾಳ್ಣೆ ಸಾನೂಲೆಂ
ಖೆಳ್ಪಾಕ್ ರಾನ್ವೆವಾಡಚೆಲ್ಯಾನಿ
ಥಂಯ್ಚ್ಯಾ ದೀಸ್ಲಿ ಎಕ್ ಬಾವ್ಲಿ
ಮೊಡ್ಯಾ ಹಾತಾಂಚಿ
ಪೀಂಗ್ಯಾ ಕೆಸಾಂಚಿ ಫಾಲೂನ್
ಖೊಮ್ಮಿ ಖತಾಂಚಿ

ಕಾಂಯ್ ರೀಕಾಮ್ಯೊ ಕಾಶಿ
ಸೂರ್ಸೂರ್ಯಾರ್ಚ್ಯೊ ಆನಿ ಪಾವ್ಸಾಚ್ಯೊ
ಆನಿ ಕಾಂಯ್ ಯಾದಿ ಬಾನೀಲ್ಯೊ
ಚವ್ತಿಚ್ಯಾ ದೀಸಾಂಚ್ಯೊ
ಆಕಾಶದಿವ್ಯಾ ಪೊನ್ನೊ
ಸಾಂಗಾಡೊ ಮೊಡೀಲ್ಲೊ
ಪೀನ್ಯಾ ಪೊಲೀಂಸಯತ್
ಮಾಕ್ನಾಪೊನಾ ದಡಿಲ್ಲೊ

ಎಕ್ ರೆಡೀಯೊ 'ಫೀಲೀಪ್ಸ್'
ಟ್ರಂಕಾ ಮೂಳಾಕ್ ಪಡೀಲ್ಲೊ
ವಿವಿಧಭಾರತಿ ಖಳಾರ್ ಮಳಾರ್
ಆಯ್ಯೂಂಕ್ ಹಾಡಿಲ್ಲೊ

ಕಿತ್ಲೀಶೀಂಚ್ ಪೊನ್ನಿ ಲಾತಾಂ
ಪೀನ್ಕಿಂ ಕಾಗ್ದಾ ಫೂಲಾಂ
ಫೆಸ್ತಾಚೆ ಧನುಶ್ಯ್ ಬಾಣ್
ಆನಿ ಕಿತ್ಲಿ ಪೀಸ್ತೂಲಾಂ

ಘಂಯ್ರಾವಾನ್ ಧೂಲ್ಲಾನ್ ಭರೀಲ್ಲೊ
ಮಾಳ್ಯಾಚೊ ಕಣಾನ್ ಕಣ್
ಮಾಳ್ಯಾರ್ ಘುಸ್ಪೂನ್ ಪಡೀಲ್ಲೆಂ
ಮ್ಹಜೆಂ ಅಖ್ಖೆಂ ಭುರ್ಗೆಂಪಣ್

ಆದೆಸಭರ್ ಮಾಳ್ಯಾರ್ ಹಾಂವ್
ಪೂಣ್ ನಿತಳ್ ಕಾಂಯ್ಚ್ ಕೆಲೆಂ ನಾ
ಗುಟ್ಲಾವನ್ ದವ್ರೀಲ್ಲೆಂ ಭುರ್ಗೆಂಪಣ್
ಮ್ಹಜ್ಯಾನ್ ಹಾಲೊಂವ್ಕ್ ಜಾಲೆಂ ನಾ
ಗುಟ್ಲಾವನ್ ದವ್ರೀಲ್ಲೆಂ ಭುರ್ಗೆಂಪಣ್
ಮ್ಹಜ್ಯಾನ್ ಹಾಲೊಂವ್ಕ್ ಜಾಲೆಂ ನಾ

एक दप्तर पोन्ने
ुराकांचें, ल्हान व्हड
इतिहास, भूगोल भरून
लागतालें तें जड

एक घङ्गडो कांय घूलो
एक सापशीडये पट
एक संध्येचो पडगो
एक तांब्याचें चीपट

म्हजे आवडीचो पेलो
एक चेपां पडील्लो
तीचाकी सायकली
सीटार चडिल्लो

एक आज्याचें व्हलतेर
कापड नाशील्लें
एक जात्रेंतलें घीरघीरें
ताजे कुशीन बशील्लें

माणकूली चूल कुकूले तोप
कांय आंशे बुडकुल्यानी
च्याचें गाळणे सानूलें
खेळपाक रानचेवाडचेल्यानी
थंयच दीसली एक बावली
मोडक्या हातांची
पींगशा केसांची घालून
खोमशी खतांची

कांय रीकाम्यो काशी
सूरसूर्याच्यो आनी पावसाच्यो
आनी कांय यादी बानील्ल्यो
चवतीच्या दीसांच्यो

आकाशदिव्या पोन्नो
सांगाडो मोडील्लो
पीनक्या फोलींसयत
माक्नापोना दडिल्लो

एक रेडीयो 'फीलीप्स'
ट्रंका मूळाक पडील्लो
विविधभारती खळार मळार
आयकूंक हाडिल्लो

कितलीशींच पोन्नी लातां
पीनकीं कागदा फूलां
फेस्ताचे धनुश्य बाण
आनी कितली पीस्तूलां

घंयरावान धूल्लान भरील्लो
माळ्याचो कणान कण
माळ्यार घुसपून पडील्लें
म्हजें अख्खें भूरगेपण

आदेसभर माळ्यार हांव
पूण नितळ कांयच केलें ना
गुटलावन दवरील्लें भूरगेपण
म्हज्यान हालोंवक जालें ना
गुटलावन दवरील्लें भूरगेपण
म्हज्यान हालोंवक जालें ना

ಉದ್ಕಾಚೆ ಥೆಂಬೆ

ವಿನ್ಸಿ ಕ್ವಾಡ್ರೊಸ್, ಗೊಂಯ್

ದಲ್ಗಾದೊ ಕೊಂಕಣಿ ಅಕಾಡೆಮಿಚೊ ಮುಖೆಲ್ ಸಂಘಟಕ್, ಕವಿ, ಲೇಕಕ್ ತಶೆಂಚ್ ಬಾಲ್ ಸಾಹಿತ್‌ಕಾರ್. **'ಜಾದೂಚೆಂ ಪೆಟುಲ್'** ಬಾಲ್ ಸಾಹಿತ್ ಬುಕಾರ್ ಸಾಹಿತ್ ಅಕಾಡೆಮಿಚೊ ಪುರಸ್ಕಾರ್ ಹಾಕಾ ಲಾಬ್ಲಾ. ಸಭಾರ್ ಕವಿಗೋಷ್ಟಿಂನಿ ಹಾಣೆಂ ವಾಂಟೊ ಘೆತ್ಲಾ.

ಮೊಳ್ಬಾಂತುಲ್ಯಾ ಕುಪಾಂತ್
ಕುಪಾಂತುಲ್ಯಾ ಥಂಡಿಯೆಂತ್
ಲಿಪೂನ್ ಆಸಾತ್ ಉದ್ಕಾಚೆ ಥೆಂಬೆ
ಥಂಡಾಯೆಚ್ಯಾ ಆಡೊಸಾಕ್

ವಾಟ್ ಪಳೆತ್
ಅಖಂಡ್ ಉಷ್ಣತೆಚಿ
ಗಳ್ಯಾಕ್ ಪಾವ್ಸಾಚ್ಯಾ ರುಪಾನ್
ಭಿಜ್ವಂಕ್ ಸಂಸಾರಾಕ್

उदकाचे थेंबे

विन्सी क्वाड्रोस, गोयां

दल्गादो कोंकणी अकाडेमिचो मुखेल संघटक, कवी, लेकक तशेंच बाल साहीतकार. **'जादूचें पेटूल'** बाल साहीत बुकार साहीत अकाडेमिचो पुरसकार हाका लाभला. सभार कविगोश्टिंनी हाणें वांटो घेतला.

मोळबांतुल्या कुपांत
कुपांतुल्या थंडियेंत
लिपून आसात उदकाचे थेंबे
थंडायेच्या आडोसाक

वाट पळेत
अखंड उषणतेची
गळपाक पावसाच्या रुपान
भिजवंक संसाराक

ಹಾವೆಸ್ ತಾಂಚೊ ವ್ಹಡ್
ಪಾಚ್ವೆಚಾರ್ ಕರ್ಪಾಚೊ
ಪೊಡಿಂಗ್ ಜಮ್ನೀಕ್
ಹರಿಯಾಳಿ ಉಗೊವ್ಪಾಚೊ

ರಾನಾ-ವನಾಂತ್
ಪಾನ್'ಝುಡಾಕ್ ಕೊಂಬ್ಯೊ ಹಾಡೂನ್
ಶೆತಾಂ ಭಾಟಾಂ
ಚೊವ್ನ್ ರೊಂವ್ಚಾಚೊ

ಅನೀಕ್ಯಿ ಆಸಾ ಚಿಂತೊಪ್ ತಾಂಚೆಂ
ಗರೀಕ್ ಲೊಕಾಂಕ್ ಥಕಯ್ ದಿವ್ಪಾಚಿ
ಉದ್ಯಾಕಾಚೊ ತಳ್ಮಳ್ ಸೊಂಪೊವ್ಪಾಚಿ
ಸಂಸಾರಾಂತಲಿ ಘಾಣ್ ಸೊಗ್ಳಿ
ಧುವ್ನ್ ಕಾಡೂನ್
ಭುಂಯ್ ಹಿ ದೆವಾಚಿ
ನಿತಳ್ ನಿರ್ಮಳ್ ಕೊರ್ಪಾಚಿ

ಆನಿ ಗರಜ್ ಪಡ್ಲ್ಯಾರ್
ಚೊರ್ ಫಟ್ಟಿಂಗ್ ಜುಲ್ಮಿಯಾಂಕ್ ಘುಸ್ಮೊಟ್ಟವಪ್
ಬೊರ್'ಯಾಚೆಂ ವಾಯ್ಟ್ ಕೊರ್ತೊಲ್ಯಾಂಕ್
ಬುಡವ್ನ್ ಮಾರೊಪ್
ಥೆಂಬ್ಯಾ ಥೆಂಬ್ಯಾನಿ ನ್ಹಯ್
ತರ್ ತಣ್ಯೆಲ್ಯಾ ಕುಪಾಂಚಿ
ಕೂಪ್-ಫುಟ್ಟಿ ಕೊರೂನ್
ಸಗ್ಳೆಂ ವಾಯ್ಟ್ ನೊಪೊಯ್ತ್ ಕೊರಪ್

ಇತ್ಲ್ಯಾ ನೆಟಾನ್ ಮೊಳ್ಬಾನುತ್ಲ್ಯಾನ್ ದೆಂವೂನ್
ಕಾಯ್ದೊ ಫಡ್ಯಾಂಕ್-ಮೊಡ್ಯಾಂಕ್
ಖರಿ ನೀತ್ ಶಿಕವ್ಪಾಕ್ಯಿ
ತಾಣೆಂ ಪೆಂಗಟ್ ಭಾಂದ್ಲಾಂ
ಆನಿ ಪರ್ತೂನ್ ಎಕ್ ಪಾಉಟ್ಟ್
ಸುರಿಯಾ ದೆವಾಚ್ಯಾ ಆಧಾರಾನ್
ತಿತ್ಲ್ಯಾಚ್ ನೆಟಾನ್ ಮೊಳ್ಬಾಂತ್ ಘುಸೂನ್
ತ್ಯಾಚ್ ಕುಪಾಂನಿ ರಾವುಂಕ್ ಚಿಂತ್ಲಾಂ

तवेस तांचो व्हड
ाचविचार कर्पाचो
ोडिंग जमणीक
रियाळी उगोवपाचो

ना-वनांत
ान'झडाक कोंबऱ्यो हाडून
ोतां भाटां
चोवन रोंवचाचो

अनीकयी आसा चिंतोप तांचें
गरीक लोकांक थकय दिवपाची
उदकाचो तळमळ सोंपोवपाची
संसारांतली घाण सोगळी
धुवन काडून
भुंय ही देवाची
नितळ निर्मळ कोर्पाची

आनी गरज पडल्यार
चोर फट्टिंग जुल्मियांक घुस्मोट्टवप
बोरयाचें वायट कोर्तोल्यांक
बुडवन मारोप
थेंब्या थेंब्यानी न्हय
तर तणशेल्ल्या कुपांची
कूप-फुट्टी कोरून
सगळें वायट नोपोयत कोरप

इतल्या नेटान मोळबानुतल्यान देंवून
कायदो घडप्यांक-मोडप्यांक
खरी नीत शिकवपाकयी
ताणें पेंगट भांदलां
आनी पर्तून एक पाउट्ट
सृिया देवाच्या आधारान
तिनल्याच नेटान मोळबांत घुसून
त्याच कुपांनी रावुंक चिंतलां

कोंकणगार प्रकाशनाचे बूक

१. माडा थावन तेलाखणी परयांत

आंटोनियो वेरोनिका फेर्नांडिसाच्या इंग्लिश बुकाचें कोंकणी

लिपियंतर आनी संपादन – वल्ली क्वाड्रस

मोल: रु. २५०

ISBN: 978-81-944839-0-8



२. सांकव

वल्ली क्वाड्रसाचो वेंचीक कथा जमो

मोल: रु. २००

ISBN: 978-81-944839-1-5

३. मयलाफातर

राश्ट्रीय कविता संकलन

लिपियंतर आनी संपादन – वल्ली क्वाड्रस

मोल: रु. २००

ISBN: 978-81-944839-2-2

Email: konkonngar@gmail.com | WhatsApp: 7021967880

Haves tancho vhodd
pachvichar korpacho
podding zomnnik
horialli ugoupacho

Rana-vonant
pan'zhoddak kombreo haddun
xetam bhattam
choun romvchacho

Onikyi asa chintop tanchem
gorik lokank thokoi divpachi
udkacho tollmoll sompoupachi
somsarantoli ghann soglli
dhuvn kaddun
bhum-i hi devachi
nitoll nirmoll korpachi

Ani goroz poddlear
chor fott'tting zulmiank ghusmott'ttoup
boryachem vaitt kortoleank
buddoun marop

Thembea thembeani nhoi
tor tonnxel'lea kupanchi
kup-futt'tti korun
sogllem vaitt nopoit korop

Itlea nettan mollbanutlean demvun
kaido ghoddpeank-moddpeank
khori nit xikoupakyi
tannem pengott bhandlam
ani portun ek pautt'tt
suria devachea adharan
titleach nettan mollbant ghusun
teach kupamni ravunk chintlam

UDKACHE THEMBE

Vincy Quadros, Gõy

Dalgado Konkani Academycho mukhel songhottok, kovi, lekok toxench bal sahitkar. **'Zaduchem Pettul'** bal sahit bukar sahit okaddemicho puroskar haka labhla. Sobhar kovigoxttimni hannem vantto ghetla.

Mollbantulea kupant
kupantulea thonddient
lipun asat udkache thembe
thonddayechea addosak

Vatt pollet
okhondd uxnnotechi
gollpak pausachea rupan
bhijvonk somsarak

Ek ghoddgoddo kaim ghulo
ek sapxiddoye pott
ek sondhyecho poddgo
ek tambeachem chipott

Mhoje auddicho pelo
Ek chepam poddil'lo
tichaki saikoli
sittar choddil'lo

Ek ajeachem vholter
kapodd naxil'lem
ek zatrentolem ghirghirem
taje kuxin boxil'lem

Mannkuli chul kukule top
kaim anxe buddkuleani
cheachem gallnne sanulem
khellpak ranchevaddocheleani
thoinch disli ek bauli
moddkea hatanchi
pingxa kesanchi ghalun
khomxi khotanchi

Kaim rikameo kaxi
sursureacheo ani pausacheo
ani kaim yadi banil'leo
choutichea disancheo

Akaxodivea pon'no
sangaddo moddil'lo
pinkea folimsoit
maknapona doddil'lo
ek reddiyo 'filips'
ttronka mullak poddil'lo
vividhobharoti khollar mollar
aikunk haddil'lo

Kitlixinch pon'ni latam
pinkim kagda fulam
festache dhonuxy bann
ani kitli pistulam

Ghomyravan dhul'lan bhoril'lo
malleacho konnan konn
mallear ghuspun poddil'lem
mhojem okhkhem bhurgeponn

Adesobhor mallear hamv
punn nitoll kainch kelem na
guttlaun douril'lem bhurgeponn
mhojean halounko zalem na
guttlaun douril'lem bhurgeponn
mhojean halounko zalem na

MALLO

(Urjita Bhobe, Gõy)

Nitoll korunk ghor
hamvem laili nisonn
mallear choddun voir
niall'lli sorbhoutonn

Xallechea spordhechi dhal
voir boxil'li
ghomyravachi vhoddli zhalor
tajer doxil'li
ek doptor pon'ne
burakanchem, lhan vhodd
itihas, bhugol bhorun
lagtalem tem zodd

Kovita, kannio, lekonam boromvchea hichea kovitencho zomo **'Urza Strot'** porgottla. Poinnari-viz hannim manddun haddl'lea De|Wilfy Rebimbas smarok okhil bharoti-i mott'ttachea sahitik spordheamni inamam apnnaileant.

PROTIBIMB

Uday Narasimh Mhambro - Gõy

Tujea mannkulea paulamni
ghorak thakai dili
ghorachi zomin, tizule, sopnnam
ghoracho bhar asa khandar
tem khinnbhor visrunk pauli

Ghoran aplim daram, zonelam
xekanoxek ugti keli
tujea khellantoli zonauram
jiti jivi zaun
salbhor vaurunk lagli

Ghorache vonnttik legit
astat khoim kan
tujea luddbea avazakodde
ghorache soglle kan lagle
bakiche avaz aikupak
ghorache kan bosle

Khup vorsam ghoran
rong pollounk naslo
tumve vonnttir bhirkottaun
vonnttink jivo haddlo

Ghor atam bhul'lusolam
ghor polloi dhadosolam
tujea rupan ghoran
aplem protibimb polloilam

Kovita, podam boromvchea hache don kovita zome **'Hoi Saibha', 'Monxachea Sodhant'** porgotteat. Ashawadi prokaxonan mumboyant choloyil'lea kovitapatthant hachea kovitencher somikxa-odhyoin chol'lam. Sobhar kovigoxttimni bhag ghetl'lea hannem kovigoxttink choloun soit velam.

JIVIT

Sunetra Jog, Gõy

halim halim mhaka matxem jivit kollunk laglam
konn konnacho nasta hem soty holmunk laglam
ghovo, bail, dhuv, put sogllim natim fott
soglleam vangdda asun legit ekttem disunk laglam..

Aple mhonnun zancho kelo mog aizomeren
tankam legit atam mhojem vojem zaunk laglam
dheas ek monant gheun jivo zolloilo
atam dista khointori mhojench chukunk laglam..

Kallzantlean dekhil'lem sobit sundor sopon
purai na zait hea bhomyan kalliz roddunk laglam..
DuHkh mhojem utram zaun jen'na yeunk laglam
hamv taka ek bori kovita somzunk laglam....

M.A. Podyut'tos xikop zoddpi konkonni toxench moratthink torzonn, kovita, lekonam boroita. Gõy konkonni okaddemicho puroskar, kola somskriticho puroskar zoddpi.

Mohok thondd vharentu
khoncho ki ragak
khonche ki tallak megele
pavul . . Rat soglle
bhomvtati.

Ani it'te.. Ujvaddu zal'lo... Monntona..
Hamv kes olloun
fanti vinddun ghet'ta.
Champe ful'lom megele
makxi yet'tatim
angacho pormollu
bhair yenatoxi
vorol pangurn ghet'ta.
Novin ek sopna kuddko
yevun dolle eddkentu bosta.
Toxi chomkota ...Porot
chitrantuli chel'li zat'ta.

Tu ailo. Kednache vhori.
Chit'tara voyile dhull puxita.
Ek ghoddi pollvunu..
Mukhari vot'ta anyek
chit'tara laggi.

Chit'torantuli chel'lielo
tondda voilo hasu
disnave tukka?

Anni.. Bavun nelari
poll'llele tem doni
champe che ful'lom..?

[* chit'tur = pintur, * chel'li = cheddum]

CHIT'TARANTULI CHEL'LI

Sheela Bhandarkar, Mysore

Sanz ...
Kallok manddche fudde
chandnne fultona..
Hamv demvta
chit'torantulen hem bhumycheri.

Kes fappunn ghet'tona
akaxantule nokxotra raxi
hanga ujvaddu ximpta

Megele angache sugondh
pormollotona ..
Hozhar champe ful'lom
ekk volle fultatim.
Dolle eddkentulen
kednach ki sopna cho
eku kuddko tunttun poddta.

Konkonni, kanoddi
bhaxent kovita, kannio,
lekonam boromvchi
hi torzonn korta.
Akaxvannicher toxench
kovigoxttimni kovita
sador keleant.

Ailo samvar
ghuspole somest
mithok ani fikxon
hanchea uttongarant
nachoit khelloit
dhalo- fugddoyo -xigmo
ani uprant
jinnechi dhulloudd korit

Smritibhronxachea duyemsan
ghaleo add
tornneo kuddi
lodd xedding chea nimtan bandil'lea
kallkhachea bolkamvancher
ugddasachi foskam pettoupi
kudd'ddoya - bhedd'ddoya -xoktihin
mhatareakotarea
dodhichinchi haddam
marit raulim korondayo
punn itihas visrun gel'lea
kusankiddink urlina as
fulpakuleachea mukt udd'ddannachi
kallkhea kupanchi
chitrovichitr painjelam
bandun ghalun
chokchokote fremint
mollob ailem dattun
svoimprokaxit kazule
ani sury chondr nokhetram legit
ghumvle - liple sodit
kalcho kall
kalche dis
kalche khinn
fremichea ujvaddant

OTIVASTOU DOIVGOTI

Shailendra Mehta, Mumboi

Konkonni, Moratthi bhaxent kovi, somikxok, onkonnkar, lekok. **'Sisifos Tengxer'** hachea konkonni kovitencho zomo porgottla. Kovigoxttimni kovita sador keleat.

Vontti nirmann zamvchemadim
mollob mekllem
kupam viroit
indrodhonnuche kuddisuvalle
sozoit aplea angnnat
apounne dhaddit
vosontoranantlea xeunneank
paxann yugasaun

Vontti ubeo zatkoch
varem addaulem
suru zale
apaplea kholleantole
doxautaranche kale

Pattli, kanknnam,bazubond
pettu naka bhangamr.
Teabdola xikoi ge mhaka
zogak gheunk xingar.

Mottar cholounk xikoitana
xikoi ponkchoruy kaddunk.
Anik xikoi
vattek yetleanche
hat dokey moddunk.

Loz -bhidd, kouchenxil,
kuttumbachi xan.
Thotandda soglim
sangche adim
xikoi atmosnman.

Bud'd gonzoupi riti bhati
matuy xikovo naka.
Zomta toxi dige mhaka
xikxonnachim pakham.

Tona -monacher mhojea
polloupachem nasot hozaramni voll,
zalear ghottmutt ghoddoi mhaka
mongottank divn boll.

Sorbhoutonni zollim mollim
matlea gunddanche zhundd
ai mhaka her kaim
xikoi va xikoi naka
korunk xikoi bondd
korunk xikoi bondd!

BONDD

Sangeeta Naik, Gõy

Cheddum tum ....
Hench koru noka,
tench koru naka
oxem fattim voddun
tu kortoli mhaka
tujechbhaxen..
Chepnnak ghal'li obla.
'bai sor tu fuddem' mhonn,
dharixottoyachem bollgem di
korge mhaka sobla

Nazuk kolli,
fulachi paklli,
soxik payatolem zotem,
oxem mhaka vaddhoixit zalear,
urchemna hamv jitem.

Digital Govachi eksekyuttiv sompadok zaun vaur korchea hichim borpam Gõychea nemalleamni porgottleant. Kovita, lekonam, boromvchea hinnem potrikodhyomant soit vaur kela.

PAULLI

Sandesh Bandekar, Karwar

Tugel ongannat poddtali mhogel ghora paulli
atam thomyit poddta tea porzota saulli
ami dogam bostalim sok sokalli
ghevuk sureali kirnnam koulli koulli
lhanponnant ami thomyit khell'llim
ekmekachea sukh duHkhant mell'llim
kitlim vorsam tori ami
thomyit prem' svopnam polloilim
punn tugel bapaik zai axilim
motti=motti nottam koulli
kitle vorsam nontor ami kall
porot ek potti mell'llim
tum tugelea dhavo bora
doni hatant gheun zuvlli
atam tor sogllet sorlet
atam fokot vhaveatat
mhogele dolleantlean paulli

Karvarcho kovi, torzonnkar, toxench nattok, lekonam boromvchea hannem okhil bharoti-i konkonni porixod toxench her sobhar kovisom'mellonamni kovita sador keleat.

KALLIZ UDDTTA MON RODDTTA

Rupali Mauzo Kirtani

Ghor soddun vota ten'na tajey mon roddtta
nokri kama khatir pois takai rauche poddtta

Ghorche yadin tajey monant hunddkea lhar futt'tta
rokddoch votlo ghora mhonnit somzut to kaddtta

Ogich nosto khorch kiteak zodd satthoit urta
korchi paddil'li toddzodd mat lipoit to rauta

Ghorche soglle sonnvar takai khup chukta
mon uktamvonk mat to sodanch fatti sorta

Khuxal asa hamv hanga hasun ghorcheank sangta
sodanch tanka hamste dour deva kodden magta

Ken'na ken'nai kallzak tajyai yadi pill poddtta
ten'na mat holluch tondd uxeat lipoun soddtta

'Dadlo monis tum baba roddop tuka sobna'
utram ghumtat kanant punn mon ten'na aikona

'Zodd monachem vojem az zaina ge pelunk
dukam logit toyar nat mhojem kainch aikunk'

Huddkea lhar ten'na lhovuch uxem bhizoun vota
ravo noz zaun mon sad ghalunk lagta
'ai e ai tuji yad mhaka yeta
yadin tujea mon mhoje sodanch zodd zata
mon sodanch zodd zata'

Konkonni, Moratthi toxench Inglix oni Hindint kovita, lekonam, kannio boroita. Chear kovitazome; **'Mhojeantolem Hamv', 'Mollbathaun', `Wings, My Mirror'** porgottleat. Konkonni bhaxa monddoll (Gõy) puroskar ani T.M.A. Pai Puroskar hika labhl'le promuk puroskar.

RAVOL'LEM GHODDIALL

Rohan Adkabare, Mongllur

Ravol'lem ghoddiall
disak don pauttim
sarko vell dakoita khoim!

Het't pixea,
osli alochon kitea?
raulear tuka don pauttim
yeun polleta konn?

Sekundank sekundam
minuttank minuttam
ghoddxilear matr
vazotleo ghantti.

Tuka hungchem dhamvtana
matr, ghantt
vajtana tujer nodor.

Modhem konnem-i
yad keli tor
fuganaka...
Horyekanti svarth hanga...

Patyenam-i tor
thoddo vell ravo.
Polle somsarak
barkayen ek pauttim
ravol'lem ghoddiall zaun!!

B.A. Xikop zoddpi, notton toxench kovita boroita. Kovita sador korchea spordheant okhil bharoti-i mott'ttar inam' zoddl'lea hannem sobhar kovigoxttint vantto ghetla.

Tantt bimbolom bhol'la xetant
kedna nitoll kortolo ...
Gair uspun gobri vhorun
xetant kedna martolo...

Kujnachea paretik
yero motteo poddleat
zollvachea khopiche
vanxey don moddleat..

Doreant lagla goddgodduk
kitle dis rautolo
mayak paus zhoddlo zalear
khoim re puta dhautolo?

Mumsarat lagla zhoddunk
kedna toram kaddttolo
char dis auyger
bhoinnink kedna haddttolo...

Vorsa zalim gelear taka
azun bapuy zagoita
pausa poile toyarent
azun mhakam nachoita..Re
azun mhakam nachoita..

2
Porot ugddas ailo ..
Tea bhurgeponnicho

Fantoddicher xetant havem
dhukem polloile...
Volinchipp pakham zhaddpi
bokem polloile.

Ani porot ugddas ailo
tea sallkam tolleacho
khollea fuddlea porsantlea
mogrem kolleancho.

Gottheantleo khaunni ani
zollva kuddacho
kandea mallo, mittha konngim,
komea ghuddacho.

Zollva kuddi fattlea motthea
tameam bhannacho
kelli mullant tinnsanjchea
udok nhannacho.

Chane mhoxi ddhoullu gayem
tonna kuddeacho
kunddli, datim,musllam,vainam
bhata muddeacho.

Bhenul'lechea zhopa voilea
humblea chombeancho
modheanicher sad ghalpi
xenkrea kombeancho.

Voyem fattlea khol nillea
chire khonnicho
porot ugddas ailo tea
bhurgeponnicho...
Mhojea bhurgeponnicho.

BAPUI

Ramesh Ghadi, Gõy



Kovita, kannio,
lekhonam boroita.
Bhimb, Jag, Gulab,
Sunaparant toxench
Bhangar Bhum-i
nemalleamni hachim
borpam porgottleant.
Kovigoxttimni kovita
sador keleant.
Poinnari-viz hannim
manddun haddl'lea
de|vilfi rebimbos
smarok raxttri-i sahitik
spordheant inam'
zoddl'lea hachea
kovitencho zomo **'Auy Zalea Zannti'** sod'deak
porgottnnent asa.

Abrilachea mhoineant jen'nam
mollbar lagta goddgodduk
vosrer bosun bapuy mhozo
porot lagta boddboddunk..

Nal'l suklea bhattant sang
kedna vochun paddttolo..
Khollant ghalunk dikhalleachi
toram kedna haddttolo..

MONANTOLO PAUS

Prakash D Naik, Gõy

Monantlea pausant
bhizun gela
goddod tuzo kor
zhoddoit pankham
thuithui nachta
indrodhonnucho mor

Xerouddak choddla rong
dhove ful'l matyent
hatayedo doddla hato
kegdichea zuveant
chorveant raula lipun
novo bhangra potter
duda dikh urla dosun
paddkachea otthar

Othang tujem mollob paulam
tolleachea tollant
moni sanz gabhak yeta
kazuleanchea zallant
vatt polloit darant ubi
amuropiki amor
zollimolli angnni futtla
nokxotrancho chomvr

Xirontoram ghalta fugddi
akuddtta vauxi
vauzhoddichi moza ghet
suknnim olim pauxi
kalche methyecho dag
ozun hatachea tollvear
zhadd tujem zatam olem
vothambe thembentam kallzar

Sharada English High Schoolant xikxok zaun vaur korcho ho kovi, lekok ani vauraddi. Tin kovitazome; **'Chaitar', 'Kastur Gandh', 'Kuttoll', 'Asturi'**: ximebhailem mollob' porgottleat. Durdorxon, akaxvanni . oxem sobhr kovisom'mellonamni kovita sador keleat.

XELLAMV YADI

Rajashree Sail, Gõy

Mhoji aji mhonnttali;
jivit mhonnttat tem,
allva ponauyolem udok,
pausant poddtta ani vareat vhalltta.
Mhoji mauxi mhonnttali;
gorbhache oni mirgache sangu yeta,
ken'n rochta ani ken'na zhoddtta to.
Mhoji bhoinn mhonnttali;
pausant bhijlear ani
ghovan marlear konnak sangtoli?
lovo lovo hamv vhodd zalim oni
mhaka kolluk hanche pauxi totvginean
ojyelo ghorkar allva panauylea thembeavori
rokhddoch vamvn gelo.
Mauxelea pottat ken'na gorbhoch rochukoch naslo,
ani mhoji bhoinn jivitbhor ghovalo maroch khait asli
atam hea rasoull dukhancho
ek paus
ek paus zala

Fr. Agnel Collegint soho-pradheapok zaun vaur korchea hichim kovita, lekonam probondh Gõychea nemalleamni porgottleant. **'Olim Ranam'** hicho porgottl'lo kovitazomo.

XUNY HIXOB

Dr. Purnananda Chari, Gõy

Konkonni vibhagacho mukhest toxench pradheapok zaun vaur korcho kovi, podam ghoddpi, nattokist, vauraddi, gaupi ani uloupi. Hachea git-kovitenche don zome; **'Chingar', 'Bhajan Man'.** 15 somgit koullenk podam boroileant.

Ritea kollxancho hixob kitea lamv?
xuny hisvachem koun kitea gamv?

Yotnachim rotnam kaddunk dory ghusll'lle
vixvas ver ghalun soglle fasall'llem
vanjh doreak kan kitea lamv?
xuny hisbachem koun kitea gamv?

Noulancho dory hupunk tar melloili
dhokeavelea dhokear konni xiddam polloilim
jirnn xiddank thigllam kitea lamv?
xuny hisbachem koun kitea gamv?

Porpidde pall zoun jinn zhoroili
upkar xrap zale, rit jiroili
hulpi jinnek xrap kity zamv?
xuny hisbachem koun kitea gamv?

PIK-VIK

Nazreth Nery Taccode, Mumboi

Kalcho hamve
moje bhumyt
vomplim bhimyam
bhangara sarkim.

Fantear utton
choitam;
konnengi vikall keleant
bhimyam mhojim
mungeantcho

Ghoddyen zhoddon
matyent jirlim
dukam mhojim

Soukas tankam
futtle munge
uttlo rovo
tim vaddlim
ani aili follam

Atam sogllea
bhimyani sangata mellon
zomot apoilea
'hea vorsa
konnachem tupem bhorchem..?'
mholl'lli tanchi
atam
vikall 'chorcha'.

Vomptana asl'lim
nom-igi
bhangara sarkim.

Poinnari.com'cho sthapok soho-sompadok, kovi, somikxok. Okhil bharoti-i konkonni porixod toxench her sobhar kovigoxttint hannem vantto ghetla. **'Gannam'** hachea kovitencho zomo porgottla.

BHURGEMPONN

Manoj Narendra Kamat, Fonde, Gõy

Dhakttulech dolle tuje
sobit mukhamoll
fulam fultat hanxantlean
tum zavumna ozun vhodd

Dhakttulech utor tujem
jiber zata zodd
uddkeo marit dhamvt sutt'tta
poddtta ten'na rodd

Dhakttulench sopon tujem
nhid hamsoita
khell tuje samkech lhan
soglleanchi urba vaddoita

Dhakttulech dis tuje
sobit title mhove
zavum naka vhodd begin
khell ghoddoi nove

Bhurgeponn melltta ekdanch
khoxyen sarunk zai
umedichea lharar hubot
sodanch jieunk zai

Pradheapok zaun vaur korchea hache don kovitazome; **'Rangfall', 'Atma Brahma'** porgottleat. Hachim kovita Gõychea nemalleamni porgottleant toxench sobhar kovitenk spordheamni inamam labhleant.

MUMBOICHO POILO PAUS....

Prasann Niddodi, Mumboi

Poilea pausa thembeamni
dhornni mur varyak ubhoitana
saddi dhorun palomv voddun
ang hivllaun cholchea narin
sotre pondak voddun dhorlem
mumboichea hea poilea pausak....

Bhurgim sontosan uddkonna marun
pausa rayak svagot kortana
hat-gaddyer chha bhojia korcho bhoyea
gomtti lamb korun girakink tillta
mumboichea poilea pausak.....

Hamvyi bhizon kaullo zatana
hat gaddye kuxim hunoni chha
tallear soddun pausa himv dur
korunk bolsak hat ghaltana
bhizl'le nott chiddaun hastale
mumboichea tea poilea pausak.....!!



Hillary DSilva B.A.
Podvi zoddpi,
Poinnari.com'cho
soho-sompadok,
nattokist, kovi,
kanniegar, toxench
lekok. **'Tan'** hachea
kovitencho zomo
Ashawadi prokaxonan
porgottla.
Poinnari-viz hannim
manddun haddl'lea
de|vilfi rebimbos
smarok raxttri-i sahitik
spordheant, 2007
isvent daiz.Kom'cho
'moineacho kovi'
toxench her sahitik
spordheamni inamam
apnnaileant.

Koxem........
Dhuve.... Koxem........
Somsle tuvem
te
mohayatonanche
nirontor
pojdde oteachar

Raxttrachea
bhor kallzantoghoddil'lea
tea
kallkhea ghoddnnuke saun
mhaka dor khinnak
ek prosn sotoita..
Porstrik auy manpi
mohapurux heach somskritent
zolmol'le oxem mhottlear
konn dourotolo vixrvas...

Toso atam
vixrvas
hea vixrvant urunkuch na
to
piso zala
nopumsok zala
tachea sogllea
soiream dhaiream
ani
daijeam sokott

Dhuve,
tujer oteachar korpi
hat
mhojea sarkeach
dadleanche aslem....
Hem soty holmotach
mhozo hamvuch

mhakach kaddon uddoita
norkanchea guvant
ani
tea so norkasurancheo
atddeo bhair kaddun
teo vexir humkollopak
hamv bhair sorta
ghoradharacher mhojem
puruxtv humkollon

Dhuve,
mhaka khobor asa
hangam
monis duyemsan mortat
monis rostear soptat
gaddye pondak poddil'le jivo
eka dhopkeant lattun vota
chopati sarke...
Hoi dhuve,
hamv zanna
to jivo ekdanch mortat
eka dhopkeant kabar zata
punn tuvem
il'leaxa san pirayer
ekach vangdda
tim hozaromoronnam
koxim ge somslim
koxim ?????????

Dhuve mhoje,
nirbhoye............
Tum mornna kodden zhuzun geli....
Sasnnachi nhid gheun geli
amkam soglleank mat
tum lokhkh zagi korun geli

MANOS KONEA

Dr.Hanumant Chopdekar, Gõy

Dhuve,
tujer agllik zal'lea
tea kallea disanchea
akantachi yad yetach
atmeak futt'tta mhojea
kulkuleacho zor
ani
bellxel'lo xello gham'
futt'tta mhojea
bhogbhog poddil'lea
foddfoddopi prannak

Konkonni vibhagacho mukhest toxench pradheapok zaun vaur korcho kovi, kanniegar, nattokist, bal sahitkar, sonxodhok toxench torzonnkar. Don kovitazome; **'Atam Ken'na Tori Pantodd Zatoli', 'Ek Chitt Mogall Ayik'** porgottleat. Konkonni bhaxa monddoll (Gõy) toxench gova konkonni okaddemicho puroskar haka labl'le promuk puroskar.

ONYAI

Guadalupe Dias, Gõy

Taka bapui mhonnapak
kaim kinn poro zale
tika mat auy zamvonk
novo moine lagle

Tori bhurgeancha namvant
somazak bapui dista
novo moineacho hisob korunk
vell konnak asta?

Xikxonnik mallar porzoll'llear
to bapaicho cheddo
vaitt rosto apnnailear
auyk hasta vaddo

Logn vellar vollok koxi
ti bapaichi choli
ghovager chuk ghoddlear mhonnttat
dekh divpi auy meli?

At march bailancho dis
kiteak mhonna ho vegllo
ek disan pusun vochot
on'nyai zal'lo soglo?

'Bhum-i fodd', 'Mollob gonga', 'Zol stholl', 'Natem', 'Asor' hichea kovitenche zome. Kovitexivai lekonam boroita. Lipiyontoracho vaur soit ti korta. 'mothois kuttmacho 2019 isvecho kovita puroskar' toxench hichea her kovita bukank 'Gõy konkonni okaddemicho', konkonni bhaxa monddoll (Gõy), okhil bharoti-i kouyotrincho kavea seva puroskar, balo sahity puroskar, yuvo srizon puroskar, gulab, sttifon konkonni kendr thaun 'voleriyon grexiyos puroskar' hika labhl'le her promuk puroskar.

PROUCHON

Elas Alangar, Mongllur

Herank prouchon.
Tanchebhitor kurleanche
gunn.
Mogan jieya
mhonnon ditat xikon.
Punn tanchebhitor
bhorlam mosriponn.
Sodd re minga
sokkodd nhohimre toxem...

Ekleak polleylear
onoikleak zaina.
Tanne kitem-i sanglear
haka zaina.
Hache aikanatlear
tache demvchar ponn.
Sodd re minga
sokkodd nhohimre toxem...

Haka podvi, namv
bijines moindd.
Tache sadhemponn.
Haka asot sompt't.
Tache udar ponn.
Hanche modhem zata
sodanchch zottapott.
Sodd re minga
sokkodd nhohimre toxem...

Sodd mhonxea poilem
tuje kusddeponn!!
uprant di tuji
xikon, prouchon.
Jiemvn dakoi
svotha tuje mhonxeaponn.
Uprant mukarsi-i
misamvache poinn.
Sodd re minga
sokkodd nhohimre toxem...
Osat re sobar borem....

Alangar gamvcho Elias DSouzak isrelant Kam' Korun Asa. Kovita tosench kannio boroita

MONXACHEM MOTTONN

Deepraj Satordekar, Panchowdy Gõy

Ek dis bokddeak
khain dislem monxachem mottonn
titthyar voch zalear
ghe raxi..
Tombddem gunz mottonn
gheunk gelear
konnak goddem'mut
konnak kensor
konnak eddso
konnak tti.Bi.
Duyemscheo ghe raxi
bokddo urlo upaxi

Bokoddyan mottonn magir
onlain ttrai kelem
monxeachea mottnnachi saitt keli opon
opxon ailem
konknne-musloman-kirisotamv
tannem 'konknne' klik kelem
portem opxon ailem..
Bhatt-bamonn-vanni
xett-mhalo-mesot
khakhi-gauddo-bhonddari..
Zaticheo ghe raxi
bokddo portun upaxi

Bokddo portun
titthyar gelo
tannem tinuy dhormache
zati katiche
vantte molaile
soglleancho
rong ek, kalet ek
vegllem kainch dislem na
apli zat khoinchi kai?
tivyu taka kollli na
vicharancheo ghe raxi
bokddo babddo upaxi



M.A. Podyut'tor xikpi nattokist, kanniegar ani kovi. **Sunaporant, Bhangar Bhum-i]** toxench her nemalleamni kovita porgottleat. Kovisom'mellonamni kovita sador kelear.

TI VATT

Clive Soz Bolliye, Mongllur

Nam nam mhonnun roddtteleam lagim sogllem mell'llem,
sogllem asa mhonntole rostea degen nidun asle.
Ani te nirgotik, thibho laglole

Reddeachi duk kaullo kitem zanna?
gad matr soglleamni ghajli
kaulleachi bhuk reddeaxivai konnak disli?

Rogot chimvchea kironttimporas,
kaulleachea bonchint asli moza
hanga, sodam monxarupar bolpe ubhe

Borya monxeank koxtt chodd
dekun koxttam thaun pois rautamv
ani opnnankcho bore mhonntamv

Tuvem torkak demvtana
hamv pattim sorlom
chintinaka hamv nennari mhonn
hamv zannari-i nhoi

Tork tor sol'lo korit, osmitai udeyt
dondv haddoit, monxaponnam moron poddtit
hamv, hamv zaina zait

Kovita, kannio boromvchea kloiv soz bolliechim boropam konkonni zallizageamni toxench nemalleamni porgottleant. Sod'deak kuveyttant vaur korun asa.

Naddvara kuddko bhumyt
sokallim taza porzolli
anacho dhovo puddvo
sanjer tambso sodam-i...
Korkottea vota ujeant
sukidhadd poddlelea xetak
anachea ghamachi xekai...!

Vhoddlem fesot va utsou
bhut kol tombil
gamvant borem falem
unnem natlem kaim...
Ghorchea komlba pottant
buskott zaite tori
ruka pallam onek
mull ek mholl'lleborim
dhovo puddvo nheson
bhair sortalo an rai...!

Vellan kallachim panaṃ
hallu vollu portitana
kolva pakem vochon
nollea saullechi mell'lli sosai...
Mam-i anachea ghontterant
panch cheddvam suknnim vaddon
dadlea guddank ublim tor
panch torne komble amim
teganim dhorli gadeam deg
anyekleak bomboichi dig
nimannea ped'dak mhaka
golfa dhogi dovant bhijchi pisai...!

Kagda panar axar paxar
besamvam, dukham toxem novem
khontixtt bhoinn, bhavachem rinn
mam-i anachea runnak
kuskutt golfa duddu
kitlo laboit purti thonddai...
Mamychea koplacheo mirio
anache oskot borio
kallachea kantteank bauli
maloghddea manddeanchi pirai...!

Faleannea eka sokallim
vaurar zhojchea golfa thollim
ovchit xeuttali khobar kanank
an ani na mholl'llench
dolleank manddlo kallok
dukamnim bhijli remv...
Utta uttim dhaunni bhognnanchi
lamb rund disli vatt gamvchi
uddann ubtana ucharoli xinn
anak tujea lagim apyil'lo
kitlo kotthor tum devo...!

Kampkure pai angnnak tenkle
kuttma kinkratti kanank tople
mamyk mogan bhuzaitana
bhavo bhoinnini bollan arailem
bore monis devak lagxile vhoi
usvas dil'lea jinnye datarak
morna pettent pollemvchem
mhaka kalliz konkcho ghai...
Fulam jheleam sumrgar bhoddveak
ana songim dhullik mellchem bhag
puddveak
purxamv xermamv somplo
vaddea gurkaran gunngunnotana
adeusa utra man
jivitant poile pauttim
bhavartha orth koddu dislo
"zolmol'lea horyekleak ek dis
moronk zai". !

ANACHO PUDDVO...!

Chikka Panglla

Hamv bhum-i poddlea vella
nitoll lugtta vostrak
borgal aslea kalla
loz kaxtter lipon
anan aplea puddvean
mhaka guttlayil'lo mhonnon
sodamnit puspusotali mam-i...!

Ek xher tandvak
ghorant bara vantte
bhuke malter
disak ekuch pauttim
hajri galchi doi...
Mamychea palva kuchche ganttir
chil'lor anneancho femrgo tor
anachea mundda burakank
thoim thoim suvi sutan
vhollul'li manachi vom-i...!
genni bhikek labul'lea

Herman Rayan Mendonca mull Panglla (Shankerpura) gamvcho, kovita toxench kannio boromvcho ho sod'deak golfant vaur korun asa.

BHOUTARONNI

Balakrishna Malya, Kochchi

Ti mhaka choili hamvem drixtti polleyli
xuru zali amonchi kollta tumkam kanni
jivitache poilim agroham tim ailim
monak chitarili mounache bhourongani
okxoram korantilim ut'torank jinn dilim
premache sayin suxobhit borpani

Gorbhache kuddintu ektham-i amim nidelim
tije dolleantasoli mogachi goddsanni
hastachasoli nenn kitea ti hastali
hridoi ful'lelem mhoje vixvachi ti ranni
atmachi hunsanni mogachi mayeli
mon vox dhorli momteche pormbollani

Tika kolltasoli mhoji zonmakunddoli
ti vollkhotasoli mhoji purai kanni
mhoje sukhdukham ti nhoive vhauntali?
koxttantuy zhujhli rit'te te hatamni
bhumyer pai lagot axa mhostasoli
tinne nhoive dhorlili mohache vhonttini?

Koll nat'til'le bhaseni kiti ki uleylim
kiti amim zannlim tench amim nenni
ubuche porveank dhorunk uddki hamvem marli
mallbak dhoro mhonn tinne dourli nisnni
zanna mhoje hridoyant ti eklich asil'li
mhoje ekek xvasakasa hamv tizo rinni

Jivitachi porikxa mhoji tinne mu boreyli
ani te borpam khal mhoji ghaleyli nixani
bhinn'nn mat'theantu bhit'tor divli mu zolleyli
bhizudd pisantt mhaka kel'lo tinne gunni
zonmanche punnean ki tika devan bolleyloli
oniek nibbani zavun bhovachi tarnni?

Ti mhaka choili hamvem drixtti polleyli
xuru zali amonchi kollta tumkam kanni



Kovi, kanniegar, lekok. Hachea kovitenche don zome; **'Jiva Sankalp '**, toxench **'Atmagat'** porgottleat. Okhil bharoti-i porixod toxench kovigoxttimni kovita, uloupam sador keleant.

DHAMV

Antony Barkur, Mongllur

Mhozo 'kolig' melo.
Bosl'lea kodde portalo
anim
resott rumant melo,
korchem kam' ordhear soddon...

Tachea boskecher bosl'lom (bosyil'lom) hamv
ten'na ten'na
svaulokonachea gol'lemnim
sanddun vetam...
Sorv kameli ghora gel'lea uprant,
mhojea kamachea somsrant.

Tacho kibordd, pepram,
kompyuttorar chiddkayil'lo dhakttulo gonnex...
Mhaka tacho ugddas haddtat.
Heo 'ddedd loini', modheanenchim lamb voram,
ratik pamvche omerikon 'i moil' sondex,
mhaka tacho ugddas haddtat.

Kitengi azkal afisantoli e. Si.
Mhaka morchuvoricho ugddas haddta.
Uzo dekhtana bengllurchem suddkadd
dolleant zollta.
Tasl'lem matem, dhovem vostur
anim tea dolleank soddon...
Mhojea putak dekhlear, tachea putaborinch dista...

Mhozo pasportto mell'lla anim hamv
omerika ubhchear asam.
Tuka melltana tondd chukon
'porot melleam, si yu sun' mhonntam.
Tokxonn e.Si. Anim uzo dolleant bhorun yetat.
Hamv tea boske teuxin dhamvtam, vixevo axeun.
'porot melltolongi' mholl'llea sovalank matr
gonnex zovab dichnam.

Computer Engineering korun softtver injiniyor zaun vaur korun asa. **'Katt Tuttcho Vell'** hacho porgottl'lo kovita zomo. Daaiz. com cho 2007 vorsacho kovi puroskar zoddl'lo ho kovita toxench kannio boroita. Sobhar kovigoxttimni kovita sador keleant.

NAM TOR TUM

Annie de Colvale

Mon mhojem
aiz kiteak oxem?
hat mukhar yenat
tor borvom koxem?

Kallzant zaitem bhaulam
monantuy tem rochlam
punn hie kagda folir
haddum koxem?
hat mukhar yenat
tor borvom koxem?

Nam tor tum
dollea mukhar aiz
hie folir poddttat
fokt utranchi ras
nam tatunt bhaunam nam kounam
tor kovita hamv rochum koxem
kovita hamv rochum koxem?

Annie Fernandes ek tiatrist, kovi ani lekok. Amcho Avaz, Fuddari, Ujvadd, Gulab, Dor Moineachi Rotti nemalleamni hichim borpam porgottleant. Hiche don kovitazome; **'Umalle', 'Xikar'** porgottleat. Volerio karvalho konkonni puroskar, 125vo tiatristt vorsugecho puroskar hika labhl'le thodde puroskar.

Nivllottolo atonkovad
dexauyolo bhar
bhroxttachar... Sarkem
umedi narem,
ditalem protsahat
pon'nea nottink
bolidan diunk.

Cholloull soptokuch
bhangranchea tizorit raupi
pon'neam nottinkuy,
mellpak lagli vagnnuk
ochhutamvori.
Noveo notti
zolmak yetanch zaleo
kupoxit.
Monant nastonai tenka
rauchem poddlem axrit mhonn
bhanddouloxahichea dobavant...
Dhorm' porivrton korun
kallea poixan ghetlo
bhailea benkani razaxroi
yudhd patller zalo pnoitn
tenchea ghorvaposi khatir.

To khoyuy pavo
to khoyuy ravo
teka na bhoi.
Vicharil'lea prosnank
kel'lea aropank
tezo ekuch zovamb...
Bharot mata ki zoi
bharot mata ki zoi

KALLEA POIXACHEA AROPANT

Amey Naik, Gõy

Kallea poixachea aropant
kitleoxoch notti
bhogtat zolmotthep,
dubavit mhonn
'rijrv benkechea' bondkhonnit...

Hea cholloullint
gandhi-i
apkhoxeyon zalo meter
tennem soddlo zago
bodl'li dixa
ani tonnauyolo
ronguy.

Akaxvanni Gõy,
kovisom'mellonamni
kovita sador keleat.
Porgott zal'lo
kovitazomo:
'Mog Dot com''.
2017 isvecho sahit
okaddemicho yuvo
puroskar zoddpi.

veakhean oxim kitlexe vixeamveleo kovita hantu vachuk melltai. Xoiloni ani vicharamni purai rochnai dorje voileo mhonn sangpak zai.

Hantulea dor ek koviteche vixim niall gheup prayogik nhoi. Sogott kovitai boreoch. Char matemvelean ful'lelim pormollit ani sobit sundor fulam asun somstank ho kovita vachnatlean ek oglle veglle onubhuti ditleo hantu dubavo na. Lipi khatirochi oddchann sonxeynaxem konnakoi kaveam asvadon korpak zatle mholl'llele khoxeche khobor. Her bhaxenkodden tullon kortona ajy konknni kovita gunnamni yogy sthanacher asa oxem dista. Hantulea somst kovinkoi yex anddeupakoch zai.

Ek prodexantole sahity ani prodexantole sahiteache poros mohtvache oxem na. Portun sangtona, ken'na her prantantole sahity thollavi lipincheo vomyom humpun bhair sorta ani mukhel xrennint pauta ten'nach konknnichi ekikoronn zata. Lipinchye hetamni somazant ghamsun rautolo veglleponn pois korpak hea sarkecho novo novo ghoddnnuko nimit zata. 'nanatvant ektv' he sahiteache vorvi zata dista.

Konknnichi girestokai vividodayentoch progttaun dista. Hazo khorem sondex dita Valleybab hangelo oprup ani porzollit dixa dakhoupi ho "Moila Fator". Mhonnunoch sompadok Bab Valley Quadras hanka valor!

R.S. Bhaskar
Cochin, Kerala

EK MOIYLA FATOR - KONKNNI KAUY ITIHASACHO



Itihasik karnnak lagun konknni zonpod mullpitth Gõy soddun kornnattok keroll moharaxttr adi rajeant stholantorit zale. Hamnnim mai bhas somballun ghetli. Ani hangemlea vatten adim kallant saun sahiteachi va kaveachi rochna zali.

Kauy sahiteache itihasant nodor martona sont oppoya, raghva, auddi, zogva oxim namvam purvil'le kovichim mhonn ul'lekh zala polleunk mellta. Gõy muktiche uprant kaveachi rochna nettan zali. Her prantantleanoi hea prokarant moladik yogdan bi zale.

Protinidhik mhonn charuy vattarantole kovinchi voichik kovitam aspaun ghetilo motto ek kovita sonklon kovi Madhav Borkar hamnni sompadon kel'la. Bakibab Borkar saun axxilea kovinchi kovita hantu mellta. Madhav Borkar hamnnich sahity okadomiche khatir kaddil'lo ani ek songrohuy asa. Charuy prodexantlea kovichim voichik kovitencho sonklon toyar korun ani ek borem vaur kerllantlean zala Dr. L. Sunitabai hangelea vatten. Deunagori lipintoch. Sahity rochnek khatir kerllantole lekhok deunagori soddun moleallom' lipi vavurotai oxem ken'na na. Adim samvnoch hangache sahityikamni deunagori apnnaila. Purai sahiteache nirmann zala hea lipitleanoch. Hea sondrbhant he suchoumpache goroz asa dista. Voichik kovitencho ani ek jhelo melvin roddrigs hamnni sompadon kel'lo. Kon'nodd lipint.

Atam charuy rajeantlea kovinche voichik kovitencho jhelo konknni kovitechea itihasant novo odhyai uktaun deunagori romi kon'nodd oxim tin lipini toyar korun mohtvacho vaur ghetla vali kvaddros hamnne. Konknni kaveachea itihasant ho ek 'Moila Fator' mhonn sanguk zai.

Sumar 27 protibhaunt kovinchi kovita venchun kaddun hea sonklonant aspaun ghetlyai. Prokriti, monis, natem, prem', monxeam bhitrolo gunn, bailancher zaupi onyai, somajik ani raxttri-i sombondit vixeam, bhurgemponn, hulpi jinn, apunn vosti korpi ghorakoddeche monxeache natem, jinnechem

Mhaka kollunk hanche pauxi totvginean
ajyelo ghorkar allva pana voilea thembea vorim
rokhddoch vhamvun gelo.
Mauxelea pottant ken'na gorbhuch rochunkuch naslo,
ani mhoji bhoinn jivitbhor ghovalo maruch khait asli
atam hea rasoull dukhancho ek paus
ek paus zala.

Hea kounamni monxachim bhaunam attapotat. Somazachea vegvegllea prosnancher harso dourun, monxa sombondachea poklloponnacher niall korcheo ani prokritichea dekhintlean monxa kodde ulouncheo heo kovita khoreponnim ami vachun tancher niall korunk favo. Tantum aschim vastovik sotam, kalponik rupam, monxa jivitantolim khotam ani borea fuddarak aschim chintnam amche kodde uloitat. "Moila Fator" namvacho ho kovita jhelo lhanank toxench vhoddank jivitacher kholayen niall korunk preronn dita. Kounantolim bhaunam vachun, ontoskoronnachem dar ugddun, monantoli ghann nitoll korun, rochnne kodde ani rochnnara kodde bore ani khore sombond zoddumya.

Lamb Jieum Konknni Mai!

Jason Pinto, SDB

Oslinch omurt kolponam vaprun hea kovita jheleant amkam sabar kounam vachunk mellttat. Udaybabachea "protibimb" kovitem tannem omkea eka monxachea yennea vorvim zo bodol ghoddla to utraila. Sheela Bhandarkarale "chitrantuli chel'li" he kovitent chitrachi khunna vaprun ti striyeche sobayacher amchem lokx kendrit korta. "xuny hixob" he kovitent do. Purnananda Chari aplea olonkaratmok utram vorvim monxa molacher nodor ghalunk amkam atur korta zalear "monxachem mottonn" he kovitent dipraz monxakullant axil'le fattafutti (division) vixim ami kholayen niallcheak amkam ulo marta. Toxench "ti vatt" he kovitent soimik gozalincho vapor korun kaim tatvik sotam klaiv sozan vachpeam mukhar dourleant. Hoch vixoi xoilendr mehtache "ostitv doivgoti" he kovitent amkam monxachea sobhavacher kholayen nodor ghalunk prerit korta. "na tor tum" he kovitent onibayen riteponnachi bhauna ani ballokrixnna molean "bhoutoronni" he kovitent monim utram, vyokt korunk zainasolim tim bhognnam/ bhaunam gombhir utramni vyokt keleant. Tantleo heo don volli.

Koll natil'le bhasamni kitem ki uloili

kitem ami zannli tench ami nenni

Omurt kovitanchea vorgant rohon addakoborechi "ravil'lem ghoddeall" he kovitent ravil'lem ghoddeall hem rupok vaprun jivitachea kaim sotancher ami niall korunk to amkam apoita. Tantlim him utram vachpea kodde thett uloitat –

patyenai tor
thoddo vell ravo.
Polle somvsarak
barkayen ek pauttim
ravil'lem ghoddeall zaun!!

Monis ani prokriti

Prokriti ani prokritint ascheo zaiteo gozali monxak urba ani preronn ditat. Prokriti monxa kodde uloita. Tatvik ritin sangchem zalear, rochnnar devo aple rochnne vorvim aple rochnne lagim uloita. Rochnnechea vixeacher adaril'lim him kounam hem sot vachpeam mukhar dourota. Prosn'nababalo "mumboicho poilo paus", neri najretachi "pik vik", prokax naikachi "monantolo paus", Vincy Quadrosachi "udkache thembe", sondex bandekarali "paulli" ani Rajashreebai soilachi "xelamv yadi" heo so kovita prokriti/ soim'/ soimb ani taka sombondit her gozalim, hancho vapor korun monxacho obhavo ani sobhavo vyokt korta. Hanche modem Rajashreebayechim utram amkam niallunk prerit kortat.

vixeacher kaim kounam hanga asat. "dhamv" he kovitent antonobaban adhunikoronnak lagun zal'lea monxa sombondamni upraxil'li futt vachpeam mukhar dourlea. Bapuy ani bapuyponnacho mog hea vixeacher chikk pangllachi "anacho puddvo" ani romex goddichi "bapuy" kovita amchim kallzam murgottaitat. Him kounam amchea kuttumbamni axil'lea "bapuy" mholl'llea vyokticher ami bhor ghalunk amkam ulo martat. Xekim ek tatvik sot chikk panglla amche mukhar dourota –

"zolmol'lea horyekleak ek dis
morunk zai" !

Takach sombondit, monxachea jivitant konnakuy adeus mhonnttona kalliz bhognnamni/ bhaunamni bhorta. Rupali Mauzochi kovita "kalliz uddtta, mon roddtta" hinch bhaunam vachpeam mukhar dourota. Monxa jivitant bhurgeponnacho mhotv konnacheanuy nakarunk zaina. Bhurgeponn monxaponnachi bunead ghalta. Tem ami sodanch jieunk zai. "bhurgeponnacheo yadi" he kovitent Manoj Kamatan hich kolpona tache kovitent uktailea. Tancheach utramni –

bhurgeponn melltta ekdanch
khoxyen sarunk zai
umedichea lharar ubot
sodanch jieunk zai

tich kolpona "mallo" kovitent urjita bhobe legun vyokt korta.

Adesobhor mallear hamv
punn nitoll kainch kelem na
guttlaun douril'lem bhurgeponn
mhojean halounk zalem na

Monxacho sobhavo somzunk hanga thoddeo omurt kovita amkam melltat. Kovitanchea prokarant "omurt kovita" (abstract poem), hea prokarak aglloch ek mhotv asa. Ghoddye teo kovita amkam somzunk koxtt zatit, punn tancho sondex kalliz fafxinasotona rauna. Dekhik, "prouchon" he kovitent eliasobabalim him utram.

Sodd monxa poilem
tuje kusddeponn!!
uprant di tuji
xikounn, prouchon.
Jieun dakhoi
svota tuje monxaponn.

Heo kovita somzun gheunche khatir amchean tanchem mottvean vixlexonn korunk zata. Hem mottvem vixlexonn korcheak vachpeank adar koso, tin gott hamvem hanga rochleat. Te pormannem tin mathalle hamvem hanga dileat :

- monis ani somaz
- monis ani monis
- monis ani prokriti

Monis ani somaz

Monis somazant jieta. To somaz taka palltta posta, vagoita, nagoita, naddoita, haloita, boddoita... Somazant monxan somschim him tekvar bhaunam amkam hea kovita jheleant vachunk mellttat. "kallea poixeanchea aropant", tornnea monacho omey naikan, amchea sorkaran lagu kel'lea nottbondi nimtan zal'lea trasa vixim aplim bhognnam ucharleant. Girestank tacho faido ani goribank tachem luksann zalem. Karonn girest lok desa bhailea bonkamni aplo kallo poiso ghalunk xokle. Tacheach utramni mhonnchem zalear –

dhorm' porivrton korun
kallea poixan ghetlo
bhailea bonkamni razaxroi
yud'dh patller zalo pnoitn
tanchea ghorvaposi khatir

Amchea somazant ostureanchi got koxi asa mholl'llea vixeacher tin ut'tom' kounam amkam hanga vachunk mellttat. Gvaddlupobayen rochil'li "onyai" kovita, honumont chopddekarali "mansoknea" ani songita naikachi "bondd" kovita. Bondd kovitentleo heo volli bailanche goticher ami niallunk amkam ulo marta.

Nazuk kolli,
fulachi paklli,
sonxik pamyantolem zotem,
oxem mhaka vaddoixit zalear,
urchemna hamv jitem.

Monis ani monis

Monxa kodde sombond zoddchi, umalle vyokt korchi, borem vaitt somzun gheunchi tank asa. Hea vortullant monis koso vagta mholl'llea

BHAUNAM ANI KOUNAM

Kallzantlean dekhil'lem sobit sundor sopon
purai na zait hea bhomyan kalliz roddunk laglam...
Dukhkh mhojem, utram zaun jen'na yeunk laglam
hamv taka ek bori kovita somzunk laglam...

Sunetrabayechea jivit, hea kounantolim him utram hea kovita jheleak zokhtim mhonn mhaka bhogtat. Haka ekuch ek karonn mhollear te kovitent bhognnam/ bhaunam lipil'lim asat, jim tinnem zokhtea utramni uktaileant. Ek kovi kovita kiteak boroita? haka zaiteo zapi asum yetat. Eklo mog uktaunk boroita, eklo dukh vyokt korunk boroita. Dusro eklo ttika korunk boroita zalear anyekolo tokhnnai korunk kovita boroita. Karonn khoinchem-i asum. Punn koviche lekhnne thaun utrayil'lim tim utram kallza monant axil'lim bhaunam utranchea rupar yeun, yomok / prasa pormannem bosoun kovi tim bhaunam kovitechea rupar haddtta. Dekhun kounam him bhaunam, ani bhaunam kounam zaun utram rupar amkam vachunk melltat.

Kovitanchem ami vorgikoronn korunk gelear ghoddye amkam zaite prokar mellttit. Te soglle prokar hanga vornnun tancher niall korunk hamv hanga yeujina. Oslea eka kovita jheleant te soglle prokar mellunkuch zai, oxem-i na. Punn 27 kovitanchea hea songrahant amkam eke ritichi vividhotai pollounk melltta. Hi vividhotai konknni lokanche vividhotayen bhoril'li fattbhum-i, tanche sukh dukh, koxtt sonkxtt, borem vaitt, mog rag, doya maya, auhan pontauhonam, iteadi vachpeanchea dollea mukhar dourota.

Monis hea somvsaracho kendr. Dekhun monxa nodrenuch hea kovitancher ami nodor ghalunk favo. Monxan jieunchea somazantolim, monxak heram kodde umalleamni bhorche sombond ani monxan zolm' ghetil'le prokritintolim ani tantlean ubzounchim bhaunam "Moila Fator" namvachea hea kovita jheleant amkam vachunk melltat. Barkayen hea kovitancher nodor marlear hanche poros chodd vixoi asat mhonncheantuy kaim dubavo na. Zat kat, lipi, prant prodex mholl'lleo vonnti mikvun (par korun) hea kovita jheleachea sompadpean, Sri Valley Quadrasan, konknni bhaxechea itihasant khoreponninch ek Moila Fator ubarola.

MOILA FATOR

Kovi Words Worthan sanglelem utar "Apnna bhitor rombun aslelim bolladik bhognnam bhair yemvchinch kovita zaunasa" hea pustokar disun ailem. Rosall kovitencho onyek pello tujea hatant asa. Sopto konkonnachea lokamni liklelea panank guntun Moila Fator udela. Hea pustokantleo kovita vachtana vevegllea kovinchi bhognnam vomtun bhair ailelem polloilem. Thoddeamni xida utramni sanglear, sobar kovimni mhaka gunddayechea chintpak ghalem.

Kannada lipientolea konkonni kovita xetant yedoll pason thodde kovita sonkolonam porgottun aileant. Kovi JB Moraesan zamv, Swamy Supriyan zamv, Melwyn Rodriguesan zamv hea bukanchem sompadokponn kelam. Valley Quadrasachea sompadokponnakhal soit Ashawadi prokaxonathaun **Motiam ani Taram (2005)', Sagorachea Vattecheo Zhori (2006 -** poilo i-buk**), 'Ximpoddlelim Motiam (2007)', 'Tinterant Pinturam (2007)'** porgottleat. Punn Kannada, nagori toxench romi lipiamni porgottun yemvcho ho khoroch konkonni kovitaxetant ek Moila Fator mhonnocheant dubhavo na.

Poinnari.com' zallizageachem sompadon korun aschea Bab Valley Quadrosan porgott kel'lea venchik 27 kovitenk ekttamvn bukarupar porgott korun konkonni kovita rosikank ek vhodd denngi dilea mholl'lle mhoje khasgi vichar. Konkonni kovitaxetachem nondon zamv.

Prem Moras
Odheapok - University English College, Mongllur

"MOILA FATOR" UT'TOM' UPKROM'

(raxttri-i mott'ttacheo vichnnar konknni kovita)

'Kallea poixachea aropant' he kovi omey naik hangele utkrixtt koviten hea jheleacho gof arombh zata. Kovita, vachpeak kosle anond bhogoita, hem nemkem mudyer thik koxem sangop zauchemna. Punn thik zoxem chokchokun lokx oddun gheta, toxo hea jheleatleo khupxo kovita, kovitechim thikam koxim chokchokotat, tim amchem lokx oddun ghetat.

Hea jheleachim 25 thikam toxim lakhmolachinch, punn soglleanchench mol sarkem eksarokem zaina, hemvuy titlench khorem. Kovitechea babtint tor samkem khorem karonn dor ek chintnacho zo ujvadd gheun yeta, tatunt osonkhy kinni astat ani soglle kinni koviprotibhechoch vingodd vingodd dixttavo dita.

"Moila Fator" ho jhelo songrohit guntla to konknni bhaxi prodexantlea veg- vegllea kovinchea kovitancho konknni bhaxa xoili ani pranti-i thollavo probhavo te te kovitecher asach, dekhun Gõychi kovita, mongallurochi kovita, mumboi - malounnochi kovita apnnale veg- veglle? apnnale sobhavik obhivyoktitlean dakhoitat.

Khoinchea kovitecho ul'lekh kelear, ek dusoryacher onyai zauchona, oxem dhorun kaim kovita khupoch lokxovedhi asat.

Tatunt Shailendra Mehta, Amey, Purnananda, Deepraj, Guadalupe, Hanumant, Chikka Panglla, Elas, Manoj, Prakash adi. Soglleanchem protinidhitv sobta. Konknni kovita atam kus portun raulea. He adim romex velluskor ani Madhav Borkarache pillgen konknni kovitek nove ayam' dileat. Ani atam tanchenontor he kovi aplim voltam kovitent marun toddi hupunk proitn kortat. Khup Ashawadi zaupak horkot na. Konknni kovitecho raxttri-i pamvaddearuy ondu- porum bhovo som'man zala. Nilba zamv porex hech pillgeche dhoni, tanni kovitek protixttha prapt korun dilea.

"Moila Fator", Ashawadi Prakashan an ho jhelo guntla. Tazo sompadop Valley Quadros hanchi tokhnnai korunkoch zai. Mumboit mongllurat te konknni kovitecher te boro vaur kortat, hem mud'dom' hamv nomud kortam. Te bhoutat konknni gamvamni konknneank zoddunk ani ek pul bandunk tanka zoit yemv oxem amvonddetam.

N. Shivdas
Formaguddi, Fondde

Content

- **"Moila Fator" Ut'tom' Upkrom'** (N. Shivdas) 4
- **Moila Fator** (Prem Moras) 5
- **Bhaunam ani kounam** (Jason Pinto, SDB) 6
- **Ek Moiyla Fator - Konknni Kauy Itihasacho** (R.S.Bhaskar) 11

1. **Kallea Poixachea Aropant** (Amey Naik) 13
2. **Nam Tor Tum** (Annie de Colvale) 15
3. **Dhamv** (Antony Barkur) 16
4. **Bhoutaronni** (Balakrishna Malya) 17
5. **Anacho Puddvo...!** (Chikka Panglla) 18
6. **Ti Vatt** (Clive Soz Bolliye) 20
7. **Monxachem Mottonn** (Deepraj Satordekar) 21
8. **Prouchon** (Elas Alangar) 22

9 **Onyai** (Guadalupe Dias) 23

10. **Manos Konea** (Dr.Hanumant Chopdekar) 24
11. **Mumboicho poilo paus....** (Prasann Niddodi) 26
12. **Bhurgemponn** (Manoj Narendra Kamat) 27
13. **Pik-vik** (Nazreth Nery Taccode) 28
14. **Xuny Hixob** (Dr. Purnananda Chari) 29
15. **Xellamv Yadi** (Rajashree Sail) 30
16. **Monantolo Paus** (Prakash D Naik) 31
17. **Bapui** (Ramesh Ghadi) 32
18. **Ravol'lem Ghoddiall** (Rohan Adkabare) 34
19. **Kalliz Uddtta Mon Roddtta** (Rupali Mauzo Kirtani) 35
20. **Paulli** (Sandesh Bandekar) 36
21. **Bondd** (Sangeeta Naik) 37
22. **Otivastou Doivgoti** (Shailendra Mehta) 39
23. **Chit'tarantuli Chel'li** (Sheela Bhandarkar) 41
24. **Jivit** (Sunetra Jog) 43
25. **Protibimb** (Uday Narasimh Mhambro) 44
26. **Mallo** (Urjita Bhobe) 45
27. **Udkache Thembe** (Vincy Quadros) 47

'Moila Fator' *- A compilation of 27 Konkani poems published in www.poinnari.com, transliterated and edited by Valley Quadras, published by* ***Konkonngar Prokoxon, H.No. 1320, Araddy, Candolim, Bardez, Goa - 403515***

(C) KONKONNGAR PROKOXON

First Edition	:	2020
Copies	:	500
Cover	:	Pinto Vamanjoor
Layout	:	Assisi Press, Mangalore
Technical assistance	:	Fr.Jason Pinto
Pages	:	142+4
Price	:	Rs.200
ISBN	:	978-81-944839-2-2

978-81-944839-2-2

Contact:

Email	:	konkonngar@gmail.com
WhatsApp	:	7021967880
Twitter	:	@valleyquadras

Moila Fator

[Raxttri-i Mott'ttacheo 27 Venchik Konknni Kovita]

Lipiyontor, Sompadon: **Valley Quadras**

Konkonngar Prokoxon

Valley Quadras



Udupi talukantlea Ajekar gamvant zolmun, des-videxamni kam' korun sod'deak Mumbomyt jiemvcho Valerian Quadras, BCA, MBA toxench IIIT Bangalore thaun PG Diploma (Data Science) xikun Globol IT Consultant zaun kam' korta.

2001 isve thaun Kon'nodd, Konknni, Inglix, Hindi bhasemni kaim 300 kovita boroileat. **'Chear Mukham** (2003)', **'Kottputolli'** (2004), **'Dorbharantoli Pimrgonn** (2005)', **'Bozar** (2018)', **'Bhitrolo Kovi'** (2020) he panch konknni kovitha zome toxench 'Nouratn (2003)' Inglix kovita zomo porgottola. 'Kovitazhor', 'Kovitadaiz', 'Kovitankor', 'Sovari"him kovitechim onknnam choloileant. Mongllur akaxovannicher kovita prochar keleat.

'Kovitapatth' - 2004 thaun cholomvchem kovitechim odhyoin kamasallam.

'Tinterant Pinturam (2006)', **'Utrant Sutram** (2007)' mholl'llim moineache kovita spordhe manddun haddleat.

'Kovitapatth (2005)', **'Doreak Udok** (2006)', **'Kallok Natl'lo Gamv** (2007)', **'Mugdonatl'lim Gitam** (2017)', **'Sukti Bhorti** (2018)' mholl'lle panch kovitecher odhyoin, sompadon korun porgott kel'le buk.

'Motiam Ani Taram (2004)', **'Sagorachea Vattecheo Zhori** (2005)', **'Tinterant Pinturam** (2006)', **'Ximpddolelim Motiam** (2006)' hannem sompadon kel'le kovita sonklonache buk. Kovitecher, kel'lim odhyoinank gõy, mongllur toxench mumbomyt chol'llea raxttri-i som'mellonamni sador keleant.

Soh-sompadok zaun 'Kannik (1989-1991)', 'Udev (1990-91)', 'Amcho Yuvk (1990-91)' potramni vaur kela.

Sompadok zaun **'daaiz.com** (2003-2011)', **'poinnari.com** (2015-)' sahitik zallizageacher vaur korun asa.

Ashawadi Prakashan thaun 46 buk porgott keleat ani her kovinchea bukancher prostaun boroun, sompadon, lipiyontor korun porgottleat.

Konkonngar Prokoxon

Moilafator

Venchik 27 Konknni Kovita

Sompadon: Valley Quadr